# कोंकणी समाजाच्या
# पुनरुत्थाना पासत
# रवीन्द्र केळेकार हांचें योगदान

कोंकणी विभाग, गोंय विद्यापीठाच्या
कोंकणींत सादर केल्लो 'सोदप्रबंध'

सोद वावर करपी

मानसी प्रे. धाऊस्कार

मार्गदर्शक

डॉ. प्रकाश पर्येकार

सहाय्यक प्राध्यापक

कोंकणी विभाग

गोंय विद्यापीठ, ताळगांव - गोंय

वर्स – माय 2022

# जाहिरनामो

गोंय विद्यापीठाच्या कोंकणी विभागांतल्यान 2021-2022 ह्या शिक्षणीक वर्साच्या एम.ए. पदवे खातीर सादर केल्लो **कोंकणी समाजाच्या पुनरुत्थाना पासत रवीन्द्र केळेकार हांचें योगदान** हो प्रबंध म्हज्या स्वताच्या अभ्यासाचें आनी वावराचें फळ आसा अशें हांव मानसी प्रेमानंद धाऊस्कार, जाहीर करतां. गोंय विद्यापीठाच्या कोंकणी विभागाचे सहयोगी प्राध्यापक डॉ. प्रकाश पर्येंकार हांच्या मार्गदर्शना खाला हो सोदवावर हांवें पुराय केला. हो प्रबंध ह्या आदीं हांवें ह्या वा दुसऱ्या खंयच्याच विद्यापीठाची पदवी, पदविका वा दाखल्या परिक्षेखातीर सादर करूंक ना म्हणपाचें हांव हांगा जाहीर करतां.

थळ : गोंय विद्यापीठ **मानसी प्रे. धाऊस्कार**

ता: विद्यार्थी

**प्रा. प्रकाश पर्येंकार**

मार्गदर्शक
सहयोगी प्राध्यापिका
कोंकणी विभाग,
भाशा आनी साहित्य विभाग
गोंय विद्यापीठ.

**डॉ.हनुमंत चोपडेकार**
विभाग मुखेली
कोंकणी विभाग,
भाशा आनी साहित्य विभाग
गोंय विद्यापीठ.

# उपकाराचीं उतरां

**'कोंकणी समाजाच्या पुनरुत्थाना पासत रवीन्द्र केळेकार हांचें योगदान'** हो सोद – प्रबंध गोंयच्या आनी कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थानाचो हांवें खोलायेन केल्लो अभ्यास. पुनरुत्थानाच्या ह्या वावरांत ज्या व्यक्तिंनी योगदान दिलां तांच्या वावराची नोंद आमकां सांपडटा. तांच्या ह्या वावराक लागून गोंयचो फुडार कसो कितें सांबाळूं येता हाचे विशीं समजून घेवपा पासत हांवें केल्लो हो प्रयत्न. फाटलो कितलोच काळ गोंय कशे तरेन अरिश्टांत सांपडलें, कोणें कोणें लुटलें, कोंकणी समाजाची कशी धानधिस्पट जाली आनी तातूंतल्यान भायर सरपा पासत तांची धडपड आनी तांकां दिका दाखोवपी त्या काळांतले समाज वावुरपी आनी तांचें योगदान हाचो हो अभ्यास आसा.

रवीन्द्र केळेकार ह्या पुनरूत्थानाच्या वावराक माथें मारपी अर्विल्ल्या काळांतलें एक उतूंग व्यक्तिमत्व. तांणी बरयिल्लें साहित्य, तांच्या समकालीन व्यक्तिंनी पळयिल्लें तांचें कार्य, तशेंच त्या कार्याचो येवपी पिळगे पासत जाल्लो फायदो हाचो हांगां अभ्यास जाला.

हो सोद प्रबंध सादर करतना, विशयाची निवड, संशोधन पद्धत, मदल्यो अडी अडचणी, संदर्भा खातीर गरजेचीं पुस्तकां आनी चर्चा ह्या पासत जांचें म्हाका सहकार्य लाबलां तांची ह्या खिणांक याद करप म्हजें कर्तव्य थारता.

जेश्ठ साहित्यकार, पत्रकार आनी बिम्ब मासिकाचे संपादक श्री.दिलीप बोरकार हांणी रवीन्द्र केळेकार हांचें पुराय साहित्य, संदर्भ ग्रंथ आनी गरजेची हेर म्हायती म्हजे पासत उपलब्ध करून हो प्रबंध येसस्वी करपाक मोलाचो आदार दिला. कोंकणीचे नामनेचे साहित्यकार, गीतकार, अभ्यासक आनी इतिहासकार अड. उदय भेंब्रे तशेंच हालीं जांकां ज्ञानपीठ पुरस्कार फावो जाला ते श्री. दामोदर मावजो हांणींय गरज पडटा तेन्ना ह्या

विशयाचेर आपलीं मतां आनी म्हायती दिली देखून तांकांय हांव दिनवासतां. कोंकणींतले आनीक एक लेखक श्री.तुकाराम रामा शेट हांणी कोंकण टायम्साचे दुर्मीळ अंक अभ्यासपा खातीर दिले. नामनेचे कवी आनी सुटके झुजारी श्री. नागेश करमली हांणीय आपलो मोलादीक वेळ दिवन रवीन्द्र केळेकार हांच्या वावराची म्हायती दिवन म्हाका उर्बा दिली, देखून तांकां दिनवास. कोंकणी विभागाचे मुखेली डॉ. हनुमंत चोपडेकार हांच्या सोद प्रबंधाचो म्हाका हांगां संदर्भा खातीर आदार जालो. तेच वांगडा तांणी परिशदेविशीं आपल्याक खबर आशिल्ल्यो टिपोय गरज पडटा तेन्ना दिल्यो देखून तांकां दिनवास. रवीन्द्र केळेकार हांचे सुपुत्र श्री.गिरीश केळेकार हांणी रवीन्द्र केळेकार हांच्या दुर्मीळ फोटवांची फोटोप्रत दिवन म्हाका उपकारांत दवरलें देखून हांव तांचेय उपकार मानतां.

सगळ्यांत निमाणें म्हजो मार्गदर्शक डॉ. प्रकाश प्रर्येकार हांचें उपकार हांव मानतां. तांणी रवीन्द्र केळेकार हे उतूंग व्यक्तिचेर सोद-प्रबंध करपाच्या प्रस्तावाक येवकार दिवन सतत म्हाका प्रोत्साहन, म्हायती आनी चडांत चड वेळ दिवन बारीक सारीक नोंदी आपलेपणान तपासल्यो आनी फावो थंय मार्गदर्शन केलें. तांच्या ह्या आपलेपणाच्या फाटबळाक लागुनूच म्हजे कडल्यान हो सोदवावर पुराय जावंक पावलो.

म्हजो हो वावर मुखार येवपी संशोधकां खातीर उपेगी थारतलो. ह्या वावरा वरवीं रवीन्द्र केळेकार हांचें जिवीत आनी कार्य लागिच्यान समजून घेवपाक ताची मजत जातली. अशें घडूंक पावलें जाल्यार म्हज्या ह्या सोद वावराचें सार्थक जातलें आनी म्हाका आनंद जातलो. म्हज्या यशाचे जर कोणांक श्रय दिवपाचें आसल्यार सगळे ह्या वयल्या म्हज्या बऱ्या मागप्यांक वता.

देव बरें करूं.

थळ-गोंय विद्यापीठ मानसी प्रे. धाऊसकार

# कोंकणी समाजाच्या पुनरुत्थाना पासत

# रवीन्द्र केळेकार हांचें योगदान

विशय प्रवेश

## सोद वावराच्या विशयाची फाटभूंय

सोळाव्या शतमानांत जेन्ना गोंय पुर्तुगेजांच्या शेकातळाक गेलें तेन्ना सावन हे राजवटीन गोंयच्या समाजाचेर आगळीको करपाक आरंभ केलो. ताका लागून कोंकणी समाज वेगवेगळ्या वाठारांनी शिंपडलो आनी विस्कळीत जावन पडलो. आपली भास, आपली संस्कृताय, आपली भूंय सोडची पडिल्ल्यान हो समाज आत्मसन्मान घालोवन बसलो. समाजाची भास खंडीत जाता तेन्ना ताचे अभिव्यक्तिचेर परिणाम जाता. अभिव्यक्तिचेर मर्यादा आयली काय समाज मोनो जाता. तो मोनो जालो म्हणटकच ताची जीण विस्कळीत जाता. पुर्तुगेज गोंयांत आयले ते फकत वेपार-धंदो वा गोंयचेर राजवट करूंक न्हय. तर गोंयच्या समाजाक आपल्या धर्मांत घेवन तांकां पुरायेन पुर्तुगेज संस्कृतायेंत रूपांतरीत करपाचो तांचो  हावेस आशिल्लो.

पुर्तुगेजांचो धर्म म्हणल्यार क्रिस्तांव धर्म. हो कोंकणी भुंयेंतलो निजाचो धर्म न्हय. देखून त्या धर्माचो प्रसार करपाचो प्रस्न आयलो तेन्ना भाशेची आडखळ उबी जाली. खंयचोय धर्म वा विचार समाजांत रिगयतलो जाल्यार त्या समाजाचे भाशेंतल्यानूच तो काळजांत रिगोवंचो पडटा. हो धर्म परकी आशिल्ल्यान ताचो प्रसार आनी प्रचार करपाक आयिल्ले धर्मगुरू पुर्तुगेज भास उलोवपी आशिल्ले. हो  धर्म कोंकणी समाजांत रिगोवपा पासत तांकां पुर्तुगेज आनी लाती भास वापरप शक्य नाशिल्लें. ते पासत कोंकणी समाजाक पुर्तुगेज शिकोवप वा आपणें  कोंकणी शिकप वा हो प्रयत्नूच सोडून दिवप अशे तीन पर्याय पुर्तुगेज राजवटी मुखार आशिल्ले.

हे धर्मगुरू मिशनरी पंथाचे आशिल्ल्यान तिसरो पर्याय हो तांच्या शब्दकोशांत नाशिल्लो. उरिल्ल्या दोन पर्यायांतलो पयलो पर्याय आरंभाच्या काळांत तांणी आपणायलो. देखून धर्मप्रसारा पासत आयिल्ल्या मिशनरी धर्मगुरूंक कोंकणी भास शिकल्या बगर आनीक मार्ग नाशिल्लो.

पुर्तुगेज राजवटीक साम, दाम, दंड आनी भेद हातूंतले पर्याय वापरून धर्मांतर घडोवपाचें आशिल्ल्यान दंडाच्या बळाचेर धर्मांतरण सुरू जालें. हाका लागून कोंकणी समाज मुळांतल्यान हाल्लो. तांची मुळची भास मिशनऱ्यांनी आपले पद्दतीन बदल्ली. तांणी जी भास घडयिल्ली ताचें अनुकरण धर्मांतर केल्ल्या कोंकणी मनशांनी सुरू केलें.

हाका लागून कोंकणी समाज भाशीक नदरेन आपलें  मूळ शेणोवन बसलो. जो धर्म आमी आपणायला ताची भास, धर्मप्रसार करपी धर्मगुरू आपल्या तोंडांतल्यान उच्चारतात, तशीच आपणेंय उच्चारपाक जाय म्हणपाच्या गैरसमजांतल्यान ह्या विस्कळीत जाल्ल्या कोंकणी समाजान ती आपणायली. आनी हो समाज पुरायेन संस्कृती भ्रश्ट जालो. ही भ्रश्ट संस्कृती आडावपा पासत आनी हिंदू धर्माची राखण करपा पासत जेन्ना गरज उप्रासली तेन्ना गोंय वाठाराच्या शेजराक वशिल्ल्या महाराष्ट्रांतल्यान ही गरज पुराय करपाक भाशीक आनी धर्मीक आदार कोंकणी समाजाक मेळूंक लागलो. कोंकणी समाजाची संस्कृताय पुरायेन बदलपाच्या हावेसान पुर्तुगेज राजवट आक्रमक जाल्ली तेन्ना दडपणाखाला येवन जिवाच्या भंयान ज्या कोंकणी समाजान धर्मांतर केलें तांची कोंकणी संस्कृताये कडली वार तुटली. जांणी धर्मांतराक न्हयकार दिल्लो तांचीं धर्मीक पुस्तकां पुर्तुगेजांनी नानपयत करून उडयलीं.  कोंकणीच्या वापराचेर बंदी घाल्ल्यान ह्या समाजान आपलो धर्म वाटोवपा पासत मराठी भास आनी ते भाशेंतलें धर्मसाहित्य आपणायलें. हो प्रकार सातत्यान चार शेंकडे मेरेन चलत उरलो. कोंकणी समाजांत मोठी फूट पडली. एकसंघ आशिल्लो गोंयचो कोंकणी समाज एकाच गोंयांत दोन समाज जावन वावरूंक लागलो. एक पुर्तुगेज प्रभावा खाला आयिल्लो कोंकणी समाज आनी दुसरो मराठी प्रभावा खाला आयिल्लो कोंकणी समाज. हें अशें दुभाजन  कोंकणी समाजांत जालें तें एक तर तशेंच सोडून दिवपाचें वा आदीं आशिल्लो तसो कोंकणी समाज परतून एकसंघ करपाचो मोटो प्रस्न गोंयच्या समाज फुडाऱ्यांचेर आशिल्लो.

विसाव्या शतमानाच्या तिसऱ्या दसकांत वामन रघुनाथशणै वर्दे वालावलिकार म्हळयार शणै गोंयबाब हांकां पयलेच खेप ह्या विस्कळीत समाजाची वळख जाली. चार शेंकड्यां सावन चलत आयिल्ल्या ह्या विस्कळीत समाजाचो आपूण घटक जाल्ल्यान आपल्याय वांट्याक हें विस्कळीत आनी दुभंगलेलें जिवीत आयलां म्हणपाची जाणविकाय जाली आनी हातूंतल्यान कोंकणी समाजाक मूळ पदार हाडपा पासत पुनरूत्थानाचो वावर सुरू करपाची गरज आसा असो विचार तांच्या मनांत रूजलो.

ह्या तेजिश्ट आनी स्फूर्त देण्या विचारांनी तांकां तांचेच न्हय तर पुराय कोंकणी समाजान व्हगडायल्ल्या आत्मसन्मानाची आनी आत्मगौरवाची कल्पना आयली. कोंकणी समाजाच्या खाशेले अस्मितायेची तांकां वळख करून दिवपा पासत आनी तांच्या आत्म्यांक जाग हाडपा खातीर पेंगट बांदलें.  बैठक मारून संशोधनाक आरंभ केलो. कोंकणी समाजाचो अडेज हजार वर्सांचो इतिहास सोदून काडलो. तांच्या कर्तृत्वाचीं मुळां सोदलीं. कोंकणी समाज केदो तांकीचो आशिल्लो, तो बाबत कुळां न्हय म्हणपाचें सिद्द करपाक *गोंयकारांची गोंया भायली वसणूक* (1928), *वलिपत्नाचो सोद* (1962 )अशीं इतिहासाचीं पुस्तकां. गोंयकारांची भास कोंकणी आनी तिची तांक  दाखोवन दिवपा पासत *कोंकणी भाशेचें जैत* (1930*, कोंकणीचें नादशास्त्र* (1940), *कोंकणीची व्याकरणी बांदावळ* (1949) अशीं कितलींच पुस्तकां बरोवन कोंकणी समाजाच्या आत्म्याक जाग हाडली. कोंकणी समाज हो कितलो कर्तुत्ववान आनी ताणें संवसारार कशें कशें नांव पातळायलें हाची देख कोंकणी समाजा मुखार विचार करपा पासत दवरली. ताचो असर जावन शणै गोंयबाबा उपरांतची तरणी पिळगी मुखार सरली. हे पिळगेन कोंकणी चळवळीची घुडी आपल्या हातांत घेतली. हातूंतले एक निश्ठावंत कार्यकर्ते आनी फुडारी म्हणल्यार रवीन्द्र केळेकार.

रवीन्द्र केळेकार हे कोंकणी समाजाक दिका दाखोवपी एक फोलेर हे नदरेन पुराय देशांतलो कोंकणी समाज तांचे कडेन पळयता. कोंकणी समाजा पासत आयजवेर जितलीं जैतां फावो जाल्यांत तीं कोणा एका मनशाक लागून मेळूंक ना तर, ताचें श्रेय धा जाणांक वता अशें खासा रवीन्द्र केळेकार जाहीरपणान सांगून आपलो ह्या यशांतलो म्हत्वाचो वांटो न्हयकारताले. अशें आसलें तरी कोंकणी समाजान तांच्या वावरा कडेन आडनदर केली ना. तांच्या वावराची दखल घेवन तांकां केन्द्र

सरकारान पद्मभूषण, साहित्य अकादेमीन फॅलोशीप तशेंच भारतीय ज्ञानपीठान साहित्यांतलो सर्वोच्च ज्ञानपीठ पुरस्कार भेटोवन भोवमान केला. अशे हे व्यक्तीचो पुराय जिवितांतलो निसुवार्थी वावर अभ्यासून तांणी कोंकणी समाजाच्या पुनरुत्थाना पासत केल्ल्या योगदानाचेर हांगां भाश्य जातलें.

रवीन्द्र केळेकार हांच्या पुराय जिविताचेर, तांच्या भाशीक आनी साहित्यीक वावराचेर, तांच्यांनी केल्ल्या चिंतनाचेर, विवीध प्रसंगा वेळार केल्ल्या भाशणांचेर तशेंच तांच्या एकंदर साहित्याचेर नदर मारल्यार हे व्यक्तीन आपल्या जिविताची मोख कोंकणी समाज आनी त्या समाजाचें मुळपीठ हांचें पुनरुत्थान करून एका आदर्श कोंकणी समाजाच्या राज्याची प्रतिश्ठापना करपाक दिल्ल्या योगदानाची हांगां चिकित्सक चर्चा जातली.

एके व्यक्तीन व्यक्तिगत दिग्विजय गाजोवन आपल्या कर्तुत्वान राज्याक भोवमान दिवप आनी तेच व्यक्तीन भुंये खातीर कर्तुत्व गाजोवन त्या भुंयेच्या कोंकणी समाजाक भोवमान दिवप हातूंत फरक आसा. रवीन्द्र केळेकार हांणी व्यक्ती परस समश्टीचो विचार करून आपलें पुराय जिवीत समर्पीत केलां. तांचे हयातीतूच तांकां तांच्या वावराचीं सगळीं फळां चाखूंक मेळप ही संवसारांतली दुर्मीळ अशी घडणूक आसा. रवीन्द्र केळेकार हांणी आपल्या हेर सांगात्यांच्या तेंक्यान कोंकणी समाजाच्या सगळया सपनांक मूर्त रूप दिवन अर्द शेंकड्याच्या काळा भितर तीं फळां आपल्या दोळयांनी पळयलीं.

ह्या तांच्या वावराक कोंकणी समाजाचे नदरेन म्हत्व आसपाचें कारण म्हणल्यार फाटल्या दोन अडेज हजार वर्सांच्या काळांत कोंकणी समाजान आपणें आपले भुंयेचेर धनीपणान राज्य केल्ल्याचें खंयच दिसना. गोंय हें कोंकणी समाजाचें मूळपीठ अशें मानतात. गोंय हें भारतांतलें एक ल्हान राज्य. आज जाका राज्याचो दर्जो फावो जाला. त्या प्रदेशाचेर फाटल्या दोन हजार वर्सांत कितल्याच राजवटींनी शेक चलयलो. ह्या प्रदेशाचो इतिहास आमी चाळटात तेन्ना भोज, चालुक्य, शिलाहार, सातवाहन, कदंब आनी गोंय मुक्त जावंचे आदी सगळयांत प्रदिर्घ अशी निमणी राजवट चलयली ती पुर्तुगेजांनी ह्या राजवटीच्या काळांत गोंयच्या समाजाचेर साबार आघात जाले.

ह्या सगळ्या राजवटींत कोंकणी समाजान धनीपणान आपले भूंयेचेर राजवट चलयिल्ल्याचें खंयच मोख्राक लेगीत सांपडना. अश्या ह्या भायल्या राजवटींनी चलयिल्ल्या शेकाक लागून दर राजवटीक कोंकणी समाज आपलें रूप बदलत रावलो.

पूण पुर्तुगेजाची राजवट साडेचारशीं वर्सां कोंकणी समाजाचेर आशिल्ल्यान ह्या काळांत कोंकणी समाजाच्या संस्कृतीचेर आक्रमण जालें आनी ताचो परिणाम कोंकणी समाजाच्या धर्माचेर, सामाजीक जिवनाचेर, चाली रितींचेर, लोकसंस्कृतायेचेर तशेंच मायभाशेचेर जालो. हे प्रक्रियेक लागून कोंकणी समाज दुभंगलो. ताची मूळ अस्मिताय इबाडली. हाका लागून आपूण खरो कोण हो प्रस्न कोंकणी समाजा मुखार उप्रासलो आनी ताका जाप दिवपाचें काम शणै गोंयबाबान केलें आनी ती वळख परत घडोवन कोंकणी समाजाक मूळ पदार हाडपा पासत गोंयच्या कितल्याच द्रश्ट्या लोकांनी जात, धर्म, पळय नासतना खांद मारलो तातूंत रवीन्द्र केळेकार हें नांव ठळकपणान नदरेक भरता.

रवीन्द्र केळेकार हांचें व्यक्तिमत्व आनी कर्तृत्व हो एक गहन विशय म्हणपाचें तांचें एकंदर जिवीत, कार्य, वैचारीक स्तर, जिविता कडेन पळोवपाची नदर, कोंकणी भास, साहित्य, संस्कृताय आनी समाज ह्या मळांचेर तांणी दिल्लें योगदान पळयत जाल्यार लक्षांत येता. हाचे वयल्यान गोंयचें स्वातंत्र्य आनी गोंयचें स्वतंत्र अस्तित्व राखून दवरपा पासत तांणी आपल्या सांगात्यां सयत उबारिल्लो लढो आनी कोंकणी समाजाक दिल्ली प्रेरणा हांची मोलावणी करीत जाल्यार रवीन्द्र केळेकार म्हणल्यार जिवित आख्यायिकाच दिसता.रवीन्द्र केळेकार हांचें भुरगेंपण, शिक्षण आनी संस्कृती हे संबंदी दोन तरांनी वांटून गेलां. आपले मोखी पासत समाज जागृताय करतलो जाल्यार पत्रकारीते परस वेगळें माध्यम ना म्हणपाचो तांकां साक्षात्कार जालो आनी तांणी आपले भितर आदर्श पत्रकारीता बळायली. गोंय मुक्त जाले बगर आपल्या गोंयच्या समाजाक कसलेंच स्वातंत्र्य मेळपाचें ना. तें मेळटलें जाल्यार लोकभाशेंतल्यान लोकांचे विचार जागोवपाची गरज आसा आनी ताचें माध्यम म्हणल्यार निर्भिड पत्रकारिता हाची तांकां खात्री पटली.

गोंयचे मुखार सगल्यांत व्हडलो प्रस्न गोंयचे मुक्ततायेचो आशिल्लो. तो सुटावो करतले जाल्यार गोंयच्या समाजांत आत्मसन्मानाचो साक्षात्कार करप गरजेचो आसा आनी त्या पासत तांचे भाशेंतल्यान तांचे मेरेन वैचारीक जागृताय घडोवन हाडूंक कोंकणी बगर दुसरो पर्याय नाशिल्लो. लोकभाशेंतल्यान विचार मांडल्यारूच तांच्या तो काळजांत पावतलो देखून तांणी सगल्या माध्यमांतल्यान, सगल्या शैलीनी लेखनाक आरंभ केलो. गोंयांक आनी कोंकणी समाजाक जें कितें जाय तें केन्नाच मागून मेळचें ना जाल्यार जें कितें हक्काचें आसा तें झगडून घेतले बगर पर्याय ना

म्हणपाचें तांकां खबर आशिल्लें. देखून ते सगल्यांनी 'फायटर' जावंक जाय असो आग्रो धरताले. तेच पासत आपूण पयलो फायटर आनी मागीर रायटर अशें ते सांगताले.

गोंय मुक्ती उपरांत गोंयच्या स्वतंत्र अस्तित्वाचो प्रस्न आयलो तेन्ना गोंय हें गोंय उरतलें जाल्यार कोंकणी समाजाक जाग हाडून तांचो आत्मसन्मान जागोवप गरजेचें असो ध्यास तांणी घेतलो. उलोवप आनी बरोवप तशेंच लोकसंपर्क करून तांकां सत्याची आनी फुडाराची जाणविकाय करूंक तांणी पेंगट बांदलें. जनमत कौलाची मागणी करून गोंय अस्मितायेचे नदरेन वेगळें कशें हो विचार कोंकणी समाजांत रिगयलो जाचो परिणाम जनमत कौलाच्या जैतांत जालो.

गोंय हें संघप्रदेश उरल्यार कोंकणी समाजाक सदांच दुय्यम नागरिकत्व मेळटलें देखून हेर राज्यांवरीं घटक राज्य मेळूंक जाय. तशें जाल्यार पयल्या दर्ज्याचें नागरिकत्व उपभोगूंक मेळटलें, म्हूण कोंकणी भाशेचें राज्य ही संकल्पना बळावन तातूंत यश मेळयलें. घटक राज्य जाय जाल्यार ताची भास आसूंक जाय म्हूण 'कोंकणी प्रजेचो आवाज' चळवळीक वैचारीक अधिश्ठान दिवपाचें कार्य तांणी केलें.  गोंय राज्याची अधिकृत राज्यभास म्हूण कोंकणीक राज्यभाशेचो दर्जो झगडून घेतलो. कोंकणी भाशेचें राज्य ह्या म्हालवजार गोंयांक घटक राज्याचो दर्जो मेळयलो.

हो सगळो रवीन्द्र केळेकार हांचो वावर ज्या  लोकांनी पळयला, तांच्या सांगाताक त्या वावरांत वांटो घेतला, केळेकार हांणी आपल्या वावरा विशीं वेगवेगळ्या माध्यमांतल्यान नोंद दवरल्या, ताच्या आदाराचेर आनी तांच्या एकंदर साहित्याचेर तांचें हें योगदान पुंजावप आज गरजेचें थारता. कित्याक

गोंयचो इतिहास, गोंयच्या  अस्तित्वा खातीरचो प्रवास आनी ताची फुडाराची मोख समजून घेवन रवीन्द्र केळेकारां सारख्या दिग्गजांची वळख नवे  पिळगे मुखार दवरप ह्या अभ्यासाची मोख आसा.

## सोद वावराचो हेतू

जेन्ना जेन्ना आपले मांयभुंयेर अरिश्ट उप्रासता तेन्ना तेन्ना ते भुंयेच्या रक्षणा पासत, भुंये वयल्या समाजाच्या उत्थाना पासत आनी एकंदर काळाच्या पुनरुत्थाना पासत अवतार जल्म घेता अशी भारतीय संस्कृती सांगत आयल्या. जेन्ना  धर्तरेचेर अरिश्ट उप्रासता तेन्ना तेन्ना ताच्या रक्षणाक आनी उत्थानाक जल्म घेतलों अशें आश्वासन दरेक अवतारान दिवन मनीसजातीक थाकाय दिल्ली आसा.

तेराव्या शतमानांत अस्तंत युरोपांत थंयच्या शंबर वर्सांच्या झुजाक लागून अर्थीक आनी सामाजीक जिवितांत बदल जाल्लो आनी त्या काळार स्कॉलॅस्टीक तत्वगिन्यान जें एका काळार तेंगशेर पाविल्लें तें सोंपून गेल्लें. त्या काळच्या धर्मगुरूंची शिकवण आनी धर्मशास्त्रा वयलो अंधविश्वास समाजाक रसातळाक व्हरतालो. तेन्ना डन्स स्कॉट्स आनी ऑकाम ह्या विद्वानांनी तार्किक कसवटेचेर युरोपांत सामाजीक पुनरुत्थान घडोवन हाडलें.

पंदराव्या शतमानाच्या आरंभाक ग्रीक साम्राज्य तुर्कांनी हातासलें आनी ग्रीकांचे संस्कृतायेचेर हावळ हाडली तेन्ना ग्रीकाच्या पुनरुत्थानाचो वावर त्या काळच्या समाजसुधारकांनी हातांत घेतलो.

जर्मनींत जेन्ना समाज मुखेल प्रवाहाच्या उरफाटो वचून आत्मकेंद्रीत जावन संस्कृती भ्रश्ट जावंक लागलो तेन्ना त्या समाजाचें पुनरुत्थान करपा पासत डेसीडेरियस ( Desiderius – 1467 – 1536 )  हे म्हान व्यक्तीन वावर केलो.

महाराष्ट्रांत मुसलमानाच्या आक्रमणांक लागून संस्कृतीचेर हावळ आयली. ह्या काळांत थतरवितर जावन  गेल्ल्या समाजाक थातारपा पासत संतांची परंपरा सुरू जाली. संत ज्ञानेश्वर, संत तुकाराम, संत नामदेव, संत एकनाथ अशे कितलेच संत सामाजीक पुनरुत्थाना पासत त्या काळांत वावुरताले.

स्वातंत्र्याच्या काळार बाळ गंगाधर टिळक हांणी देशाच्या पुनरुत्थाना पासत दिल्ल्या योगदानाक लागून तांकां देशाच्या पुनरुत्थानाचे पितामह अशें मानतात. त्याभायर आगरकर, महात्मा फुले हांचोय वावर तितल्याच तोलामोलाचो आसा.

असलीं हीं पुनरुत्थानाचीं उदारणां संवसार भर वेगवेगळ्या काळांत वेगवेगळे कडेन सांपडटात. ह्या पुनरुत्थानाच्या वावराक लागून त्या त्या वाठाराची, कांय कारणांक लागून बदलून गेल्ली आदली सांस्कृतीक, आर्थीक, सामाजीक परिस्थिती परतून वयर येवंक पावता. जाका लागून आदलीं वरी समाज भरभराटीक पावता, सम्रृद्ध जाता, ताका स्वास्थ्य लाबता. तेच पासत 19व्या शतमानांत जाल्ली उद्योगीक क्रांती ही संवसारीक पुनरुत्थानाची एक म्हत्वाची घडणूक अशें संवसार मानता.

हे नदरेन आमी जेन्ना गोंय ह्या कोंकणी प्रदेशा कडेन आनी थंयच्या समाजा कडेन पळयतात तेन्ना ह्या समाजाक आनी प्रदेशाक पुनरुत्थानाची गरज आशिल्ली काय कितें ? आनी जर आशिल्ली जाल्यार त्या काळार त्या लोकांनी ते नदरेन वावर केला काय कितें ? हाचो अभ्यास गोंयची सांस्कृतीक आनी सामाजीक घडण अभ्यासा पासत करप गरजेचो थारता.

‘**कोंकणी समाजाच्या पुनरुत्थाना पासत रवीन्द्र केळेकार हांचें योगदान**’ हो विशय अभ्यासून गोंयची परिस्थिती पुनरुत्थाना पासत गरजेची आशिल्ली काय कितें ? हाचो अभ्यास गरजेचो आसा अशें म्हजें मत. कोंकणी समाजाच्या पुनरुत्थाना पासत तांच्या वावराचे ठळक मुद्दे म्हणल्यार-

1. मीर्ग नेमाळ्याचो आरंभ.
2. गोंय मुक्ती संग्रमांत सहभाग.
3. जनमत कौलाचे चळवळीत सहभाग.
4. जाग म्हयनाळ्याचे संपदक.
5. कोंकणीक साहित्य अकादेमीची मान्यताय.
6. राजभास चळवळ.
7. संविधानाचे आठव्या परिशिश्टांत कोंकणीचो आसपाव
8. आनी हेर गोंयच्या संबंदीचे विशय.

कोंकणी समाजाच्या पुनरुत्थानाचो हुसको आशिल्ले कितलेच समाज सुधारक, किरिस्तांव धर्माचो पुरस्कार करपी आसुनय आपले परीन वावुरताले. तातूंत डॉ. जोकीम हेलियोदोर दा कुन्य रिव्हार, मोन्सिन्योर सेबेस्तियांव रूदोल्फ दाल्गाद, एदुवार्द झुजे ब्रून द सौझ, त्रिस्तांव ब्रागांझ कुन्य हांचे वांगडाच वामन रघुनाथ शणै वर्दे वालावलीकार ( शणै गोंयबाब ), माधव मंजुनाथ शानभाग सारक्या हिन्दू समाजांतल्या समाजसुधारकांनीय खांद मारलो. तांचो हो पुनरुत्थानाचो वावर उपरांतच्या काळार रवीन्द्र केळेकार हांणी आपल्या भुजार घेतलो आनी ताका यशस्वी रूप दिलें.

## सोद वावराचो आंवाठ आनी मर्यादा

तांच्या ह्या वावराचेर गोंय होच मर्यादीत वाठार घेवन, थंयच्या कोंकणी समाजाचें घडिल्लें पुनरुत्थान खोलायेन अभ्यासप हो ह्या सोदप्रबंधाचो हेतू आसा. त्या पासत जे मुद्दे घेवं येतात, ते म्हणल्यार :

I. परकी आक्रमणाक लागून विस्कळीत जाल्लो कोंकणी समाज.
II. पुनरुत्थाना पासत गोंय आनी थंयच्या कोंकणी समाजाक पुर्तुगेजाचे राजवटींतल्यान मुक्ती.
III. ह्या विस्कळीतपणाक लागून कोंकणी समाजाचे संस्कृतीचेर पडिल्लो प्रभाव.
IV. कोंकणी समाजाचें पुनरुत्थान करपाची रवीन्द्र केळेकार हांचे नदरेंतल्यान गरज.
V. गोंय मुक्ती पासत रवीन्द्र केळेकार हांणी पत्रकारीतेचो घेतिल्लो आदार.
VI. विवेकानंद, गांधी, काकासाहेब कालेलकर, र.धो.कर्वे, विनोबा भावे ह्या सारक्या विभुतींच्या विचारांचो प्रभाव.
VII. क्रिस्तांव आनी हिंदू हांच्या रूपान कोंकणी समाजाक आयिल्लें विस्कळीतपण एकसंघ करपाचो प्रयत्न.
VIII. कोंकणी समाजाचें मूळपीठ गोंयचें अस्तित्व सांबाळपाक जनमत कौला खातीर केल्लो वावर.

IX. गोंयचें स्वतंत्र अस्तित्व सिद्द जाले उपरांत त्या प्रदेशाची भास थारावपा पासत रवीन्द्र केळेकार हांणी दिल्लें योगदान.

X. कोंकणी समाजाक पयल्या दर्जाचें नागरिकत्व मेळोवन दिवपा पासत गोंय घटकराज्या पासत केल्लो वावर.

XI. कोंकणी भाशेक राष्ट्रीय मान्यताय दिवपाक संविधानाचे आठवे वळेरेंत तिचो आसपाव करून कोंकणी समाजाक दिल्ली राष्ट्रीय प्रतिश्ठा.

XII. ह्या सगळ्या वावराक तांणी निर्मिल्ल्या साहित्याचो जाल्लो आदार.

ह्या म्हज्या वावरावरवीं कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थानापासत हांचें योगदान आमच्या लक्षांत येवपाक आदार जावंचो तशेंच तत्कालीन काळार तांकां आयिल्ल्यो आडखळी तांचे मुखार आशिल्लीं आव्हानां आमच्या लक्षांत येतलीं. तांच्या कामाची परख, तांची दूरदृश्टी सघटनात्मक वावर हांचो आमकां बोध जावंक पावतलो.

आपल्या साहित्या वरवीं तांणी मांडिल्ले विचार कितले प्रेरणादायी आसात, तांच्या संपर्कांत आयिल्ल्यो व्यक्ती आनी तांचेर पडिल्लो प्रभाव हाचोय हांगां अभ्यास जातलो. ह्या पुनरूत्थानाच्या वावरांत तांच्या संपर्कांत आयिल्ले कोंकणी पिळगेचेर पडिल्लो तांचो प्रभाव म्हाका हांगां सांगपाचो आसा.

## सोद वावराची पद्धत

1. ह्या सोद वावराचो आशय, विशय, आंवाठ आनी एकंदर मर्यादा तशेंच कोंकणी पत्रकारिता आनी साहित्य हांचो आपरोस घेवन ह्या सोद वावराच्या अभ्यासा पासत चिकित्सक पद्दतीचो वापर जातलो. हे चिकित्सायेंत वेगवेगळ्या राजवटींचो कोंकणी समाजाचेर प्रभाव, आयिल्लें विस्कळीतपण, संस्कृती आनी भाशे वयली हावळ आनी तातूंतल्यान निर्माण जाल्ली कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थानाची गरज हांचेर अभ्यास जातलो.

2. ह्या सोदवावरांत वेगवेगळ्या नेमाळ्यांनी ह्या संदर्भांत रवीन्द्र केळेकार हांणी बरयिल्ले लेख आनी साहित्य हांचो लिखीत आदार, रवीन्द्र केळेकार हांचे वांगडा ह्या पुनरुत्थानांत वांटेकार जाल्ल्या थारावीक लेखकांची आनी हेर समाज वावुरप्यांची मौखीक आनी लिखीत मुलाखत.
3. रवीन्द्र केळेकारांक केंद्रस्थानार दवरून तांणी केल्ल्या कार्याचेर हांगा भर आसतलो आनी जंय जंय गरज आसा थंय तात्कालीन घडणुकांचो आनी तांकां समकालीन आशिल्ल्या व्यक्तिंचो संबंद येतलो.
4. तात्कालीन समाजवेवस्था आनी रवीन्द्र केळेकार हांच्या जीवन संघर्शाचो आनी जिवनकार्याचो सोद घेवपाचे नदरेन समाजशास्त्रीय पद्दतीचो वापर जातलो.

विशयाची व्याप्ती कोंकणी समाजाचें मुळपीठ आशिल्ल्या गोंया पुरती मर्यादीत आशिल्ल्यान गोंयच्या वेगवेगळ्या म्हालांतल्या लोकांची मानसिकताय आनी विचारसरणी हांचो अभ्यास जातलो.

# अनुक्रमणिका

## ‘कोंकणी समाजाच्या पुनरुत्थाना पासत रवीन्द्र केळेकार हांचें योगदान’


**विशय प्रवेश :** …………………………………………………………..V

सोदवावराच्या विशयाची फाटभूंय.......................................................................V

सोदवावराचो हेतू..........................................................................................XI

सोदवावराचो आंवाठ आनी मर्यादा..................................................................XIII

सोदवावराची पद्दत.......................................................................................XIV

**पयलें प्रकरण - कोंकणी समाज आनी ताच्या पुनरूत्थानाची गरज………...20-41**

1.1 कोंकणी समाजाचो संक्षिप्त इतिहास…………………………………...21

1.1.1 कोंकणी समाजाची संकल्पना……………………………………………..22

1.1.2 कोंकणी समाजाचो वाठार…………………………………….........23

1.1.3 कोंकणी समाजाची संस्कृताय……………………………………......24

1.2 गोंयच्यो वेगवेगळयो राजवटी आनी तांचो प्रभाव……………………….25

1.3 विस्कळीत जाल्लो कोंकणी समाज…………………………………...27

1.3.1 धर्मांतरण………………………………………………………….27

1.3.2 इंक्विजिशन ……………………………………………………28

1.3.3 स्थलांतरण……………………………………………………..29

1.4 पुनरूत्थानाचो काळ आनी कार्य……………………………………..32

1.4.1 डॉ. जोकीं एलिऑदोरू दा कुन्य रिव्हार………………………………..33

1.4.2 मोंसिन्योर सेबेस्तियांव रूदोल्फ दाल्गाद……………………………….34

1.4.3 एदुवार्द झुजे ब्रून द सौझ………………………………………..35

1.4.4 त्रिस्तांव ब्रागांझ कुत्र……………………………………………………36

1.4.5 वामन रघुनाथ वर्दे वालावलिकार ( शणै गोंयबाब )………………………..37

1.4.6 माधव मंजुनाथ शानभाग…………………………………………….....38

**दुसरें प्रकरण – रवीन्द्र केळेकार जिवीत आनी कार्य.......................42-69**

2.1 घराबो, जल्म, भुरगेपण आनी शिक्षण…………………………………....43

2.1.1 केळेकारांचो घराबो.......................................................................43

2.1.2 घरचीं फाटभूंय.............................................................................44

2.1.3 रवीन्द्र केळेकारांचो जल्म आनी नामकरण..............................................44

2.1.4 रवीन्द्र केळेकारांचें भुरगेंपण.........................................................................45

2.1.5 रवीन्द्र केळेकार हांचें शिक्षण..................................................................45

2.2 शिक्षक आनी इश्टांचो प्रभाव……………………………………………47

2.2.1 शांताराम आमोणकार हांचो सांगांत ………………………………..49

2.2.2 विवेकानंदांच्या विचारांचो प्रभाव………………………………………..50

2.2.3 लोहियांचो विचार प्रभाव……………………………………………......51

2.2.4 र.धों.कर्वे हांचो बुद्धीवाद……………………………………………….52

2.2.5 काकासाहेब कालेलकार हांच्या सानिध्यांत…………………………..53

2.2.6 विनोबा भावेंच्या संपर्कांत……………………………………………54

2.2.7 गांधी विचारांचो पाटलाव…………………………………………….54

2.3 कोंकणी भाशीक मळार केल्लें कार्य……………………………………55

2.3.1 कोंकणी भाशेचो प्रचार आनी प्रसार………………………………………59

2.3.2 रवीन्द्र केळेकार हांची विरोधकांक जाप…………………………………62

2.3.3 कोंकणी भाशेचो भाशेचो विकास………………………………………...63

2.3.4 कोंकणी भाशेक फावो जाल्ल्यो मान्यतायो…………………………...65

2.4 लेखनाक आरंभ…………………………………………………………….66

2.5 कोंकणी साहित्याच्या मळार केल्लें कार्य……………………………………..67

**तिसरें प्रकरण – पुनरूत्थाना पासत गोंय मुक्तीची गरज...................70-87**

3.1 गोंय मुक्तीची गरज आनी जाल्ले प्रयत्न……………………………………....71

3.2 रवीन्द्र केळेकार हांचो गोंय मुक्तीच्या चळवळींत सहभाग………………….....75

3.3 गोंयच्या पुनरूत्थानाची येवजण…………………………………………78

3.3.1 भाशीक वावर……………………………………………………….....78

3.3.2 साहित्यीक वावर…………………………………………………….....80

3.3.3 सामाजीक वावर…………………………………………………….....82

3.3.4 अर्थीक वावर………………………………………………………83

**चवथें प्रकरण – रवीन्द्र केळेकार : रायटर आनी फायटर संकल्पना आनी कार्य..............................................................................88-103**

4.1 रायटर आनी फायटर संक्लपने फाटलो उद्देश……………………………....89

4.2 भास, साहित्य, संस्कृताय आनी अस्मिताय सांबाळूंक केल्ली पत्रकारिता……....92

4.2.1 भास……………………………………………………………...93

4.2.2 साहित्य……………………………………………………………...94

4.2.3 संस्कृताय……………………………………………………………96

4.2.4 अस्मिताय……………………………………………………………97

4.3 निबंद लेखनांतल्यान प्रबोधन……………………………………………98

**पांचवें प्रकरण – पुनरूत्थानाचें वैचारीक अधिश्ठान.................104-113**

5.1 कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थानाची बुन्याद………………………………..105

5.2 रवीन्द्र केळेकारान पळयिल्लें आधुनीक गोंयचे सपन………………………..106

5.3 रवीन्द्र केळेकारान निर्माण केल्लें वैचारीक अधिश्ठान………………………109

5.4 रवीन्द्र केळेकारान नवे पिळगेक घडयिल्लो नवो दिश्टावो……………………111

**सवें प्रकरण – समारोप आनी निश्कर्श.......................................114-125**

**6.1.1 समारोप.............................................................................115**

**6.1.2 निश्कर्श.............................................................................120**

**आदारावळ.......................................................................126-128**

**परिशिश्ट...........................................................................129-151**

परिशिश्ट - 01.................................................................................... 130

परिशिश्ट - 02....................................................................................144

परिशिश्ट - 03....................................................................................146

# पयलें प्रकरण

## कोंकणी समाज आनी ताच्या पुनरूत्थानाची गरज

# पयलें प्रकरण – कोंकणी समाज आनी ताच्या पुनरूत्थानाची गरज

## 1.1 कोंकणी समाजाचो संक्षिप्त इतिहास

कोंकणी लोक त्रिहोत्रा ( उत्तर भारतांतल्या अवध प्रांतांतलो एक वाठार) सावन आयले म्हणपाचें पुराणां सांगतात. म्हणल्यार उत्तर भारतांत अवध प्रांतांतल्यान ते देड दोन हजार वर्सां पयली कोंकणांत देंवल्यात. अवधांत आसतना ते उलयताले ती भास उलोवपी कांय लोक अवधांत उरलेच. तांच्या वंशांतलो एक महाकवी गोस्वामी तुळशीदास हाणें सतराव्या शेंकड्यांत अवधी भाशेंत *रामचरितमानस* म्हणल्यार *तुळशीरामायण* हें महाकाव्य रचलें. अवधांत आसतना आमच्या पुर्वजांच्या तोडांत जी उतरावळ घोळटाली, तातूंतलीं कांय उतरां चालू कोंकणींत तत्सम वा तत्भव रूपांत मेळटात. आमी लोक आमची भास आनी रितरविसो सपसप सोडूंक तयार नासतात. चारशीं वर्सां पयलींच्या तुळशीरामायणांत चालू कोंकणी उतरांचे नमुने मेळटात, ते म्हणल्यार उतर, प्रस्न, चीर (लुगट), चूक, पावस, पांय, सासू, कीर आदि म्हणपाचें शब्दकोशकार श्रीपाद रघुनाथ देसाय सांगतात.[1]

हाचे वयल्यान आमचो कोंकणी समाज हो अवधी वाठारांतल्यान कोंकणांत येवन स्थायीक जालो. मागीर गोंय ह्या कोंकणांतल्या वाठाराचेर पुर्तुगेजांची सत्ता चलतना बाटाबाटी जाली. ताका लागून गोंयच्यान महाराष्ट्र, गुजरात, कर्नाटक, केरळ ह्या सारख्या देशभरांतल्या कितल्याच वाठारांत स्थलांतरीत जाले. आनी कालांतरान त्या त्या वाठारांत कोंकणी समाज घडत गेलो.

डॉ. सर रामकृष्णशणै भांडारकार हांच्या मत्तान, क्रिस्ता आदलो सुमार सातवो शेंकडो लागल्या उपरांत आर्य लोक दक्षिण हिंदूस्तानांत आयले. ह्याच वेळार गोंयां आर्यांची वसणूक जावंक आरंभ जालो. अशे तरेन गोंयां आर्य लोक थीर जाले. मागीर ‘गोंयकार’ हें नांव जोडून ते भोंवतणच्या हिंदूस्तानाचे आनी त्या भायल्या संवसाराचे भोंवडेक गेले. थंय तांणी आपलो समाज

उबो केलो. जाची खबर शणैगोंयबाबान *गोंयकारांची गोंया भायली वसणूक* (2003) ह्या आपल्या सोदबरपांत स्पश्टीकरणां सयत विस्तारान सांगलां. हाचे वयल्यान अवधी वा आर्य लोक कोंकणांत येवन तांणी ह्या वाठारांत आपलो राबितो केलो आनी तोच हो कोंकणी समाज म्हूण फुडाराक नांवरूपाक आयलो. हो समाज उत्तरेक तेरेखोला साकून दक्षिणेक माजाळी मुडगिरी ह्या 60 मैल लांब आनी पुर्वेक दुधसागरा साकून पश्चिमेक हिंदी म्हालसमुद्रामेरेन 30 मैल रूंद अश्या 1060 चौखण मैल वाठारांत फांफसल्लो.[2]

### 1.1.1 समाजाची संकल्पना

समाजांत रावपी लोकांची समान लक्षणां आसतात. तीं हेर समाजांतल्या लोकां परस वेगळीं आसतात. इंग्लीश भास, संस्कृताय आशिल्लो समाज फ्रेंच समाजा परस वेगळो आसता. एका समाजांतल्या सगल्या लोकांची मुल्यां, उद्दिश्टां , विचारसरणी समान आसतात. भास, संस्कृताय समान आसता देखून एका समाजाचीं व्यक्तिमत्व लक्षणां समान आसतात.[3]

अमेरीकेचे समाजशास्त्रज्ञ लेस्ट वार्ड आनी एफ. एच. गिडिंग्ज हांचे समाजाचे व्याखे प्रमाण – "समाज हो ऐच्छिक आनी अनिवार्य अश्या दोन प्रकारांत आस्पावता. ऐच्छिक समाजांत परंपरा मुखार व्हरपाची सक्ती आसना, आपणें आपली भास खंयची मानप, खंयच्या राजकी पक्षांत रावप हाची तांचेर सक्ती आसना.पूण अनिवार्य समाजांत तो खंयच्या वंशात वा कुटूंबात जल्मता तो सोडून दुसऱ्या वंशाचो वांगडी जावंक शकना."[4]

गोंय जावं वा हेर वाठारांत रावपी सगल्या कोंकणी समाजाचीं लक्षणां एकसारकीं आसतात. हीं समाजाचीं लक्षणां डॉ.विलास संगवे आपल्या *समाजशास्त्र* (1972) ह्या पुस्तकांत मांडटात. ते सांगतात त्या त्या समाजांत रावपी लोकांची लक्षणां समान आसतात. इंग्लीश समाजाचीं आनी फ्रेंच समाजाचीं लक्षणां खेरीत आसतात तशीं संवसारभर शिंपडिल्ल्या कोंकणी समाजाचीं लक्षणां खेरीत नात तर समान आसात. देखीक – गोंयचो कोंकणी समाज कोंकणी भास उलयता आनी तांची संस्कृताय कोंकणी म्हणपाचें एकंदर वातावरणांत समजता. तशेंच मुंबयचो, कोची –

केरळांतलो, कर्नाटकांतलो, गुजरातेंतलो कोंकणी समाज वेगळो दिसना. सगळे कडचो हो समाज आपल्या समाजाची लोकसंख्या, भास, संस्कृताय तिगोवपा खातीर वावुरता.

तेच प्रमाण अमेरीकेचे समाजशास्त्रज्ञ लेस्ट वार्ड आनी एफ. एच. गिडिंग्ज हांचे समाजाचे व्याखे प्रमाण – कोंकणी समाज हो ऐच्छिक आनी अनिवार्य ही लक्षणां सांबाळून आसा. गोंयच्या कोंकणी समाजांतलो एक घटक आपली भास मराठी म्हणटा जाल्यार दुसरो घटक कोंकणी म्हणटा. जाल्यार कर्नाटक, केरळ गुजरात, महाराष्ट्र हांगां आशिल्लो कोंकणी समाज आपलो एकवट सांबाळपा पासत आपली भास आनी संस्कृताय कोंकणी अशें म्हणटात. ह्यो ऐच्छिक गजालीं जाल्यार अनिवार्य लक्षणांत आपलो वंश बदलप जायना. देखून कोंकणी मनीस आपली मुळची जात बदलून दुसरे जातींत  वचूंक शकना. तशेंच कोंकणी समाजांतल्या दरेक जातींतलो मनीस आपली जात आनी वंश सांबाळून कोंकणी मनीस म्हूण वावुरता. अशें आसलें तरी काळा प्रमाण कोंकणी समाज आपलीं ऐच्छिक आनी अनिवार्य लक्षणां बदलून इंग्लिश भाशेक वेंगायता.

### 1.1.2 कोंकणी समाजाचो वाठार

कोंकणांत निवास करून आशिल्ले ते कोंकणी मनीस आनी तांची भास कोंकणी. भारताचे अस्तंत दर्यादेगेवयलो कोंकण हो एक अशीर वाठार. हें कोंकण उत्तरेचे वटेन दमण गंगा आनी दक्षिणेचे वटेन काळी न्हंय मेरेन विस्तारलां. कोंकणाची दक्षीण उत्तर लांबाय 500 ते 600 कि.मी आसा आनी रूंदाय 55 ते 56 कि.मी आसा. ह्या कोंकणांत ठाणे, रायगड, रत्नागिरी, सिंधूदुर्ग, गोंय, कारवार ह्या वांठारांचो आस्पाव जाता. हो सगळो कोंकण वाठार कोंकणी भास उलोवप्यांचो वाठार. देखून ह्या वाठारांत रावपी तो कोंकणी मनीस आनी तोच कोंकणी समाज.[5]

ह्या कोंकणी वाठाराचें राजकी सत्तेक लागून विभाजन जालें. कोंकणाचो मोटो वाठार महाराष्ट्रा कडेन उरिल्ल्यान हो कोंकणी समाज कोंकणी आसुनूय महाराष्ट्राचो वांटो जाला. महाराष्ट्राची शासकीय भास मराठी जाल्ल्यान ह्या कोंकणी समाजाक राजकीय नदरेन भौगोलीक कारणांक

लागून मराठी समाजांत विरगळचें पडलें. कोंकणांतलो गोंय हो वाठार पुर्तुगेजांचे सत्तेखाला उरिल्ल्यान उपरांतच्या काळांत होच वाठार राजकीय नदरेन कोंकणी भाशेचो अधिकृत प्रदेश म्हूण ताची वळख थीर जाली. दक्षीण वाटेनचो काळी न्हंये मेरेनचो वाठार कोंकणाचोच वांटो. तो कर्नाटक राज्याचो भाग जाल्ल्यान, कोंकणी प्रदेश जावनूय थंय राबितो करून आशिल्लो समाज कानडी जालो. हजारांनी वर्सां कोंकणांत रावपी एकसंघ कोंकणी समाज कोंकणी आसुनूय राजकीय विघटनाक लागून विस्कळीत जालो. हो विस्कळीत समाज एक भास,एक लिपी,एक साहित्य आनी एक संस्कृती ह्या सुतान रवीन्द्र केळेकारांक गुंथून काडपाचो आशिल्लो. तेच प्रमाण पुर्तुगेजाच्या शेका तळा आशिल्लें तेंच गोंय अशें मानूंक फावना. आपली नदर विशाळ करून आयच्या कर्नाटकांत आसा तो  कारवार, सुपा, हल्याळ आनी हेर कोंकणी भाशीक वाठार एक करून मुळचें गोंय निर्माण करपाचो तांचो हावेस आशिल्लो. तांचे नदरेंतल्या कोंकणी समाज्याच्या पुनरुत्थानाचे संकल्पनेंतलो हो वावर खूब म्हत्वाचो.[6]

## 1.1.3 कोंकणी समाजाची संस्कृताय

दरेक समाज आपली वळख आपले लोक संस्कृतायेंतल्यान दाखोवन दिता. ही संस्कृताय त्या लोक समाजाचें खाशेलेंपण आसता. ‘संस्कृताय’ हें उतर ‘संस्कृती’ ह्या संस्कृत उतराचें तद्भव रूप. संस्कृती हें उतर कृती ह्या उतराक सम् हो उपसर्ग लावन घडिल्लें उतर हाचो अर्थ संस्कारीत म्हणल्यार उजू नेम, बंधना सांबाळपी संस्कारी समाज असो जाता.[7]

आयज आमी जिका कोंकणी संस्कृताय म्हूण वळखतात ती संस्कृताय कोंकणी समाजाची वळख जाल्या. कोंकणी भास ही कोंकणी संस्कृतायेचो कणो जाल्ल्यान, कोंकणी भाशे बगर कोंकणी संस्कृताय उबी रावंक शकना. वाठारा प्रमाण संस्कृताय विकसीत जायत राविल्ल्यान ज्या वाठारांत समाज रावता तो समाज त्या वाठाराची संस्कृताय घडयता. संस्कृताय दायजान मेळिल्ली आसता.

मनीस जल्मांक येत सावन ताच्या मरणां मेरेन ताची सगळी वेवस्था संस्कृती करून दवरता. हे संस्कृतायेंत त्या वाठाराचीं देवळां, रचिल्ले ग्रंथ, उद्योग धंदे, सण परबो, खाण जेवणां, हेर संस्कार अश्यो कितल्योश्योच गजालीं संस्कृतायेंत आस्पावल्ल्यो आसतात.

ह्या संदर्भांत कोंकणी संस्कृतायेचो जर आमी विचार केलो जाल्यार उत्तरेक दमण गंगा आनी दक्षिणेक काळी न्हंये मेरेनचो असो भारताच्या अस्तम किनाऱ्याचेर वशिल्लो कोंकण ह्या अशीर वाठाराचें उदारण घेवं येता. कोंकण ह्या वाठाराचे उदेंतेक सह्याद्री पर्वत आनी अस्तमतेक अरबी समुद्र आसा. हे भुगोलीक रचनेक लागून ह्या वाठारांत चड पावस पडटा. ताका लागून ह्या कोंकणांत तांदूळ, नाल्ल, आंबे, पणस, काजी, सुपारी अशी चड उदकाची गरज आशिल्ली पिकावळ पिकता. दर्याक लागीं आशिल्ल्यान दर्यांतलेंय अन्न हिस्पाभायर मेळटा. दोंगर आनी दर्या ह्या दोनीय गजालींचेर ह्या वाठारांतल्या समाजाचो वावर आसता. तांच्या खाणां-जेवणांक तांदूळ, नाल्ल, नुस्तें, आदी गजाली येतात. हें खाण तांचे जिणेचें म्हत्वाचें आंग जाल्ल्यान तीच त्या समाजाची लोक सांस्कृतीक वळख जाता.

## 1.2 गोंयच्यो वेगवेगळ्यो राजवटी आनी तांचो प्रभाव

आमी जाका गोंय म्हणटात तें आदल्या काळार आज आसा तितल्याच आवाठाचें नाशिल्लें. जे. एन. द फॉन्सेको ह्या इतिहासकाराच्या म्हणण्या प्रमाण पुर्विल्ल्या काळचें गोंय खूब व्हडलें आशिल्लें आनी ताचेर वेगवेगळ्यो राजवटी कुडक्या कुडक्यांनी राज करताल्यो.[8]

पुर्विल्ल्या गोंयांत इ.स.प दुसऱ्या आनी तिसऱ्या शतमानांत मौर्यांची सत्ता चलताली. त्या काळार बौध धर्माचो प्रसार जातालो ताचो प्रभाव गोंयांत अजुनूय दिसता. गोंयांत लामगांव, रिवण, हरवळे, लोटली, आंकें, दरमळ, रेडी, ह्या सारक्या सुवातिंचेर बौध धर्माच्या हिनयान पंथाचें विहार आसात. हरवळेच्या विहारांत सांपडिल्ले विहार पयल्या शतमानांतलें.[9]

शणै गोंयबाब आपल्या *गोंयकारांची गोंया भायली वसणूक* (2003) ह्या पुस्तकांत सांगतात, 15व्या शेंकड्या आदीं सुमार सात-आठशीं वर्सां गोंयचो विस्तार दमण गंगे साकून गंगावली न्हंये

मेरेनच्या कोकणाचें दोन वांटे जावन चेवलाचे दक्षिणेक कुंडलिका न्हंय ही तांकां वेगळायणी शीम आसली. कुंडलिकेच्या उत्तरेकडच्या कोंकणांक ठाणे, नागांव, सुपारे, चेवूल मेळून समुद्राचे वेळेवयल्या 1400 गांवांचें कोंकण अशें क्रि. स. 1094 च्या तांब्यापट्यांत म्हणलां. तशेंच कुंडलिकेच्या दक्षिणेकडच्या कोंकणांक शिवचित्त कदंबांच्या वेळच्या क्रि. स. 1160 च्या कानडी पाशाणा बरपांत 900 गांवांचें कोंकण म्हणलां. ह्या कोंकणांत 8व्या शेंकड्याचे मजगती पासून 16वो शेंकडो लाग मेरेन राष्ट्रकूट, शिलाहार, कदंब,चालुक्य, देवगिरीचे यादव, सुलतान, बाहमनी सुलतान, विजयनगरचे राय, परतून बाहामनी सुलतान आनी मागीर विजापुरचे आदिलशाह हांचो शेक चलतालो. ह्या सगळ्यांचे राजवटींत दक्षिण कोंकणाचें राजपाटण आतांच्या गोंच्या आवांठांत कांय काळ बाळ्ळी, कांय काळ चंद्रपुरा म्हणचें साश्टिंतल्या चांदरा, मागीर तिसवाडी व्हडल्या गोंया आनी त्या उपरांत धाकट्या गोंया आसलें.[10]

ह्या सगळ्या राजवटींत गोंयचेर कितलेच तरेचो प्रभाव पडून गोंयची मुळावी भास, संस्कृताय आनी मानसिकताय बदलत रावली. इ.स. 7व्या ते 10व्या शेंकड्यांत कानडी भाशीक लोकांचें राज्य चलताले तेन्ना कानडी भाशेचो विकास जावंक लागलो आनी त्या प्रभावान खुबशीं कानडी उतरां देखीक – आंगसो, इंगळो, काती, जती, सांत (बाजार) आदी कितलींच उतरां कोंकणींत आयलीं आनी आज ती कोंकणींच जावन आसात. कोंकणी भाशेचेर पडिल्लो हो कानडी राजवटीचो प्रभाव कोंकणी भाशेक गिरेस्त करूंक पावलो.[11]

ह्या गोंयचेर पुर्तुगेजान वेगवेगळ्या काबिजातींचेर 450वर्सां राजवट चलयली. ह्या काळांत गोंयांत अस्तंत संस्कृतायेचो प्रभाव पडलो. गोंयांत भारतीय संस्कृताय आनी अस्तंत संस्कृताय अश्यो दोन संस्कृतायो उदेल्यो. गोंयचे कोंकणी भाशेक मरणाचें फरमाण मारलें तें हेच राजवटींत. त्या उपरांत 19 डिसेंबर 1961 ह्या दिसा गोंय पुर्तुगेज राजवटींतल्यान मुक्त केलें आनी गोंयचेर भारताची राजवट आरंभ जाली.

## 1.3 विस्कळीत जाल्लो कोंकणी समाज

गोंयच्या उत्तरे कडलो कोंकणी समाज जो दापोली सावन कुडाळ धरून सावंतवाडी संस्थाना मेरेन महाराष्ट्राच्या मराठी संस्कृतायेंत जियेता. मदलो तुर्ताचो पुर्तुगेजाच्या सत्तेखाला उरिल्लो गोंय हो मुलूख वेगळावन, दक्षिणेकडच्या सदाशीव गडा मेरेनच्या वाठारांत रावपी आदल्या कोंकणांतलो कोंकणी समाज कानडी संस्कृतायेंत दीस सारता.[12] हांची सांस्कृतीक जीण पळयत जाल्यार ती कोंकणीय न्हय आनी ज्या वाठारांत हो समाज वसता थंयचेय संस्कृतीचो न्हय अशें चित्र दिसता.

मुंबय, कारवार, भटकळ, मंगळूर, कालिकत, कोची, एर्नाकुलम (केरळ) ह्या वाठारांत राबितो करून आशिल्लो कोंकणी समाज विस्कळीत जावन उरिल्लो. तांकां एकवटीत करपाची गरज आशिल्ली. ह्या समाजाक एकठांय हाडपाचे नदरेन कोंकणी परिषद 1939 वर्सा जल्माक आयली. पारतंत्र्यांत आशिल्लो भारत देश जेन्ना स्वतंत्र जातलो तेन्ना देशांत भाशेच्या आदाराचेर प्रांतरचना जातली हाची कल्पना माधव मंजुनाथ शानभाग ह्या दूरदृश्टी आशिल्ल्या कोंकणी मनशाक आयिल्ली. ताकाच लागून कोंकणी राज्य स्थापन जावंचें हे नदरेन वावर जावंचो देखून हे परिशदे फाटलो हेत आशिल्लो.[13] पूण तो अजून मेरेन पुराय जावंक पावलो ना. कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थानाचे नदरेन हें मोठें आव्हान थारता.

### 1.3.1 धर्मांतरण

आल्बुकेर्कान 16 फेब्रेर 1510 ह्या दिसा पयले खेप गोंय जिखलें तेन्ना ताका गोंयांत दोमिनीकन पंथाचें धर्मप्रसारक हातांत खुरीस आनी पुर्तुगेज बावटो घेवन वतना आपणें पळयिल्लो म्हणपाचे आफोंस द आल्बुर्केक आपले *कॉमेंतारियुश* हातूंत सांपडटा.[14] हाचोच अर्थ आल्बुकेर्कान गोंय जिखून गोंयचेर सत्ता चलोवचे आदीं पासून गोंयांत क्रिस्तांव धर्माचो प्रचार आनी प्रसार चलतालो.

पुर्तुगेज सत्ता गोंयचेर रूजू जाली आनी पुर्तुगेज राजसत्ता आपलो शेक गाजोवंक लागली तेन्ना धर्मसत्ता आनी राजसत्ता हांणी हातांत हात घालून जबरदस्तीन धर्मांतरण करपाक आरंभ केलो.

पुर्तुगेज सत्ता गोंयचे भुयेंत थीर जातकच पुर्तुगेज लोकांनी मेळत तशें स्वैर वागून थळाव्यांचेर आगळीक सुरू केली. जर धर्मांतरण जातलें जाल्यार थळाव्यांचो आदार घेतले बगर तें शक्य ना म्हणपाचें पुर्तुगेज पाद्रींच्या मतींत आयलें. ही गजाल 1534तली त्या काळांत गोंयचो बिशप दाँ फेर्नांद व्हाकैरो आशिल्लो. ताणें नेट लावन धर्मप्रसारावांगडाच धर्मांतरणांक आरंभ केलो. ते खातीर गोंयांत सांत झेवियर ह्या स्पेनांतल्या धर्मप्रसारकाक गोंयांत हाडलो. तो 7 आब्रील 1541 दिसा लिसबनांतल्यान भायर सरलो आनी 6 माय 1542 दिसा गोंयांत पावलो. तो जेन्ना गोंयांत पावलो तेन्ना ताच्या एका हातांत खुरीस आनी दुसऱ्या हातांत तरसाद आशिल्ली. हाचे वयल्यान धर्मांतरण करचे पासत गोंयच्या हिंदू धर्मियांचो कसो कसो छळ जालो हाची कल्पना येता.[15]

कोंकणींतले कादंबरीकार महाबळेश्वर सैल हांची *युग-सांवार* (2004) ही कादंबरी, *सायबा भोगोस* (2013) ही व्हि. जे . पी सालदान्य (खडाप), डॉ. कस्तुरी मोहन पै हांची *ध्रुवतारे* (2008) ही कादंबरी आनी हालींच साहित्य अकादेमीचो अणकाराचो पुरस्कार मेळिल्ली *स्वप्न सारस्वत* (2015) ही गोपाळकृष्ण पै, *व्हडलें घर* (2021) ही उदय भेंब्रे हांची कादंबरी धर्मांतरण आनी इक्विजिशनाचेर निंबून आसा. ह्या साहित्यांत गोंयच्या धर्मांतरणाच्या काळांत जाल्ले अत्याचार, बळजबरी, हायसां आनी स्थलांतराचें वर्णन इतिहासाची जतनाय घेवन धर्मांतरण चित्रायल्लें मेळटा.

### 1.3.2 इंक्विझिशन

खंयचीय राजसत्ता वा धर्मसत्ता पिडापीड वा बळजबरी करून आपलो धर्म दुसऱ्या धर्माच्या लोकांचेर लादता तेन्ना लोक तो धर्म मनांतल्यान आपणायनात. तो भिरांतेन फकत दाखोवपा खातीर आपणायता आनी भितरल्यान मात आपलो मुळावो धर्म चालूच दवरता. देखून असल्या लोकांक भंय घालूंक धर्मसत्ता आनी राजसत्ता वेगवेगळे उपाय सोदता. ताकाच लागून मागीर इक्विझिशना सारकी यंत्रणां अस्तित्वांत येता.

15व्या शेंकड्यांत स्पेनांत बरें क्रिस्तांव करूंक इंक्विझिशन राबयलें. इंक्विझिशनाचो हो उपाय 1481 वर्सा तोमाज दे तोर्केमाद ह्या पाद्रीन सुचयलो. इंक्विझिशन स्थापन करून ताच्या न्याय मंडळावरवीं गुन्यांवकाराक ख्यास्त दिवपाचें काम ही इंक्विझिशन नांवाची खाशेली यंत्रणां करताली.[16] जो कोण धर्मांतरण करून क्रिस्तांव जाला, पूण क्रिस्तांव धर्माचे नेम, चाली, रिती हांकां सारको पाळो दिना तांकां गुन्यांवकार मानून तांचेर केसी चलोवप आनी ताका गुन्यांवकार थारावप आनी कडक मनीसपणा भायली ख्यास्त भोगोवप ह्या इंक्विझिशनांत घडटालें.

गोंयांत राजसत्ता आनी धर्मसत्ता हांणी हातांत हात घालून 1540 वर्सा खरपणान क्रिस्तांव धर्माचो प्रसार सुरू केलो. 1543 वर्सा व्हिकार जनरल मिंगेल व्हाज हांणें पुर्तुगालच्या राजाकडेन गोंयांत इंक्विझिशन स्थापन करपाची मागणी केली. पूण कांय फिरंगी पाद्रींनी ताका विरोध केलो. पूण 16 माय 1545 दिसा सांत फ्रांसीस झेवियरान दाँ ज्युआंव हाका पत्र बरोवन गोंयांत इंक्विझिशन स्थापन करचें अशें मागलें आनी राजान ताकतीक करिनासतना 1560 वर्सा गोंयांत इंक्विझिशन दिलें. मदीं 1774 वर्सा मार्केज द पोंबाल पुर्तुगालचो प्रधान मंत्री जालो तेन्ना ताणें इंक्विझिशन बंद केलें. ताका लागून चार वर्सां भितर 1778 वर्सा ताचें पद गेलें आनी इंक्विझिशन परतून जितें जालें. अखेरेक 1812 वर्सा ते अधिकृत बंद जालें.[17]

इंक्विझिशनाक लागून गोंयचेर केदो आकांत आयलो ताची म्हायती प्रो. अ. का. प्रियोळकार हांणी आपल्या *दि गोवा इंक्विझिशन* (1961) ह्या पुस्तकांत बरोवन इंक्विझिशनाचो इतिहास, ताचे नेम, धर्मांतराच्यो रिती हांचे विशीं विस्तारान म्हायती दिल्या.

### 1.3.3 स्थलांतरण

गोंयचो कोंकणी समाज कसल्या ना कसल्या कारणांक लागून गोंयच्यान हेर वाठारांनी हजारांनी वर्सां सावन स्थलांतर करीत आसा. शणै गोंयबाबन *गोंयकारांची गोंया भायली वसणूक* (2003) ह्या आपल्या पुस्तकांत गोंयकारांच्या स्थलांतरांची बारकायेन म्हायती दिल्या. गोंयकारांच्या स्थलांतरांची कारणां वेगवेगळीं सांपडटात. शणै गोंयबाब सांगतात त्या प्रमाण गोंयकारांचो

सभावगूण म्हणल्यार अरिश्ट आयल्या बगर नाजाल्यार उपासमार जाल्याबगर ते केन्नाच रांदनीचें पल्ल सोडून दुसरेकडेन वचनात. पूण आयजवेरच्या इतिहासाचेर नदर मारल्यार गोंयकार तीन कारणांक लागून गोंयां भायर गेल्यात. तातूंतलें एक कारण व्हडविकेचो हावेस, दुसरें पोटाची चिंता आनी तिसरें राजकरणी पिडणूक. हातूंत पयल्या आनी दुसऱ्या कारणां परस तिसऱ्या कारणा खातीर अदीक गेल्यात.[18] म्हणटकच आमकां पयल्या दोन कारणां परस गोंयच्या समाजाच्या पुनरूत्थानाचो विचार करतना तिसऱ्या कारणाचो विशेश विचार करचो पडटा. कित्याक, पयलीं दोन कारणां आपखोशयेचीं वा ऐच्छिक म्हणूं येतात जाल्यार तिसरें अनिवार्य. पुर्तुगेजांचो धर्मछळ आनी पिडापीड सोसूंक जायना म्हण जीव आसल्यार भीक मागून खायन म्हूण केल्लें हें स्थलांतर.

पिडापिडीक लागून गोंयकारान पयस बिटकी कवळ्ळी ती 13व्या शतमानांत अलाउद्दीन खिलजीन गोंयचेर हल्लो केलो तेन्ना देवगिरीच्या यादवांचें राज्य चलतालें. तांकां मारून मलीक कफूर ह्या खिलजीच्या सेनापतीन कोंकण जिखलें आनी सक्तिच्या धर्मांतराक आरंभ केलो. तेन्ना गोंयचो कोंकणी समाज भिवून तारवा वयल्यान उत्तर कन्नड जिल्ह्यांत तर कांय जाण कोडियाळ – मंगळुरांत तर कांय जाण केरळांत कोच्ची मेरेन पावले.[19]

1560 वर्सा पुर्तुगेजांच्या धर्मकोल्लांत नार्व्यांच्या सप्तकोटेश्वर देवळाचो चिऱ्यान चिरो निखळायलो. तेन्ना थंयचो देव घेवन दिवाडेच्या न्हंये पलतडी पळून स्थलांतरीत जाले.[20]

गोंयच्या धर्मांतराचो परिणाम जावन कितलेच गोंयकार धर्मछळ चुकोवपा पासत एका म्हालांतल्यान दुसऱ्या म्हालांत साठली पोटली आनी आपले देव घेवन स्थलांतर करूंक लागले. रवीन्द्र केळेकार आपल्या घराब्याच्या स्थलांतराची खबर करतना सांगतात – केळेकार मुळचे तिसवाडेंतल्या मंडुरचे. बाटाबाटेच्या काळार आवरो उडून जे हिंदू मंडुरच्यान पलून गेल्ले तांच्यांत आमगेलो एक म्हालगडो आशिल्लो. गांव सोडला त्या वेळार ताचे सांगाता तागेली घरकान्न आनी दोग पूत आशिल्ले. मदीं तांची चुकामूक जावन घरकार आनी घरकान्न वेगळीं

जाली. घरकान्न तार काडून सौदेकारांच्या वाठारांत गेली. थंयच्यान पिरवळा आयली आनी थंयच तांणी राबितो केलो.[21]

ह्याच शेंकड्यांत बाटोवणेच्या काळांत, सुमार बारा हजार कुटुंबा गोंय सोडून चडकरून कालेकुटा सामुद्रिच्या आलासऱ्याक गेली. तातूंतल्या कांय कुटुंबांनी कोचींत वचून रांवचे खातीर थंयच्या राजाकडेन मागणी घाली आनी तांणी ती मान्य केली. कांय त्रावणकोरच्या संस्थानांत सोळा गांवांनी थीर जाले. 1901 वर्साचे गणते भशेन त्या संस्थानांत कोंकणी भास उलयतल्यांचो आंकडो 10,278 आसलो. त्रावणकोरांत गोंयकारांची णव मुखेल देवळां आसात.[22]

आनंद रामकृष्ण नाडकर्णी हांच्या *ज्ञानेश्वरींतील शब्दांचा कोंकणी बोलींत शोध* (1981) ह्या पुस्तकांतले प्रस्तावनेंत बरयतात – टिपू सुलतानाचे कारकिर्दींत कारवार ते मंगळूर मेरेनचो वाठार एकूच आशिल्लो, जाका ‘कॅनरा’ म्हणटाले. मागीर ताचें 1862 वर्सा ‘नॉर्थ कॅनरा’ आनी ‘साऊथ कॅनरा’ अशें दोन जिल्हे केले. आज जाका कारवार म्हणटात तें उत्तर कॅनरांतलें शार. थंय शेत भाताचो वेवसाय चलतालो. थंय कोणांक कन्नड येनाशिल्ली आनी थंयचे लोक मराठींतल्यान मोडी लिपी वापरून वेव्हार करताले. ते पासत थंय नोकरी करपाक बाराव्या तेराव्या शेंकड्यां सावन गोंयच्यान सारस्वत ब्राम्हणांचें स्थलांतरण जावंक लागलें. आज थंय चित्रापुरी सारस्वत म्हण कोंकणी समाज आसा तो गोंयच्यान स्थलांतरीत जाल्लो गोंयकार.[23]

आज आमकां वयर सांगिल्ल्या वाठारांत समाज सांपडटा तो स्थलांतरीत जाल्लो कोंकणी समाज. हो समाज चडसो इंक्विझिशनाच्या काळांत गोंय सोडून स्थलांतरीत जाल्लो गोंयकार. असल्या ह्या गोंयकारांचें पुराय जिवीत आमकां व्हि. जे. पी साल्दाना जाका ‘खडाप’ म्हूण वळखतात ताणें *सायबा भोगोस* हे आपले कादंबरेंत हे सगळे उतळताप विस्तारान चित्रायल्यात. अशें हें स्थलांतरण गोंयच्या इतिहासांतलें एक दुर्दैवी पर्व.

## 1.4 पुनरूत्थानाचो काळ आनी कार्य

गोंय साडेचारशीं वर्सां पुर्तुगेज सत्तेखाला आशिल्लें. हे सत्तेच्या प्रभावाक लागून गोंयचे समाज जिणेचेर ताचो खर प्रभाव पडलो. गोंय हें भारतीय संस्कृतायेचें एक वेगळांव नज अशें आंग. भारतीय संस्कृताय एका काळार दिगंताक पर्जळटाली. येवरोपेव संस्कृतायेकडेन तिचो संघर्श आरंभ जालो तेन्ना सावन तिका वेर वचूंक लागली. हो काळ वास्को द गामान झामोरींक झुजांत हारयलो तेन्ना पासूनचो जरी धरलो तरी हो संघर्श जेन्ना इंग्रजांनी आपलें राज्य हांगां थीर केलें तेन्ना पासून खर जालो.[24] 1947त देश स्वतंत्र जालो तेन्ना तो उणो जालो तरी 1857त देशांत वैचारीक मंथन सुरू जालें. येदी व्हडली संस्कृती आशिल्लो आमचो हो देश इंग्रजांचो गुलाम कसो जावंक पावलो, हाचो सोद भारतीय विचारवंत घेवंक लागले. आनी हें सगलें घडलें तें भारतीयांच्या अवगुणांक लागून असो तांकां सोद लागलो.

अशे वेळार देशांत खास करून कलकत्यांत 1800 ते 1880 च्या अदमासाक सुधारणांचे यूग सुरू जालें राजा राममोहन रॉय, केशवचंद्र सेन, रामकृष्ण परमहंस हांच्या सारक्यांनी जांकां समाज सुधारक अशें मानताले तांणी ब्राम्होसमाज स्थापन करून समाजांत बदल हाडपाचो वावर सुरू केलो.[25] तांच्या सुदारणांचेर ख्रिस्ती मिशनरी विरोध करताले. हातूंतल्यान मार्ग काडूंक एक महापुरूस मुखार सरलो. तो म्हणल्यार विवेकानंद. ताचे परंपरेंत आनी तीग युगपुरूस मुखार आयले – रवीन्द्रनाथ टागोर, श्री अरविंद आनी महात्मा गांधी. हे स्वदेशी संस्कृतीचे पुरस्कर्ते आशिल्ले. ह्या चार लोकांच्या विचारांचो प्रभाव देशी समाजाचेर पडलो आनी आधुनीक भारताकडेन वचपी देशाच्या पुनरूत्थनाक आरंभ जालो. ह्या वावराचेर गोंयच्याय सुधारकांची नदर आशिल्ल्यान तांच्या प्रभावान म्हणा वा तांचे कडेन संपर्क आयिल्ल्यान म्हणा गोंयांतूय पुनरूत्थानाचें वारें व्हांवपाक लागलें. रवीन्द्र केळेकार हांचें चंद्रकांत हें नांव बदलून रवीन्द्र अशें बदलपा फाटलें कारण होच प्रभाव. कित्याक, तांचो आजो लिंगुबाब दळवी त्याच काळांत कलकत्याक वचून आयिल्ले.

ह्याच वातावरणाचो उपरांतच्या काळांत प्रभाव पडून कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थानाच्या वावराक जांणी माथें मारलें तांचे मदी मुखेलपणान डॉ. जोकीम हेलियोदोर दा कुञ रिव्हार, मोन्सिन्योर सेबेस्तियांव रूदोल्फ दाल्गाद, एदुवार्द झुजे ब्रून द सौझ, त्रिस्तांव ब्रागांझ कुञ, वामन रघुनाथ वर्दे वालावलिकार (शणै गोंयबाब), माधव मंजुनाथ शानभाग आनी हेरांचो आस्पाव तातूंत जाता.

### 1.4.1 डॉ. जोकीं हेलिऑदोरू दा कुञ रिव्हार

कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थनाचो वावर सुस्ततायेन चलतालो. ताका गती दिवपाचें काम डॉ. जोकीम हेलियोदोर दा कुञ रिव्हार हांणी केलो. कोंकणी आनी मराठी भासांचे हे पुर्तुगेज विद्वान, इतिहासकार आनी संपादक. आरंभाक ते वैजकी शिक्षण घेवंक गेले. पूण वैजकी करपा बदला तत्वगिन्यानाचे शिक्षक जाले. 1855च्या काळार ते गोंयचे राज्यपाल तोर्रीश नोव्हेश हांचो मुखेल सचीव म्हूण गोंयांत आयले. आपले कारकिर्दींत तांणी राजकारभार, शिक्षण, उद्योगधंदे, अर्थकारण हातूंत सुदारणां घडोवन हाडलीं. तांणी बऱ्याच नेमाळ्यांनी संशोधनाचेर लेख बरयले. फा. स्टिफन्सांच्या *आर्त द लिग्वा कानारी* ह्या पुर्तुगेजींत बरयिल्ल्या कोंकणी व्याकरणाची नवी आवृत्ती काडली. तांणी बरयिल्लो 1857 वर्सा उजवाडाक आयिल्लो *एन्सारयु इस्तोरीकु द लिग्वां कोंकानी* म्हणल्यार कोंकणी भाशेचेर इतिहासीक निबंद हो म्हत्वाचो ग्रंथ बरयलो.[26]

कोंकणी भाशेचो उगम आनी विकास हातूंतल्यो आडखळी पुराव्या सयत तांणी दाखोवन दिल्यो. कोंकणी साहित्याचे उदरगतींत खंड पडिल्लो आनी कोंकणी भाशेची दशा वायट जाल्ली. कुञ रिव्हारान आपल्या विचारांनी कोंकणीच्या पुनरूत्थानाची बुन्याद घाली. तांणी आपल्या लेखांतल्यान स्फुर्त दिवपी उतरांनी 'आपले आवय भाशेचो अभिमान बाळगात'. म्हूण सांगून कोंकणीची उदरगत करपा पासत उलो मारलो. कोंकणी ही गोंयच्या भुरग्यांची पयली भास आशिल्ल्यान तिचो मुळाव्या शिक्षणांत आस्पाव जावंक जाय म्हणपाचो आग्रो तांणी धरलो.

## 1.4.2 मोंसिन्योर सेबाश्तियांव रोदोल्फु दाल्गाद

कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थनाच्या वावराक कुञ रिव्हारा वरींच खांद मारपी आनीक एक म्हत्वाचें नांव म्हणल्यार मॉसिन्योर सेबाश्तियांव रोदोल्फु दाल्गाद. बारदेसांतल्या आसगांवा 8 माय 1855त जल्मल्ल्या ह्या व्हड गोंयकारान धर्मोपदेशक म्हूण खूब व्हड वावर केला. भायर काम करून जेन्ना ते गोंयांत आयले तेन्ना धर्म प्रवचन कोंकणीतल्यान दिवपाक तांकां त्रास जावंक लागलो. देखून तांणी फाविल्ल्या वेळांत 'कोंकणी - पुर्तुगेज' शब्दकोश रचपाचें थारायलें. 1893 तांणी कोंकणी - पुर्तुगेज शब्दकोश - *दिसियोनारियु कोंकानी – पुर्तुगेज* उजवाडायलो. आनी उपरांत लिसबनांक वचुनूय 1904 वर्सा तांणी पुर्तुगेज कोंकणी शब्दकोश - *दिसियोनारियु पुर्तुगेज- कोंकानी* उजवाडाक हाडलो.[27]

ह्या कोशांक लागून निजाच्या रूळावयल्यान कोंकणी निसरून खंयचे खंय पाविल्ली ती तांणी परतून रूळाचेर हाडपाचो यत्न केलो. तांणी संस्कृत भाशेचो अभ्यास केल्ल्यान कोंकणी संस्कृत भाशेचे उतरावळीक आनी व्याकरणीक बांदावळीक कितली लागीं आसा हाचो अभ्यास केलो. कोंकणी भाशेक नागरी लिपीचोच वापर जाय असो तांणी आग्रो धरून लोकांक तसो सल्लो दिलो. तांचो हो वावर पळोवन हेर जाणकारांनी भाशेचो कोश करपाची स्फुर्तूय घेतली. रोमी लिपीविशीं बरयतना दाल्गाद बरयतात –"हालीं रोमी बरपांच्यो कांय घुस्पागोंधळाच्यो रिती सोदून काडल्यात त्यो शास्त्रशुध्द न्हय. कोंकणी आर्य कुळांतली, देखून हेर भयण भासांवरी तिचीय लिपी देवनागरीच." तांचो लिपीविशींचो हो आग्रो तुलनात्मक वाङमय विद्येचे बुन्यादीचेर उबो आशिल्लो. पूण रोमी लिपयेंत बरोवपाची गरज पडलींच जाल्यार संस्कृत भाशेखातीर जी पद्धत आपणायल्या तीच कोंकणीक वापरूंक जाय. कोंकणीच्या पुर्तुगेजीकरणांक लागून तिची अवनत जाल्या. ती आडावंक जाय. कोंकणींक जी उतरावळ मेळ्ळया ती दायजान मेळ्ळया. कोणेंय आपल्या मता प्रमाण मनाक मारता तशें तातूंत बदल करूंक फावना. त्या पासत कोंकणींक संस्कृताचे लागीं व्हरूंक जाय.[28] कोंकणींत पुर्तुगेज उतरां आयल्यात तीं टाळूंक जाय तातूंतल्यान कोंकणीविशींचें अज्ञान दिश्टी पडटा. कोंकणीची उदरगत जातली जाल्यार ती हेर

भारतीय भासां वांगडा वाडूंक जाय. अशें स्पश्ट मत दाल्गादो हांणी कोंकणी भाशेच्या पुनरूत्थानाच्या हुस्क्यान मांडलां.

### 1.4.3 एदुवार्द झुजे ब्रून द सौझ

एदुवार्द जुझे ब्रुन द सौझ हांचो जल्म 7 ऑक्टोबर 1839 ह्या वर्सा बारदेसांतल्या असनोडें गांवांत जालो. तांणी आपलें मुळावें शिकप पुर्तूगेज भाशेंतल्यान केलें. पुर्तूगेजाच्या *ओ हेराल्दो* ह्या पुर्तूगेज वर्तमानापत्रांत कोंकणी भास आनी तिची प्रगती (A Resurreiçao do Concani – कोंकणीचें पुनर्जिवंतपण) ह्या विशयाचेर ते नेमान एजोब्रुदेजा Ejobrudeja ह्या नावां खाला ते बरयताले. तांणी रोमी लिपयेंतल्यान एक नवी वर्णमाळा घडयली आनी तिका 'मारियन आल्फाबॅट' अशें नांव दिलें. हे वर्णमाळेचो आदार घेवन तांणी 2 फेब्रुवारी 1889 ह्या दिसा पुण्यांत *उदेंतेचें साळक* हें वर्तमानपत्र उजवाडाक हाडलें. ह्या वर्तमानपत्रां वरवीं जायत्या बरोवप्यांक उत्तेजन मेळ्ळें. *क्रिस्तांव दोतोर्न गोंयचे भाशेन* कोंकणींतल्यान देवाची शिकवण सामान्य लोकांक मेळची हो हेत मनांत बाळगून 1879 वर्सा हें पुस्तक तांणी रचलें. मारयेची तुस्त गावपाक *एव आनी मारी* हें एक लांबदीक म्हाकाव्य 1899 वर्सा तांणी रचलें आनी कोंकणी मळार अदीक भर घातली. *सायबिणीचीं गायनां* 1901 ह्या वर्सा तांणी पियेदाद सायबिणीचीं आनी साबार दुसरीं गायनां रचलीं. तशेंच त्याच वर्सा मोन्ते सायबिणीचीं आनी साबार दुसरीं गायनां तांणी रचलीं. *खुशालपणाचो घराबो* , *पंचवीस राजकुंवर* ह्यो दोनुय नवलकाणयो तांच्या मरणा उपरांत उजवाडाक आयल्यो. *क्रिस्तांव घराबो* आनी *सर्गाचो थेवो* ह्योवूय कादंबऱ्यो ते संवसार सोडून गेले उपरांत छापल्यो. एदुवार्द जुझे ब्रुनो द सौझ हांची 1911 वर्सा उजवाडा आयिल्ली आनी मुखार देवनागरी लिपयेंत लिपयांतर जाल्ली *क्रिस्तांव घराबो* (2009) ही रोमी लिपींयेतली नवलकथा ही कोंकणींतली पयलीच नवलकथा अशें मानतात.[29]तांच्या ह्या एकंदर वावराची जर मोलावणी केली जाल्यार एदुवार्द जुझे ब्रुनो द सौझ हे पत्रकारिता, कादंबरी आनी गोंयच्या फुडाराचे नदरेन असल्या वावराचीं बुन्याद घालपी एक पयसुल्ले नदरेचो गोंयकार अशें आमच्यानी म्हणूं येता. गोंयच्या पुनरूत्थानाची बुन्याद ह्याच लोकांचेर आसा.

## 1.4.4 त्रिस्तांव ब्रागांझ कुन्य

चांदरा गांवांत 2 एप्रील 1891 वर्सा जल्मल्ले त्रिस्वांव ब्रागांझ कुञ हे गोंयचे एक व्हड सुटके झुजारी गोंयच्या कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थानापासत तांचें योगदान सदांच म्हत्वाचें आसा. ताचें शिक्षण पारिसाक सोर्बन विद्यापीठांत जालें आनी थंयच ते काम करूंक लागले. तेन्ना रशियेंत राजकी चळवळ चलताली आनी भारतांत महात्मा गांधीच्या फुडारपणाखाल नव जागृती चलताली. ताचो परिणाम त्रिस्तांवाचेर जावन आपल्या हक्का पासत झगडपाची तांकां स्फूर्त मेळ्ळी. फ्रेंच खबरांपत्रांनी तांणी स्वातंत्र्याविशीं लेख बरोवंक सुरवात केली. त्रिस्तांवान आपणालें कार्यश्रेत्र गोंय वेंचून काडलें. गोंयकारांचें जावपी देश भश्टेंपण ताका मानवलें ना. तांकां जाग्यार हाडपा पासत ताणें *डिनेशनलायझेशन ऑफ गोवन्स* (1945) हें पुस्तक बरोवन पुर्तुगिजां कडल्यान गोंयकारांक मानसीक गुलाम करपाचें काम कशें चल्लां ताचेर उजवाड घाला. 1946त तांणी ‘गोवन यूथ लीग’ हे संस्थेची स्थापना केली. देखून ताका अटक करून आठ वर्सां काळ्या उदकाची ख्यास्त फर्मायली. तांची सुटका जाले उपरांत तांणी मुंबय गोंयच्या सगळ्या राजकी पक्षांची गोंय कृती समिती स्थापन केली. हे समिती वरवीं तांणी दादरा आनी नगर हवेलिच्या सुटकेपासत सत्याग्रह केलो. तांणी ‘आझाद गोवा’ आनी ‘फ्रि गोवा’ अशीं नेमाळीं चलोवन गोंयच्या पुनरूत्थानाचो वावर चालूच दवरलो. तांचें *गोवाज फ्रिडम स्ट्रगल* ( 1961) हें पुस्तक खूब गाजलां.[30]

आमी जेन्ना रवीन्द्र केळेकारांच्या गोंयच्या पुनरूत्थानाच्या वावराचो सोद घेतात तेन्ना तांकां ह्या वावराची गरज दिसली ताचे फाटलें कारण त्रिस्तांव ब्रागांझ कुन्य हांचे सारके आदले पिळगेचें विचारवंत आसात. तांणी गोंयच्या पुनरूत्थानाची मोख दवरून वावर सुरू केल्लो.

## 1.4.5 वामन रघुनाथ वर्दे वालावलिकार ( शणै गोंयबाब )

आधुनीक कोंकणी साहित्याचो जनक आनी कोंकणी भास, कोंकणी समाज, कोंकणी अस्मिताय अशा कोंकणीच्या सर्वांगाचो संशोधक. कोंकणी भाशेक तिचे सभावीक अशें हक्काचें स्थान दिवपाक सुरू जाल्ले चळवळीचो आद्य प्रवर्तक म्हूण जांकां कोंकणी मनीस वळखता त्या शणै गोंयबाबांचो जल्म 23 जून 1877त दिवचले जालो. तांणी कोंकणीची तांक दाखोवपा खातीर साहित्याचें सगळे प्रकार हाताळळे. शणै गोंयबाबान इतिहासाचो सोद घेवन कोंकणी समाज आनी कोंकणी भास ही कितली पोरणी हें दाखोवन दिलें. कोंकणीच्या वावरां वांगडाच कोंकणी समाजाच्या एकवटाचो आनी देशाचे स्वतंत्रतायेचो ध्यास बाळगून तांणी वावर केलो. आज कोंकणी राज्य, कोंकणी राजभास, कोंकणी घटक राज्य, कोंकणीक राष्ट्रीय मान्यताय हीं जीं कोंकणीचीं सभावीक जैतां आसात ताचे चळवळीची बुन्याद शणै गोंयबाबान घाली.

तांच्या साहित्यांत गोंयच्या फुडाराचो हुसको चांटेपावलाक दिसता आनी आपलें गोंय फुडाराक कशें आसूंक जाय हाच्या हावेसाचे उत्फर्के ते सांगतात. *भुरग्यालो इश्ट* ( 1935 ) ह्या आपल्या बरपांत गोंयच्या पुनरूत्थानाचो पांचवोचार हावेस जागयल्लो दिसता. तातूंत ते बरयतात, “हांव बरप शिकून जाणटो जातकूच शेतकामत करतलों, शेतां, भाटां, पोरसां आनी कुळागरां लायतलों, पंडीग जमनी पिकाळ करतलो, म्हजो नाल्ल कळसो कसो, आंबो अमृता शिंसो, हांव खाण-जेवण फुकें सवाय करतलों, हांव वैज जातलों, म्हजीं व्यापाराचीं तारवां संवसारभर धाडटलों, हांव व्हडलो गिरेस्त जातलों आनी सगळ्यांक गिरेस्त करतलों.”[31] अशें तरेन कोंकणाचो सर्वांगी विकास घडोवपाचो तांचो हावेस लक्षांत येता.

शणै गोंयबाबान कोंकणाच्या पुनरूत्थानाचे बुन्यादिच्या वावराक मारिल्लो खांद फकाणाचो विशय करपाचो यत्न जालो. तांच्यो बकच्छायो जाल्यो. तांकां पिशांत काडले. पूण शणै गोंयबाबा म‌ुखार कोंकणाचो फुडार आशिल्लो गोंय हें देखदिणें अशें जावंचें देखून तांणी कोंकणी मनशाचो इतिहास खणून काडलो. कोंकणी भाशेची मुळां उस्तिलीं. गोंयकारान ह्या आदीं कितें

दिग्विजय केलो हाच्यो देखी सोदून काडल्यो. अशे तरेन आत्महीण गोंयकाराक जागोवन तांचे भितर स्वाभिमान बळायलो. तांकां गरज पडटा तेन्ना शेडावन गोंयच्या पुनरूत्थाना पासत तांचे भितर प्राण फुंकलो. तांचे उपरांत ते बुन्यादीचेर रवीन्द्र केळेकार हांणी आपल्या हेर सांगात्या वांगडा कोंकणी समजाची गडगंज इमारत उबी केली.

## 1.4.6 माधव मंजुनाथ शानभाग

ज्या काळार शणै गोंयबाब कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थाना पासत आपली जीण झरयताले त्याच काळार माधव मंजुनाथ शानभाग शणै गोंबाबांचो उलो कोंकणी मनशाच्या काळजांत रिगोवंक वावुरले. कोंकणी लेखनांतूय तांणी आपलें नांव लोकांमेरेन पावयिल्लें. कोंकणी समाजाक आपले मायभाशेची जाणविकाय जावंची आनी तिची उदरगत जावंची म्हूण तांणी पावलां मारलीं. कोंकणी भास, कोंकणी समाज, कोंकणी संस्कृताय, एक लिपी ह्या सुत्रान पुराय कोंकणी मनशाक जोडून दवरपा पासत तांणी 1939 वर्सा कोंकणी परिशदेचें पयलें अधिवेशन घेतलें. कोंकणी परिशदेचे ते संस्थापक जाल्ल्यान आनी कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थाना पासत तांणी केल्ल्या वावराची दखल घेवन शणै गोंयबाबान आपलें *आल्बुकेर्कान गोंय कशें जिखलें* (1955) हें पुस्तक शानभागांक ओंपलें. हाचे वयल्यान माधव मंजुनाथ शानभाग हांच्या एकंदर वावराची कल्पना येता.[32]

कोंकणी चळवळी वयल्या आपल्या सोद प्रबंधांत डॉ. हनुमंत चोपडेकार शानभाग आनी परिषद हांचे विशीं सांगतात, "गोंयच्या कोंकणी समाजाची भाशीक आनी सांस्कृतीक उत्क्रांती कोंकणी चलवळीन घडयल्या. 1858 वर्सा तिच्या पुनरूत्थानाक आरंभ जाले उपरांत शणै गोंयबाब हांणी तिका वैचारीक बसका दिली जाल्यार अखिल भारतीय परिषदेन संघटनात्मक स्वरूप दिवन तिका समस्त कोंकणी मनशाच्या हावेसाकडेन जोडली."[33]

ह्या सगळ्या संदर्भां वयल्यान माधव मंजुनाथ शानभाग हांणी परिषदेच्या निमतान कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थानापासत 1858 – 1910 ह्या काळांत वावर चलतालो त्या वावराक 1910

ते 1939 ह्या काळांत शणै गोंयबाबान खांदो मारलो जाल्यार 1939 च्या काळांत माधव मंजुनाथ शानभाग हांणी कोंकणीची संघटनात्मक चळवळ उबी करून तिचो प्रभाव फुडाराक जितो जिवो उरतलो असो परिषदेच्या रूपान वावर केलो जो अजून चलत आसा.

## संदर्भ वळेरी


1. देसाय,श्रीपाद रघुनाथ.*कोंकणी शब्दकोश (दुसरो भाग)*. पेडणें,गोंय. : श्रीसीताराम प्रकाशन,1983. पा.क्र.- 15
2. वर्दे वालावलिकार, शांताराम (संपादक). *समग्र शणै गोंयबाब (खंड 2 )*. बोरी, फोंडें :गोवा कोंकणी अकादेमी, जून 2003. पा.क्र.-9
3. संगवे, डॉ.विलास .*समाजशास्त्र*. 35 सी ताडदेव रोड, मुंबय 34: पॉप्युलर प्रकाशन, मार्च 1972. पा.क्र- 169
4. वयलोच संदर्भ: *समाजशास्त्र*. पा.क्र- 177
5. सरदेसाय, डॉ.मनोहरराय (मुखेल संपादक) .*कोंकणी विश्वकोश (खंड पयलो*). ताळगांव,गोंय 403002:गोवा विश्व विद्यालय,1991.पा,क्र.- 495.
6. बोरकार,दिलीप.*भारतीय भासांचें साहित्य घडोवपी रवीन्द्र केळेकार*. नवी,दिल्ली: साहित्य अकादेमी, 2021.पा.क्र.- 100,101.
7. वेरेंकार,श्याम (संपादक).*कोंकण भास, साहित्य आनी संस्कृताय*. विद्यानगर,मडगांव, गोंय: कोंकणी भाशा मंडळ, मार्च 2003 पा.क्र.- 377.
8. आदलोच संदर्भ:.*कोंकणी* विश्वकोश *(खंड पयलो)*. पा,क्र.- 644.
9. आदलोच संदर्भ:.*कोंकणी* विश्वकोश *(खंड पयलो)*. पा,क्र.- 644.
10. आदलोच संदर्भ: *समग्र गोंयबाब (खंड 2 )*. पा.क्र.-10
11. आदलो संदर्भ :*कोंकणी शब्दकोश(दुसरो भाग)*. पा.क्र- 15
12. आदलोच संदर्भ: *समग्र गोंयबाब (खंड 2 )*. पा.क्र.-10
13. आदलोच संदर्भ:.*कोंकणी* विश्वकोश *(खंड पयलो)*. पा,क्र.- 514.

14. प्रभुदेसाई, डॉ. वि. बा.*सतराव्या शतकातील गोमंतकी बोली*. कोट, मुंबई: मुंबई विश्वविद्यालय, 1963.पा,क्र.- 24
15. आदलोच संदर्भ: *सतराव्या शतकातील गोमंतकी बोली*. पा,क्र.- 28
16. भेंब्रे, उदय.*व्हडलें घर*. दत्तवाडी, सांगें, गोंय 403704: संजना पब्लिकेशन्स,2021.पा,क्र.- 7,8.
17. वयलोच संदर्भ : व्हडलें घर.पा,क्र.- 8,9.
18. आदलोच संदर्भ: *समग्र गोंयबाब (खंड 2 )*. पा.क्र.-18
19. मावजो, दामोदर. *फिनिक्साचें उत्थान आनी सर्जकाचे उत्फर्के*. घोगळ, मडगांव,गोंय.403713 :पब्लिशिंग नॅक्स्ट, 2019. पा.क्र- 29.
20. आदलोच संदर्भ: *समग्र गोंयबाब (खंड 2 )*. पा.क्र.-16
21. केळेकार, रवीन्द्र.*पांथस्थ*. डॉ. व्होल्फागुं द सिल्व्ह मार्ग, पणजी,गोंय.400013 :राजहंस ऑफसॅट, 2000. पा.क्र- 1.
22. आदलोच संदर्भ: *समग्र गोंयबाब (खंड 2 )*. पा.क्र.-150
23. नाडकर्णी, आनंद रामकृष्ण. *ज्ञानेश्वरींतील शब्दांचा कोंकणी बोलींत शोध*. दादर, मुंबई :मराठी संशोधन मंडळ 400014, मे 1981.पा.क्र.- 4,5.
24. आदलोच संदर्भ: *कोंकण भास, साहित्य आनी संस्कृताय*. पा.क्र.- 392.
25. मजुमदार,सत्येंद्रनाथ. (अनुवाद)स्वामी शिवतत्वानंद.*स्वामी विवेकानंद ह्याचे चरित्र*. धंतोली,नागपूर: रामकृष्ण आश्रम, ऑगस्ट 1980,पा.क्र.- 30,31.
26. आदलोच संदर्भ:.*कोंकणी विश्वकोश (खंड पयलो)*. पा.क्र.- 460,461.
27. आदलोच संदर्भ:.*कोंकणी विश्वकोश (खंड दुसरो)*. पा.क्र.- 276.
28. सरदेसाय,माधवी.*मंथन*. पाजीफोंड,-मडगांव गोंय: जाग प्रकाशन, मार्च 2012 पा.क्र.- 7,8.
29. https://gom.wikipedia.org/wiki/ /एदुवार्द_जुझे_ब्रुन_द_सौझ
30. आदलोच संदर्भ:.*कोंकणी* विश्वकोश *(खंड पयलो)*. पा.क्र.- 460.
31. वर्दे वालावलिकार, शांताराम (संपादक).*वज्रलिखणी*. मडगांव,गोंय : कोंकणी भाशा मंडळ, 23 जून 1977.पा.क्र.- 1.

32. आदलोच संदर्भ:*कोंकणी विश्वकोश (खंड चवथो)*. पा.क्र.- 716.

33. आदलोच संदर्भ:*कोंकणीची राजभास चळवळ: एक समाजभासविज्ञानी मुल्यांकन*.पा.क्र. 134

# दुसरें प्रकरण

## रवीन्द्र केळेकार जिवीत आनी कार्य

# दुसरें प्रकरण – रवीन्द्र केळोकार जिवीत आनी कार्य

## 2.1 घराबो, जल्म, भुरगेपण आनी शिक्षण

### 2.1.1 केळेकार हांचो घराबो

केळेकार हें कुटूंब मुळचें तिसवाडी म्हालांतल्या मंडूर ह्या गांवचें. तिसवाडी म्हालांत त्या काळार मोट्या प्रमाणांत बाटाबाटी चलताली. थंयच्या लोकांचो त्या पासत आवरो उडलो आनी थंयचे हिंदू आपली साठली पोटली घेवन मेळत ते वाटेन धांवत सुटले. ह्या लोकां मदीं रवीन्द्र केळेकारांचो एक पुर्वज आसलो. जेन्ना आकांत येवन ताणें आपलो गांव सोडलो तेन्ना ताच्या सांगाताक तागेली घरकान्न आनी दोग धाकले पूत आशिल्ले.[1]

मंडूरच्यान तें कुटूंब करमळे पावलें तेन्ना, 'पाखले आयले' असो बोवाळ जालो. बाटाबाटी चुकोवपाक लागून जो तो वाट मेळटा ते वटेन फांफसलो. केळेकार हांच्या पुर्वजांच्या कुटुंबाची हे धांवपळींत धुस्पट जाली. घोव एकी कडेन आनी बायल धुळापेर पावली. वांगडा तिचे पूत आशिल्ले. घोवाची वाट पळयत थंयच रावली जाल्यार आपल्या पुतांचेर कितेंय हावळ येत ह्या हुसक्यान ती लागींच आशिल्ली तार काडून पलतडीं गेली. तो सौंदेकारालो वाठार आशिल्लो. थंयच्यान ती बायल पिरवळा ह्या गांवांत गेली. तिका आतां हांगां फिरंगी पाखल्यांचो बी भंय नाशिल्लो. त्या भायर साश्टींतले देव घेवन थंयचे हिंदू लोक ह्या वाठारांत येवन आलाशिऱ्याक रावल्यात म्हणपाचें तिचे कानार पडलें. आपणें हांगाच देवाचे सासायेंत आलाशिरो घेवंचो अशें तिणें चिंतलें. ती पिरवळची ग्राम संस्था आशिल्ली. तिणें ते उबंत अस्तुरेक थंयच्याच एका व्हाळा लागसार तिका एक जमनीचो कुडको कसपाक दिलो. थंय तिणें कुळागर वसयलें. तातूंत तिणें चडशे केळमे लायले आनी केळयांचो व्यापार करूंक लागली. केळीं विकपाचो तिचो

मुखेल धंदो जाल्ल्यान तिका केळेकान्न आनी तिगेल्या भुरग्यांक केळेकार म्हूण गांवचे लोक पाचारूंक लागले.[2]

## 2.1.2 घरचीं फाटभूंय

केळेकार ह्या कुटुंबान बरोच काळ कुळागर वसयलें. केळ्यांचो वेपार आपलो मुखेल वेवसाय म्हण प्रस्थापीत केलो. तेच पासत उपरांत केळेकार ह्या नांवान तांची वळख प्रस्थापीत जाली. उपरांत बऱ्याच काळान त्या केळेकार कुटुंबांत पयली वयली उच्च शिक्षीत व्यक्ती जाली ती राजाराम केळेकार. तांणी दोतोरकीचें शिक्षण घेतलें आनी ते म्हाड्डोळच्या बाजारांत वैजकी करपाक लागले. राजाराम केळेकार हे सेवाभावी सभावाचे जाल्ल्यान तांकां गांवच्या लोकांचें पयशे घेवप पुटवना जालें. देखून पिरवळच्यान ते साश्टी म्हालांतल्या कुंकळे गांवांत बागा म्हणटात ते सुवातेर गेले. थंयच तांणी दोतोरकी सुरू केली. त्याच वाठारांतल्या दळवी आडनांवाच्या कुटुंबांतले चन्द्रा नांवाचे चलये कडेन तांचें लग्न जालें.[3]

लिंगुबाब दळवी ते मुस्तींतले एक नामनेचे ताबेल्यांव[4] त्या भायर तांकां वाचनाची आनी समाजसेवेची आवड आशिल्ली. दळवी घराबो हो संस्कारीत घराबो जाल्ल्यान केळेकार घराब्या कडेन संस्काराचे नदरेन बरो संबंध जुळ्ळो जाका लागून फुडाराक त्या घराब्यांत जल्मल्ल्या रवीन्द्र केळेकार हांचेर दोन आदर्श घराब्यांचो आदर्श संस्कार जावंक पावलो.

## 2.1.3. रवीन्द्र केळेकार हांचो जल्म आनी नामकरण

रवीन्द्र केळेकार हांचो जल्म कुंकळच्या तांच्या आजोळच्या म्हणल्यार दळव्यांच्या घरांत 7 मार्च 1925 ह्या दिसा जालो. रवीन्द्र केळेकारांच्या आवयचें कुळारचें नांव ‘चन्द्रा’ आशिल्ल्यान तांच्या घरच्यांनी तांचें नांव ‘चंद्रकांत’ अशें दवरलें.[5] दळवी कुटुंबांतलें एक व्हड व्यक्तिमत्व लिंगुबाब दळवी. ते त्या काळा वयले नामनेचे एक हिंदू वकील. ते कर्तबगार वकील जाल्ल्यान तांकां समाजांत मान आशिल्लो. त्या काळार त्रिस्थळीची यात्रा करपाची परंपरा आशिल्ली. लिंगूबाब दळवी ही यात्रा करूंक जेन्ना भायर सरले तेन्ना ते कोलकोताक पावले. थंय तांणी कवी

कुलगुरू रवीन्द्रनाथ ठाकूर हांची भेट घेतली. तांच्या भव्यदिव्य व्यक्तिमत्वान लिंगुबाब दळवी दिपकावले. जेन्ना यात्रा पुराय करून ते घरा आयले तेन्ना आपल्याक नातू जाला म्हणपाचें तांकां कळ्ळें. तांचे वयलो रवीन्द्रनाथ टागोरांचो प्रभाव अजून थीर आशिल्लो देखून तांणी आपल्या नातवाक दवरिल्लें पारंपारीक 'चंद्रकांत' हें नांव बदलून 'रवीन्द्र' हें नांव दवरलें.[6]

## 2.1.4 रवीन्द्र केळेकाराचें भुरगेपण

रवीन्द्र केळेकारांचे बापूय राजाराम केळेकार हे कुंकळ्ळे वैजकी करताले तेन्ना थंय दळवी कुटुंबा कडेन तांचो संबंध आयलो. हाका लागून केळेकार आनी दळवी हे शिक्षण आनी संस्कृतीच्या मळा वयलें प्रागतीक कुटुंब नाते संबंदान एकठांय आयलें. दोतोर राजाराम हांणी वैजकी शिक्षण घेतिल्ल्यान आनी तांकां वाचनाची आवड आशिल्ल्यान तांच्या घरांत रवीन्द्र केळेकारांच्या जल्मा वेळार दोन आलमारी पुस्तकांनी भरून आशिल्ल्यो. ते मुस्तींत साहित्याची इतली गिरेस्तकाय आनी आवड सहसा कोणाच्या घरांत नाशिल्ली. रवीन्द्र केळेकार जल्मा सावन दोन वर्सांचो जाय मेरेन लिंगु दळव्याच्या संर्पकांत आशिल्ले. तांच्या आंगां खांदार खेळटाले. रवीन्द्र केळेकारांची ही भुरगी पिराय दोळ्यां मुखार दिसता तें घट बरें मनांत एकठांय करून दवरपाची आशिल्ल्यान लिंगुबाबाचे धिटायेचो आनी समाजांतल्या वावराचो तांचेर प्रभाव पडलो. फुडाराक रवीन्द्र केळेकारांची वैचारीक घडण जावपाक भुरगेपणा  वयल्या आजोळच्या संस्काराचो वांटो आसप ही सांस्कृतीक प्रक्रिया.

रवीन्द्र केळेकारांचे बापूय दोतोर राजाराम केळेकार हांणी दिवाक प्रॅक्टीस सुरू केली. वांगडा ते आपलें कुटुंबूय घेवन थंय गेले. त्या वेळार रवीन्द्र केळेकारांची पिराय अडेज वर्सांची आशिल्ली. तांची ही पिराय मुळावें शिक्षण घेवपाची जरी नाशिल्ली तरी सरभोंवतणच्या परिसरांतल्या संस्कृतायेची शिकवण घेवपाची आशिल्ली. दिवांत गोंयकारांचीं त्या काळार पांच स बिराडां आशिल्लीं तरी तांचे कडेन ह्या केळेकार बिराडाचो संपर्क येना आशिल्लो. तांचो संबंद सरभोंवतणच्या गुजराती संस्कृतायेच्या लोकां कडेन येतालो. हाका लागून घरांत कोंकणी आनी

घरा भायर  सवंगड्यां वांगडा गुजराती भास अश्या दोन वेगळ्या संस्कृतायेंत तांची वाड जावंक लागली.

रवीन्द्र केळेकार चवदां वर्सांचे जाय मेरेन दीवाचे गुजीर संस्कृतायेंत ल्हानाचे व्हड जाले. पयल्या चार वर्सांचें मुळावें शिकप तांणी गुजराती माध्यमाचे एके शाळेंत घेतलें. भोंवतणी गुजराती भास, शाळेंत गुजराती भास हाका लागून तांचे जिबेर गुजराती भास घोळपाक लागली. ती तांची आवय भासूच जाली.[7]

## 2.1.5  रवीन्द्र केळेकार हांचें शिक्षण

गोंयचे शिक्षणीक परंपरेंत ते मुस्तींत रवीन्द्र केळेकारांचे पिरायेचे सरसकट गोंयकार भुरगे जें शिक्षण गोंयांत घेताले ते तरेचें शिक्षण रवीन्द्र केळेकार हांच्या वांट्याक आयलें ना. अडेज वर्सांचेर ते बापाय वांगडा दीवाक गेले देखून थंय तांचें मुळावें शिक्षण गुजराती माध्यमांतले सरकारी शाळेंत जालें. गोंयांत तें मराठी भाशेंत चलतालें. त्या उपरांत पुर्तुगेज मुळावें शिक्षण घेवंचें पडटालें. ताका प्रिमेर ग्राव आनी सेगूंद्र ग्राव म्हणटाले. तें तांणी दीवाकूच केलें. उपरांत फुडलें शिक्षण घेवपा पासत रवीन्द्र केळेकार गोंयां आयले. फोंडेच्या आल्मैद कुलेजींत लिसेवाचें म्हणल्यार माध्यमीक शिक्षण दिवपाची वेवस्था आशिल्ली. पिरायेच्या सोळाव्या वर्सा थंयच्या कुलेजींतलें शिक्षण पुराय केलें. हांगाच तांणी चिंतामणराव सरदेसाय हांचे कडल्यान मराठी भाशेचें शास्त्रशुद्ध शिक्षण घेतलें. थंयच्यान ते लिसेवाचीं फुडल्या तीन वर्सांचें शिक्षण पणजेच्या इंस्तितूत द इंस्त्रुसांवांत घेवंक पणजे आयले.[8] तेन्ना तांची पिराय एकुणीस वर्सांची आशिल्ली. पूण तें शिकप तांणी पुराय केलें ना. 1946 त पिरायेच्या एकविसाव्या वर्सां तांणी गोंयच्या सुटके झुजांत उडी घेतली आनी ताका लागून तांचो  शिक्षणा कडलो संपर्क तुटलो.

## 2.2    शिक्षक आनी इश्टांचो प्रभाव

वैजकी करपी व्यवसायिकांक ते मुस्तींत समाज भोवच मान दितालो. आपले भलायकेची काळजी घेवपाक समाजांतले वयल्या वर्गांतले लोक दोतोर केळेकारां कडेन येताले. त्या भायर

दो. केळेकार हे आपले विद्वत्तेक लागून समाजांत प्रतिशठीत आशिल्ले. देखून तांचे कडेन ते मुस्तींतले वयल्या वर्गांतले अधिकारी इश्टागतीचें नातें दवरून आसताले. दीवाचो गव्हर्नर फेइयु फॉल्कि आनी तेनेन्त एर्रीकिश तशेंच दुसरो एक शिकीत कार्दोझ हांचोय आस्पाव आसतालो. भुरगे पिरायेर रवीन्द्र केळेकार तांकां आपल्या बापाय कडेन पुर्तुगेजींतल्यान उलयतना पळोवन प्रभावीत जाताले. फेइयु फॉल्कि हांच्या तोंडार घोळपी शुद्ध पुर्तुगेज भाशेन तांचेर मोनेळ घाल्लो.[9]

रवीन्द्र केळेकारांचो बापूय मिनेझीस ब्रागांसाचो भक्त आशिल्लो. ताका त्या काळार व्हड लोक मेळूंक येताले. तातूंत गोंयच्यान आयिल्लो एक दोतोर शिकीत कार्दोझ आसलो. तो आपल्या बापाय कडेन हिंदू आड वाद घालता तें रवीन्द्र केळेकार पळयताले. आपलो बापूय ताका रामकृष्ण, विवेकानंद हांच्यो खबरो सांगून ताचें मतपरिवर्तन करूंक कसो यत्न करता ताचोय अणभव घेताले. शिकीत दाडेक धरिल्लें सोडूंक तयार नाशिल्लो. देखून रवीन्द्र केळेकार हांकां तो आवड नाशिल्लो. त्याच दोतोर शिकीतान गव्हर्नर फेइयु फॉल्किक भायली पिडा जाल्या म्हणपाचो रिपोर्ट दिलो. तो रिपोर्ट बदलचो म्हूण सांगपाक गव्हर्नरान तेनेन्तीक धाडलो. पूण दोतोर शिकीत ताका बदलो ना. ताणें मार खालो, गाळी खाल्यो. पूण परती जाप दिली ना. आपणें दिल्लो दाखलोय बदल्लो ना. एका पोल्यार मारतकच दुसरो पोलो मुखार करतालो. गाळ मारतकच ओब्रिगाद म्हणटालो. शेवटाक तेनेन्त उबगून गेलो. दोतोर शिकीत आपल्या निर्णयाक दसून रावलो.[10] सत्या पासत कोणां मुखार दिमी मोडप ना हाचो पयलो प्रभाव शिकीताच्या रूपान रवीन्द्र केळेकारांचेर पडलो.

रवीन्द्र केळेकार आपलें मुळावें शिकप दीवाक पुराय करून फुडलें शिक्षण घेवंक गोंयांत आयले. फोंडेच्या आल्मैद कुलेजींत दाखल जाले. थंय लक्ष्मणराव सरदेसाय कुलेजीचे दिरेतोर म्हणल्यार मुख्यध्यापक आशिल्ले. हे कुलेजींत रवीन्द्र केळेकार तीन वर्सां उरले. लक्ष्मणराव सरदेसाय हांचे कडल्यान ताणी पुर्तुगेज आनी फ्रान्सेज भासांचो अभ्यास करतनाच राष्ट्रप्रेमाचेय धडे घेतले. तांच्या हॉस्टेलांत चिंतामणराव सरदेसाय हे थंय शिकोपवी शिक्षक रावताले. तांकां नक्षत्रविद्येचें पिशें आशिल्लें. तें रवीन्द्र केळेकारान तांचे कडल्यान आपल्याक लावन घेतलें.

रातच्या काळखांत तांच्या सांगांताक मळबांतलें हें अप्रूप पळयत नक्षत्रांची वळख करून घेतली. ती तांच्या जिवितांत सासणाची उरली. ताकाच लागून फुडाराक ते *ब्रम्हांडांतलें तांडव* (1980) हें नक्षत्रविद्ये वयलें पुस्तक कोंकणींत दिवंक पावले. तेच कुलेजींत तांकां मनोहरराय सरदेसाय, वामन सरदेसाय हांचे सारके कवी इश्ट म्हूण लाबले, जाका लागून तांकां कवितेची ओड लागली. भुरगेंपण दीवाक गेल्ल्यान तांची गोंयचे संस्कृतायेची वार तुटिल्ली. हे कुलेजींतल्या ह्या इश्टां वांगडा तांणी गांवांतल्यो जात्रा, कालो, जागोर, नाटकां, किर्तना बी पळोवन आपले लोक संकृतायेची खोलायेन वळख करून घेतली. मुळावें शिक्षण गुजरातींतल्यान जाल्ल्यान तीच तांची आवय भास कशी जाल्ली. तांकां मराठी, कोंकणी ह्यो भासो वाचूंक बरोवंक संवकळीच्यो नाशिल्ल्यो. चिंतामणराव सरदेसाय हांणी तांकां मराठी भास शिकयली. दीवाक आसतना तांच्या बापायच्या तोंडांतल्यान मिनेझीस ब्रागांस हांच्या विद्वत्तेची आनी मोठेपणाच्यो खबरो आयकल्ल्यो. फोंडे कुलेजींत जेन्ना रवीन्द्र केळेकार शिक्षण घेताले तेन्ना ते भायर पडिल्ल्याची खबर आयली. त्या वेळार लक्ष्मणराव सरदेसाय हांणी तांची पुराय वळख आपल्या भाशणांतल्यान करून दिली. तांच्या निमण्या संस्कारा वेळार पुराय गोंयचे व्हडले लोक गेल्ले. हे घडणुकेक लागून मिनेझीस ब्रांगासाचो खूब व्हड प्रभाव रवीन्द्र केळेकारांचेर पडलो.[11]

### 2.2.1 शांताराम आमोणकार हांचो सांगात

लिसेवाच्या तिसऱ्या वर्साची परिक्षा दिवन रवीन्द्र केळेकार दीवाक वचूंक भायर सरले. गोंयच्यान पुणे, पुणेच्यान मुंबय असो हो तांचो प्रवास आशिल्लो. तीन वर्सां फोंडेच्या आल्मैद कुलेजींत शिकतना आपल्या इश्टां वांगडा कोंकणी संस्कृताय समजून घेतिल्ली. गोंय, पुणे आनी मुंबय ह्या प्रवासांत आनी जेन्ना मुंबय पावले तेन्ना थंयचे खानावळींतलें जेवण हाचो अणभव जेन्ना तांणी घेतलो तेन्ना हें आमचें जेवण न्हय म्हणपाचो साक्षात्कार तांकां जालो. ताकाच लागून आपूण खरो कोण? गुजराती? पुर्तुगेज? मराठी? काय कोंकणी? हो प्रस्न तांकां सतावंक लागलो. जेन्ना ते दीवाक पावले तेन्ना तांणी बापाय कडेन हो प्रस्न काडलो आनी कोंकणी भाशेची चवकशी केली.

तेन्ना तांणी कोंकणींतल्यान साहित्य बरोवपी वामन वर्दे वालावलिकार हांची खबर सांगली. ते शणै गोंयबाब ह्या नांवान बरयताले म्हणपाचें तांकां कळ्ळें.

थंयच्यान तांणी तांचें *कोंकणी भाशेचें जैत* (1930) हें पुस्तक फैदासलें आनी तें वाचून शणै गोंयबाबांची तळमळ, तांगेलो किंवाटो, तांगेली विद्वत्ता तांकां स्पर्शून गेली. 'तेन्नाच आपूण शे प्रतिशत कोंकणीवादी जालो'. अशें रवीन्द्र केळेकार सांगतात. उपरांत ते लिसेवाचें फुडलें शिक्षण घेवंक पणजे इंश्तितूत द इंस्त्रुसांवांत आयले आनी थंय पयल्याच सप्तकांत तांची वळख शांताराम आमोणकार हांचे लागीं जाली. तांकांय कोंकणीचें पिशें लागिल्लें. तें पिशें ते रवीन्द्र केळेकारांक लावंक सोदताले. तेन्ना रवीन्द्र केळेकारान तांकां सांगलें, 'म्हाका तें आदींच लागलां. कोंकणी पासत कितें करपाचें तें येवजितां.' तेन्ना शांताराम आमोणकार हांणी सांगलें, 'कोंकणी भास जरी फाटी आसली तरी तिका हेर भयण भासांचे पंगतीक बसोवपा खातीर आजूच कामांक लागुंया.'[12] अशे तरेन शांताराम आमोणकार हांणी रवीन्द्र केळेकाराक तांचें मिशन दाखोवन दिलें. जिवितांत आपूण आनी कितेंय करूंक पावूं वा ना पावूं, कोंकणीचें हें एकूच काम तन, मन आनी प्राण ओंपून जिवितभर करतलों असो तांणी निश्चेव केलो.

### 2.2.2 विवेकानंदाच्या विचारांचो प्रभाव

*पांथस्थ* (2000) पुस्तकांत रवीन्द्र केळेकार बरयतात, " हे सतरा अठरा पिरायेचेर भुरगेपण सोंपता आनी तरणेपण सुरू जावपाचो संधिकाळ आसता. ही पिराय नाजूक आसता. हेच पिरायेर भुरग्यांक मिसरूट फुट्टा आनी मत्ताय फुट्टांत. हे पिरायेर आपूण कितें तरी भव्य दिव्य करतलों म्हणपाचो हावेस मनांत उदेता. हेर भुरग्यांवरी आपल्याय मनांत तो उदेलो आनी हेच पिरायेर म्हज्याय हातांत विवेकानंदालें जिवीत पडलें...."

रवीन्द्र केळेकार हांणी आपल्या खुबश्या साहित्यांत आपल्याचेर विवेकानंदाच्या जिविताचो कसो कितें प्रभाव पडलो तें नमूद केलां. मनशाची हीच पिराय निर्णायक आसता. हे पिरायेर खंयच्याय भुरग्याच्या मनांत जे गजालीचो प्रभाव पडटा, तो प्रभाव त्या तरणाट्याच्या जिविताची दिका

थारायता. रवीन्द्र केळेकारांच्या हातांत सोळ वर्सा पिरायेर विवेकानंदालें  जिवीत पडलें. तें वाच्चे पयलीं तांकां विवेकानंद म्हणल्यार देव देव करपी आनी हेरांकूय तशें करात अशें सांगपी एक सन्याशी म्हणपाचो समज आशिल्लो. जेन्ना विवेकानंदाचें जिवीत तांणी वाचलें तेन्ना तांचो तो समज पयस जालो आनी ह्या सन्याशा भितर  तांकां एक व्हड देशभक्त दिश्टी पडलो.

जेन्ना तांणी विवेकानंदाचें जिवीत वाचलें आनी थंय जें कितें विचार तांकां वाचूंक मेळ्ळे तोच उजो आपल्या काळजांत धगधगता म्हणपाची तांकां जाणविकाय जाली तेन्ना विवेकानंदाच्या विचारां कडेन आनी तत्वगिन्याना कडेन तांचे मन आपशींच जुळून आयलें. तो प्रभाव तांकां एक वेगळी वैचारीक दिका दिवपी थारलो.

उपरांतच्या काळांत तांणी विवेकानंदाचें पुराय जिवीत वाचलें, त्या काळार विवेकानंदाचें संपूर्ण वाङमय मराठींत तेरा भागांत मेळटालें तेंय तांणी हाडून वाचलें. तातूंतलो ‘वेदान्त’ तांकां ते पिरायेर व्हडलोसो समजूंक नासलो तरी जेन्ना तांणी विवेकानंदाची *कोलंबो ते आल्मोडा* (1897) ही व्याख्यानमाला वाचली तेन्ना तांची ल्हंवेन ल्हंव फुलून आयली. आमच्या देशा कडेन अशें कितें तरी आसा जें युरोपा सारक्या प्रगत देशा कडेन ना हाची तांकां जाणविकाय जाली आनी अभिमानान हड्डें फुलून आयलें. तेच पिरायेर भारताचो धर्मविचार, तत्वविचार, ताचें समाजशास्त्र, साहित्य, स्थापत्य हें सगळें समजून घेवपाचो, भारताच्या उदात्त ध्येयवादा कडेन एकरूप जावपाचो हावेस विवेकानंदाचें साहित्य वाचून तांच्या मनांत जागो जालो. त्या वर्साचे गिमाचे सुटयेंतले तिनूय म्हयने तांणी पुराय विवेकानंद आरत्याचो परतो केलो, तो पचयलो.[13]

विवेकानंदाचो हेच पिरायेर पडिल्लो प्रभाव आमकां तांच्या साहित्यांत आज वाचूंक मेळटा. रवीन्द्र केळेकारांक तरणे पिरायेर आदर्श जिविताची दिका दाखोवपाची वाट विवेकानंदान दाखयली.

### 2.2.3 लोहियांचो विचार प्रभाव

रवीन्द्र केळेकार *सर्जकाची आंतरकथा* (2000) ह्या आपल्या पुस्तकांत आपल्याक बरोवपाची प्रेरणा कशी आयली हाचेर भाश्य करतना आपल्याचेर जाल्ल्या लोहियांच्या प्रभावाची खबर सांगतात. जेन्ना ते अठरा – वीस वर्सांचे पिरायेचे आशिल्ले तेन्ना तांचेर विवेकानंदाचो प्रभाव पडिल्लो. तांणी विवेकानंदांच्या जिविताचो अभ्यास करतना, एका उतुंग कार्याचें ध्येय आपले मनांत केळयिल्लें. विवेकानंदाचें जिवीत समजून घेतना, विवेकानंदूच तांकां कार्ल मार्क्सा कडेन घेवन गेले. ताका लागून मार्क्साचो अभ्यास जावंक पावलो आनी ते आपल्याक मार्क्सवादी समजुपाक लागले. आनी ह्याच वेळार ते लोहियांच्या प्रभावांत आयले आनी लोहियांचे विचारसरणेन तांच्या मनांतलो मार्क्सवाद पुसून उडयलो. ते सुवातेर लोहियान गांधिजीक हाडून बसयलो.

रवीन्द्र केळेकार ‘बरोवपाची प्रेरणा’ ह्या आपल्या लेखांत आपूण लोहियांच्या प्रभावांत कित्याक आयलो हे सांगतना बरयतात, “लोहिया म्हज्या पिळगेंतल्या तरणाट्यांचें आराध्य आशिल्ले. धीट, धाडशी, जिनियस अशे ते विचारवंत. आमी तांचे फाटल्यान पिशे जाल्ले.”[14] ह्याच लोहिया वांगडा रवीन्द्र केळेकारांनी गोंयचे मुक्ती चळवळींत मागीर वांटो घेतलो. ते जेन्ना गोंयांत आयिल्ले आनी तांणी पुर्तुगेजाच्या विरोधांत जमांवबंदी आवाज काडलो तेन्ना तांचें तें रूप पळोवन हेर गोंयकार तरणाट्यां वरींच रवीन्द्र केळेकारूय उचांबळीत जाल्ले. उपरांतच्या काळांत लोहियांनी गांधीजींच्या सांगण्या वयल्यान चळवळींतल्यान आंग काडून घेतलें तेन्ना गोंयचे चळवळीक फुडारपण नाशिल्ल्यान रवीन्द्र केळेकार गोंयचे सशस्त्र क्रांतीक विटले. तांचो हिंसेवेलो विस्वास साप्प उडून गेल्लो. ताका जापसालदार लोहियान तांचे तकलेंत घाल्लो गांधी आशिल्लो. त्याच गांधीचे विचार समजून घेवंक आनी तांचे कडल्यान कितें मार्ग सांपडटा काय म्हण पळोवंक ते गांधीक लागीं गेले. आज आमी रवीन्द्र केळेकारांक गांधीवादी म्हूण पाचारतात त्या गांधीच्या विचारांचें मुळावण तांच्या मनांत लोहियांच्या प्रभावान घाल्लें.

### 2.2.4 र. धों. कर्वे हांचो बुद्धिवाद

विवेकानंदाच्या प्रभावा खाला येवन आपलें पुराय जिवीत आपूण देशा खातीर ओंपतलों असो निश्चेव करून रवीन्द्र केळेकार गोंयचे सुटकेचो विचार करूंक लागले. देश स्वतंत्र जावपाचे वाटेर आसा आनी देशांत तशें वारें व्हांवता म्हणपाचें तांकां तांच्या शिक्षकांच्या उलोवपांतल्यान कानार पडटालें. दुसरें म्हाझूज नेटान चलतालें ताच्योय खबरो तांकां मेळटाल्यो. गांधी आनी हेर फुडाऱ्यांक धरून भितर उडयल्यात ताच्योय खबरो, गांधीचें भारत छोडो आंदोलन हाच्यो खबरो आयकून आपणेंय कितें तरी करूंक जाय अशें तांकां दिसतालें. त्याच काळार पणजेच्या आल्तिन्यार कांय भुरग्यांनी विद्यार्थी संघ सुरू केला म्हणपाचें तांणी आयकलें आनी त्या संघांत ते वांटेकार जाले.[15]

मुखार र.धों. कर्वे ह्या विचारवंतांची वळख जाली. देखून ते पयली पाँडिचेरीक अरविंदाच्या आश्रमांत गेले. पूण तांकां अरविंद आश्रम म्हणल्यार वयल्या पांवडयाची बुवाबाजी दिसली. रवीन्द्र केळेकार अध्यात्माचे अपेक्षेन गेल्ले पूण तांचे नदरेक थंय बुवाबाजी दिश्टी पडली देखून ते उबगले. आनी त्याच काळांत तांकां र. धो. कर्वे हांचें साहित्य वाचूंक मेळ्ळें. र. धो. कर्वे त्या काळांत *समाजस्वास्थ्य* नांवांचें नेमाळें चलयताले. तातूंत खूब कितें बुद्धिवादी खावड तांकां मेळूंक लागली. र. धों. कर्वे महाराष्ट्रांतलोच न्हय तर पुराय देशांतलो एक व्हड बुद्धिवादी अशीं त्या काळार फाम आशिल्ली. र. धों. कर्वेच्या बुद्धिवादाचो तांचेर खर प्रभाव पडलो. तांचेच सुचोवणेक लागून रवीन्द्र केळेकारान बर्ट्रांड रसेल, चार्लस् ब्रॅडलॉ, इंगरसोल, ज्यूलियन हकस्ले हांचीं पुस्तकां वाचलीं.[16]

### 2.2.5 काकासाहेब कालेलकर हांच्या सानिध्यांत

रवीन्द्र केळेकार हांकां काकासाहेब कालेलकर हांचे सारक्या ज्ञाननिधीचें सानिध्य लाभिल्ल्यान तांकां साहित्या कडेन आनी जिणे कडेन पळोवपाची वेगळी नदर लाबली. तांच्या सांगातान तांकां पुराय देश समजूंक मेळ्ळो. तांच्या वैचारीक गिन्यानांत आनी बुदवंतकायेंत भर पडली. ह्या

सगळ्या घडणुकांचो रवीन्द्र केळेकारांक जिवीत भर सांगांत मेळ्ळो जाचो आदार तांकां गोंयच्च्या पुनरूत्थानाच्या वावरांत मोट्या प्रमाणांत जावंक पावलो.

काकासाहेब कालेलकर हांचे विशीं बरयतना *सर्जकाची आंतरकथा* (पा.नं. – 68) हातूंत ते सांगतात, "काकासायबां म्हऱ्यांत जेन्ना जेन्ना पावलां, तेन्ना तेन्ना एका ऋशीसरी पाविल्ले वरी म्हाका दिसलां. तांगेली नदर आनी काळीजूय ऋशीचें आशिल्लें. ते एक चलतें भोंवतें विद्यापीठ आशिल्लें. साहित्यीक ह्या नात्यान ते उत्तमांतले उत्तम प्रवास वर्णना आनी निबंद हे तांचे आवडटे दोन फॉर्म आशिल्ले. काकासायबांचें वर्णन एका उतरान करचें जालें जाल्यार तांकां विभुतीच म्हणचे पडटलें. काकासायब एक जल्मजात प्रवासी." हाचे वयल्यान रवीन्द्र केळेकारांचेर काकासायब कालेलकरांचो कितलो प्रभाव पडला हाची कल्पना येता. कित्याक, ह्यो सगळयो गजाली रवीन्द्र केळेकारान आपले भितर जाणविकायेन केळयिल्ल्याचें आज आमकां तांचें जिवित आनी कार्य हाचो अभ्यास करतना लक्षांत येता. प्रवास आनी निबंध ह्या विशया कडेन रवीन्द्र केळेकार कशे पावले हाची जाप हांगा स्पश्ट जाता.

### 2.2.6 विनोबा भावेंच्या संपर्कांत

वर्ध्याक काकासायब कालेलकर हांचे वांगडा तांचो लेखनीक म्हण वावुरतना ते पवनार आश्रमांत विनोबा भावे हांच्या संपर्कांत आयले. विनोबाजींच्या प्रभावा सकयल ते आयले. विनोबाजींक ते साहित्यीक म्हूण पळयताले. तांकां ते ज्ञानेश्वर, तुकाराम, कबीर, हांचे जातकुळीचे साहित्यीक मानताले. तांचें साहित्य अल्पाक्षरी, शैली सादी सोंपी आनी नादाचें भान दवरून बरयिल्लें एक एक उतर उपाट अर्थान भरिल्लें अशें ते *सर्जकाची आंतरकथा* (2000) ह्या आपल्या पुस्तकांत बरयतात.[17]

रवीन्द्र केळेकार  हांचें साहित्य वाचतना आमकांय असोच प्रत्यय येता. तेन्ना हो विनोबाजींच्या साहित्याचो प्रभाव काय कितें असो प्रस्न पडल्या बगर रावना. त्या भायर वेद, उपनिषदां, ब्रह्मसुत्रां, गीता, ह्या सगळयांची उपासना करून विनोबाजी हे साहित्य कोळून पियेल्ले आनी

रवीन्द्र केळेकारांचेर जेन्ना आमी अभ्यास करतात तेन्ना तेय हेच परंपरेंतल्यान आयिल्ले आमकां दिसतात.

## 2.2.7 **गांधी विचारांचो पाटलाव**

रवीन्द्र केळेकार आपल्या ऐन तरणेपणार आपलें मिशन सोदपाक हांगां थंय फिरताले तेन्ना तांकां दिश्टावो जालो, आपल्या सगल्या प्रस्नाच्यो जापो गांधी लागींच मेळूं येतात. गोंयच्या मुक्ती संग्रामांत तांणी आपल्याक आस्पावन घेतिल्लोच. पूण थंय वावुरता आसतना त्या पंगडा भितर कसलीच दिका ना म्हणपाची खात्री जाली. ही दिका फकत गांधी कडल्यानूच मेळूं येता देखून आपणें गांधीच्या संपर्कांत आसूंक जाय अशें तांकां दिसतालें. त्याच काळार काकासायब कालेलकरांचो लेखनीक म्हणून ते वर्ध्याक गेले.

काकासायबा वांगडा आसतना तांचेर जसो काकासायबांचो प्रभाव पडलो तसोच काकासायबान तांकां गांधी पुराय समजावन सांगलो. ह्याच काळांत तांकां गांधी साहित्य गोंयच्या मुक्ती संग्रामांत आदाराक पावूं येता अशें दिसलें. गांधी विचार लोकां मेरेन पावचो देखून 'नवजिवन प्रकाशन मंदिरान' गांधी विचारांचीं ल्हान ल्हान पुस्तकां उजवाडाक हाडपाची एक येवजण आखिल्ली. देखून हे संस्थेन हीं पुस्तकां तयार करपाचो वावर रवीन्द्र केळेकार हांचे कडेन दिलो. तांणी त्या काळाचेर पांच पुस्तकां तयार करून हे संस्थेक दिलीं. तीं करतना रवीन्द्र केळेकारान पुराय गांधी समजून घेवपाचो यत्न केलो. तातूंत गांधीजींची अर्थनीत समजली. गांधी हे अशे एक फुडारी जे फकत मुखार पळोवन चलतात. हाची तांकां खात्री जाली. देशाक गांधी बगर पर्याय ना. हाची कल्पना तांकां ह्याच काळार आयली.

ह्या देशांत सगळें आसा पूण मनीसपण ना आनी तें फकत गांधीच केळोवंक शकतात हाची कल्पना हांकां त्या काळार जाली. तेच पासत तांणी गांधीजींची पुराय जीण, तत्वगिन्यान आनी राजकारण, पर्यावरण आनी हेर सगळया गजालींचेर तांची नदर समजून घेतली. गोंयच्या मुक्तीकूच न्हय जाल्यार गोंयचे पुनरूत्थान करपा पासत रवीन्द्र केळेकार हांणी केल्लो गांधीचो अभ्यास खूब

उपकाराक पडलो. देखून तांणी म्हणलां, “गांधी हे आयचे परिस्थितीक फकत रिलेवंट न्हय तर इनऐविटेबल.”[18]

## 2.3 रवीन्द्र केळेकार हांणी कोंकणी भाशीक मळार केल्लें कार्य.

कोंकणी भास हेर भारतीय भासांवरीं सगळया आंगांनी गिरेस्त भास आसुनूय पुर्तुगेजांच्या भाशीक आनी सांस्कृतीक दुश्टपणांक लागून ती उबंत पडिल्ली. मराठी भाशेक तिची उदरगत करपा पासत ज्ञानेश्वरा सारको तिचो एक कर्तुत्वी पूत मेळ्ळो तसो कोंकणी भाशेक तेन्ना मेळ्ळो ना. सगळे आयतेखोर उप्रासले. आपले आवयची म्हणल्यार कोंकणीची सेवा करपी पूत शणै गोंयबाबांच्या रूपान मेळ्ळो तो ज्ञानेश्वरा उपरांत सातशीं वर्सांनी. हें सगळें रवीन्द्र केळेकार हांणी भाशेच्या अभ्यासांत समजून घेतिल्लें. शांताराम आमोणकाराक जेन्ना तांणी प्रस्न केलो, ‘आमची कोंकणी भास हेर भासांचे पंगतीक बसपाक केन्ना पावतली?’ तेन्ना तांकां तांचे कडल्यान जाप मेळिल्ली, “लागत शंबर दोनशीं वर्सां, पूण आमी त्या पासत आजूच वावराक हात घालुंया जाका लागून एक दीस तरी उणो जातलो.”[19]

त्या दिसाच्यान रवीन्द्र केळेकारान कोंकणी भाशेच्या वावराक हात घालो आनी शंबर दोनशीं वर्सां न्हय जाल्यार आपल्या हेर सांगात्यांच्या आदारान पन्नास वर्सां भितर उबंत पडिल्ले आपले कोंकणी भाशेक तिच्या मानाचे सगळे पाट तिका दिवन हेर गिरेस्त भासांचे पंगतीक तिका व्हरून बसयली.

गोंय जेन्ना पुर्तुगेजांतल्या शेकातळांतल्यान मेकळें जातलें तेन्ना गोंयचेर ताचेच धूव-पूत कोंकणींतल्यान राज्य करतले म्हणपाची शंबर टक्के खात्री रवीन्द्र केळेकार हांकां आशिल्ली म्हणपाचें तांच्या वावरा वयल्यान कळटा. शिक्षण अर्द्यार सोडून जेन्ना तांणी गोंयचे सुटके झुजांत उडी घेतली तेन्ना तांकां धरून जून 1961त बंदखणींत घाले. त्या वेळार तांणी सुटके उपरांत गोंयच्या भुरग्यांक कोंकणींतल्यान शिक्षण मेळचें हे नदरेन *नवी शाळा* ह्या शिक्षणीक पुस्तकाचें हातबरप तयार केलें जें 1962 वर्सा पुस्तक रूपान उजवाडाक आयलें.[20]

गोंय जेन्ना मेकळें जालें तेन्ना तें हेर राज्यांत आस्पावचें काय वेगळें दवरचें हो मुद्दो मुखार आयलो. महाराष्ट्र राज्याचो सांस्कृतीक आनी भाशीक संबंध गोंया कडेन आशिल्ल्यान गोंयकारांची भास आनी संस्कृताय ही मराठी अशें एक वातावरण त्या काळार महाराष्ट्रांतल्या राजकी फुडाऱ्यांनी कांय परधार्जिण्या गोंयकारांक हाताक धरून तयार केल्लें. त्याच म्हालवजार गोंयचें महाराष्ट्रांत विलिनीकरण जावंचें असो एक विचार वयर सरलो. त्या विचाराक आपली संस्कृती आनी भास कोंकणी अशें मानपी गोंयकारांचो विरोध जालो. ताका लागून केन्द्र सरकाराक ओपिनियन पोल म्हणल्यार 'जनमत कौल' घेवंचो पडलो. विलिनीकरणवादी गोंयकारांची संस्कृताय मराठी, देखून भास मराठी तेच पासत गोंय महाराष्ट्रांत वचूंक जाय अशें मुद्दे मांडटाले. तेन्ना त्या मुद्द्यांक जाप दिवपाक गोंयकारांची संस्कृताय आनी भास कोंकणी म्हणपाचे मुद्दे पुराव्या सयत मांडपाची गरज आसली. ओपिनियन पोल हो भाशेचेर निर्णय दिवपी जरी नासलो. तरी गोंयकार कोंकणी भाशीक न्हय मराठी हें सिद्ध करपा पारस भाशेचो मुद्दो पयल्या क्रमांकार आयलो. त्या काळार विरोधक कोंकणी ही मराठीची बोली म्हणटाले. ती बोली न्हय तर स्वतंत्र भास, तिका व्याकरण आसा आनी साहित्यूय आसा, ती सगळे गोंयकार उलयतात म्हणपाचें ओपिनियन पोलाच्या प्रचारावेळार रवीन्द्र केळेकार आनी तांच्या सांगात्यांक सप्रमाण सिद्ध केले. प्रचारावेळार मुद्देसूद भाशणां करून कोंकणींतल्यान कसलोय विचार स्पश्टपणान मांडू येता आनी ही भास गोंयच्या सगळ्या धर्माच्या लोकांक कळटा हें दाखोवन दिलें. *राष्ट्रमत* (1967) हें दिसाळें सुरू करून विरोधकांक मराठींतल्यान जापो दितनाच कोंकणींतल्यान वेगवेगळे लेख आनी साहित्य उजवाडाक हाडून कोंकणी भाशेंतल्यान मराठीवरींच बरोवं येता हें सिद्ध केलें.

कारवाराक माधव मंजुनाथ शानभाग हांणी फुडाकार घेवन 1939 वर्सा कोंकणी परिशदेची स्थापना केली. ब्रिटीश हिंदुस्तानांत निरक्षरी कोंकणी मनशांक देवनागरींतल्यान अक्षरी करपाचो हे परिशदेचो उद्देश आसलो. तो वावर चलतनाच पुराय कोंकणी समाजाक एक भास एक लिपी एक समाज ह्या सुतान गुंथून हाडपाचोय वावर परिशदेन हातांत घेतलो.[21]

हो वावर मुखार व्हरपी जी उपरांतची पिळगी आशिल्ली तातूंत रवीन्द्र केळेकार हांचें नांव मुखेलपणान घेतात. तांचे भितरले कुशळ संघटकाची कळाशी, मुद्देसूद विचार मांडून वैचारीक परिवर्तन घडोवपाची शक्त आनी कोंकणी भास जाता तितले सोंपे तरेन लेखनांत वापरपाची रीत हाका लागून तांणी परिशदेच्या दरेक अधिवेशनांत आपल्या विचारांनी चळवळीचें अधिश्ठान सशक्त केल्ल्याचें दिसता.

रवीन्द्र केळेकार 11-12 फेब्रुवारी 1978 दिसांनी कोची-केरळांत जाल्ल्या अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या 12व्या अधिवेशनाचे अध्यक्ष आशिल्ले. तेन्ना तांणी आपल्या भाशणांत माधव मंजुनाथ शानभाग हांची तुस्त करतना म्हणिल्ले – इतिहासाच्या अपघातांक लागून विस्कळीत जाल्ल्या कोंकणी समाजाक संस्कृतायेच्या एका सुतांत गुंथून म्होवाळ कोंकणी सरस्पतीचें एक भव्य आनी दिव्य मंदीर उबारपाचें ध्येय ह्या मनशान आमचे मुखार दवरलें. द्रश्ट्यां मनशांकूच येवजपा सारको हो उपाय आशिल्लो.[22]

भोवभाशीक देशांतल्या वेगवेगळ्या भासांक स्वतंत्र भास म्हूण राष्ट्रीय मान्यताय दिवपाच्या हेतान साहित्य अकादेमीची स्थापना 12 मार्च 1954त जाल्ली. भाशावार प्रांतरचना जाल्ल्या प्रांतांच्या भासांक स्वतंत्र भासो म्हूण साहित्य अकादेमीन मानून घेतिल्लें. पूण गोंय पारतंत्र्यांत आशिल्ल्यान आनी कोंकणी भाशेचें पुर्तुगेज राजसत्तेन दमन केल्ल्यान हे भाशेचो फावो तसो विकास जावंक नाशिल्लो. गोंय मेकळें जाले उपरांत आनी ताका केन्द्रशासीत प्रदेश म्हूण दर्जो मेळ्ळे उपरांत ताची अधिकृत भास थारपाची गरज आशिल्ली. गोंयचें विलिनीकरण जरी जावंक पावलें ना तरी कोंकणी ही भास न्हय तर बोली हो मुद्दो कांय गोंयकार सोडपाक तयार नाशिल्ले. कोंकणी ही भास काय बोली हो मुद्दो सासणाचो नानपयत करून उडोवपाक कोंकणीक भास म्हूण साहित्य अकादेमीची मान्यताय मेळप गरजेची आशिल्ली. तशें जावपाक कांय म्हत्वाचे निकश घालून दिल्ले. कोंकणी भाशेक स्वतंत्र व्याकरण आसा, तिका वेगळी भारतीय लिपी आसा. आनी हे भाशेंतल्यान वेगवेगळे साहित्य प्रकार तयार जातात हें दाखोवन दिवपाची गरज आशिल्ली. रवीन्द्र केळेकार हांणी कोंकणींक व्याकरण आसा आनी हेर भासां आदीं तें छापून

आयिल्लें. हाचो पुरावो संवसारांतल्या पयल्या छापखान्याची स्थापना दाखोवन दिवन केलो. देवनागरी ही भारतीय लिपी ही कोंकणीची सभावीक लिपी आनी हे लिपींतल्यान बरयिल्लें सगळें साहित्य हाची गणती करून पुरावो म्हूण साहित्य अकादेमींक सादर केलो. साहित्य अकादेमीच्या कितल्याच वांगड्यांक हो मुद्दो पटोवन दिलो. कोंकणी वाटेन तांणी कित्याक मत दिवपाक जाय तें पुराव्या सयत दाखोवन दिलें आनी ताका लागून 26 फेब्रेर 1975 ह्या दिसा कोंकणी भाशेक भारतांतली एक स्वतंत्र भास म्हण साहित्य अकादेमीची मान्यताय लाबली.

गोंय भारता उपरांत स्वतंत्र जाल्ल्यान भाशावार प्रांतरचने वेळार गोंयांक कोंकणी राज्य म्हूण दर्जो लाबूंक पावलो ना. गोंय हो कोंकणी वाठार म्हूण जनमत कौल जिकिल्ल्यान भारतांतलो गोंय हो अधिकृत भाशेचो प्रांत थारिल्लो. पूण ह्या प्रांताची राजभास म्हूण अजुनूय कोंकणींक राज्यमान्यताय लाबूंक नाशिल्ली. गोंय हो संघप्रदेश जाल्ल्यान गोंयकारांच्या वांट्याक दुसऱ्या दर्जाचें नागरिकत्व मेळिल्लें. तें हेर राज्यांवरीं पयल्या दर्जाचें करपाक गोंयांक राज्याचो दर्जो मेळपाची गरज आशिल्ली. त्या पासत ह्या प्रांताक फकत एक राजभास थारावंक जाय आशिल्ली. तो निर्णय थळावें सरकारूच घेवंक शकतालें. ते पासत कोंकणी राजभास आंदोलन 29 जुलय 1985 दिसा सुरू जालें.[23] उपरांत ह्या आंदोलनांक दिका दिवपा खातीर रवीन्द्र केळेकार हांच्या मार्गदर्शनाखाल 'कोंकणी प्रजेचो आवाज' ही संघटना 31 ऑगस्ट 1985त घडली. कोंकणीक राजभाशेचो दर्जो हें हे संघटनेचें जैत आशिल्लें. ह्या एकंदर चळवळीचें कुशळ मार्गदर्शक म्हूण रवीन्द्र केळेकार हांणी समर्थपणान फुडारपण सांबाळळें.

गोंयची राजभास म्हण कोंकणींक मान्यताय लाबली. आतां प्रस्न आशिल्लो ह्या जैताच्या म्हालवजार गोंयांक घटकराज्याचो दर्जो घेवप आनी संविधानाचे आठवे वळेरेंत कोंकणीचो आस्पाव करप. कोंकणींक राष्ट्रमान्यताय घेवन हो भाशेचो वाद सासणाचो सोंपोवप. हे नदरेन रवीन्द्र केळेकार हांणी धोरण आखलें. तांणी *महाभारत* (1987) ह्या महाकाव्याचें दोन खंडांनी कोंकणींत अनुसर्जन केलें. ह्या अक्षर साहित्याचें विमोचन दिल्लींत तेन्नाचे प्रधानमंत्री राजीव गांधी हांचे हस्तुकी दवरलें. विमोचन सुवाळ्यांत रवीन्द्र केळेकार हांकां उलोवपाक फक्त पांच

मिनटां दिल्लीं. ह्या पांच मिनटांत रवीन्द्र केळेकार हांणी प्रधानमंत्री राजीव गांधी हांचे मुखार कोंकणीची पुराय केस प्रखरपणान मांडली. राजीव गांधीन तो विशय समजून घेतलो आनी कोंकणी भाशेचें राज्य म्हण गोंयांक 30 मे 1987 दिसा राज्याचो दर्जो दिलो. तशेंच मुखार 20 ऑगस्ट 1992 वर्सा कोंकणीचो आस्पाव संविधानाचे आठवे वळेरेंत जालो. ह्या सगळ्या घडणुकांच्या जैतांत रवीन्द्र केळेकार हांची धोरणात्मक रणनितीचो मुखेलपणान आस्पाव जाता.

## 2.3.1 कोंकणी भाशेचो प्रचार आनी प्रसार

खंयचीय भास उलयली वा बोली रूपांत आसली आनी तिचो विकासूच जावंक पावलो ना जाल्यार ती भास संवसारांतल्या कांय हेर भासांवरी सासणाची सोंपून वता हाची कल्पना रवीन्द्र केळेकारांक आशिल्ली. आपली कोंकणी भास ज्या अरिश्टांतल्यान वता तिका अशीच वचूंक दिली जाल्यार इंग्लेज सारक्यो भासो कोंकणीक खावन उडयतल्यो हाचीय तांकां कल्पना आयिल्ली. ताकाच लागून कोंकणी ही आपल्या आत्म्याची भास म्हणपाचो तांकां साक्षात्कार जालो. तेन्ना तांणी मनांतल्यान निश्चेव केलो, म्हज्या हातांतल्यान फुडाराक कितें बरें घडूं वा ना घडूं पूण आपूण आपली पुराय जीण कोंकणी भाशे पासत खर्च करतलों.[24] आनी तांणी ते दिकेन पावलां उबारलीं.

खंयचेय भाशेचें कार्य मुखार व्हरतलो जाल्यार ते भाशेचो प्रचार आनी प्रसार जावप गरजेचें आसता आनी हो वावर ते भाशेच्या धुवां - पुतांनी करपाची गरज आसता. पूण कोंकणी भाशेच्या नशीबान तिच्या वांट्याक कुंड्याकुस्कुराची जीण आयिल्ली आनी तातूंल्यान तिका वयर काडून मानाच्या पाटार बसयतलो जाल्यार ती भास जनमानसांत रिगप गरजेची आशिल्ली. ते नदरेन कोंकणी भाशेचो प्रचार आनी प्रसार म्हत्वाचो आशिल्लो.

गोंय मुक्त जावंचे आदीं कोंकणी भाशेचो गळो पुर्तुगेज राजवटींत, पुर्तुगेज सरकारान अंदिल्लो. गोंयची सुवात पुर्तुगेज आनी मराठीन आडायिल्ली. सरकार दरबारांत पुर्तुगेज भास राजवट चलयताली. जाल्यार समाजमानसांत मराठी भास विस्तार करताली. अशे वेळार हे मातयेंतली जी

कोंकणी भास जिचेर इतिहासाचो धुल्ल सांचला तो फाफडून ती भास समाजाच्या काळजा मेरेन पावोपाची गरज आशिल्ली.

गोंय मुक्त जाले उपरांत ल्हवू ल्हवू पुर्तुगेज भाशेचें प्रस्थ उणें जालें आनी ती सुवात इंग्लेजीन घेतली. मराठीन शाळांनी आनी खबरां प्रत्रांतल्यान हिंदू जनमानसांत व्याप्ती वाडयली. अशे वेळार गोंयकाराच्या माथ्यार बशिल्ली इंग्लेज आनी मराठी काडून उडोवन तांची सुवात कोंकणींक कशी दिवप हो मोटो प्रस्न आशिल्लो. धर्मीक वेगळेचार गोंयांत मूळ धरून आशिल्ल्यान क्रिस्तांवा मदल्या वयल्या वर्गाची भास पुर्तुगेज आनी इंग्लेज जाल्ली जाल्यार सकयल्या वर्गाची कोंकणी जाल्ली जाका किर्यादांची भास असोय अपप्रचार चलतालो. हिंदू आपल्या धर्मीक कार्याक मराठीचो वापर करताले देखून हिंदूची भास मराठी अशीय एक समजूत करून घेतिल्ली.

अश्या ह्या विचित्र वातावरणांत कोंकणी ही एकूच भास आशिल्ली जी गोंयच्या दोनीय धर्मांतल्या गोंयकारांक एकठांय दवरूंक शकताली. त्या पासत धर्मीक एकचाराक खंयच वेर वचूंक दिनासतना ह्या दोनूय घटकांक कोंकणीचें म्हत्व पटोवन दिवपाचें खूब व्हडलें काम रवीन्द्र केळेकार हांकां आपल्या भुजांचेर पेलपाचें आशिल्लें. ते पासत हे भाशेचो प्रचार आनी प्रसार करतना गोंयच्या धर्मीक एकचाराक कसलींच बाधा येवचिना हाची जतनाय घेवपूय खूब गरजेचें आशिल्लें.

हे नदरेन गोंयच्या ख्रिस्ती धर्माच्या लोकांक व्हडलेशें पटोवन दिवपाची गरज नाशिल्ली. ते जरी रासवळ सुवातेर इग्लेज वापरताले तरी आपली भास कोंकणी ह्या धोरणा कडेन ते सामके थीर आशिल्ले. पूण गोंयचो हिंदू लोक खास करून भोवजन समाज कोंकणीचो वापर सर्रास करताले तरी मराठी ही आपली आवयभास असो तांकां भ्रम जाल्लो वा तसो करून दिल्लो. हाका लागून भाशीक प्रचार आनी प्रसार करतना क्रिस्तांव लोकांक चड समजावपाची गरज नाशिल्ली मात हिंदू लोकांक हे भाशेचें म्हत्व पटोवन दिवंक तांचे भितरलें अज्ञान काडपाची खूब गरज

आशिल्ली. तांचे तकलेंत कोंकणी ही बोली म्हणपाचें जें घाल्लें तें काडून उडोवंक कोंकणी ही भास म्हणपाचें पटोवप गरजेचें आशिल्लें.

कोंकणीक लिपी ना, कोंकणीक व्याकरण ना, कोंकणींत साहित्य ना अशें जे कितें विरोधी प्रचारा खातीर कोंकणीचें विरोधक सांगताले तें फट म्हूण थारावंक हें सगळें कोंकणींत आसा म्हणपाचे पुरावे दिवप गरजेचें आशिल्लें. देखून *कोंकणीची व्याकरणी बांदावळ* ह्या सारकीं पुस्तकां तयार करपाची जापसालकी रवीन्द्र केळेकार आनी तांच्या सांगात्यांची आशिल्ली. ह्या कामा खातीर 1962त स्थापन जाल्ली कोंकणी भाशा मंडळ ही संस्था ह्या वावराक योगदान दिताली. व्याकरणाचीं आनी हेर अभ्यासक्रमाचीं पुस्तकां तयार करप आनी शाळांनी तांचो प्रचार आनी प्रसार करप असलें काम मोट्या कश्टान करचें पडटालें.

भाशेचीं पुस्तकां तयार केलींच म्हूण जायना, आपूण जावन तीं विकतीं घेवपाक कोण मुखार सरतलो हाची आस्त नाशिल्ली. देखून हीं पुस्तकां छापून घरांघरांनी व्हरून विकपाचें काम रवीन्द्र केळेकार आपल्या सांगात्या वांगडा करताले. तेच प्रमाण तांणी कोंकणींचे एक खडेगांठ वावुरपी आनी आपलो बापोल भाव सुमंत केळेकार हांकां सांगून ‘जाग’ ही प्रकाशन संस्था (1975) उबी केली. तांणी सुरवेक जाग हें वर्सुकी आनी मागीर म्हयनाळें म्हूण चलयलें. ते प्रकाशन संस्थेवरवी साबार विशया वयलीं पुस्तकांय उजवाडाक हाडून भाशेचो प्रचार आनी प्रसार त्या काळचे कठीन परिस्थितींतल्यान तडीक व्हेलो.

## 2.3.2 रवीन्द्र केळेकार हांची विरोधकांक जाप

कोंकणी ही भास न्हय तर ती बोली, तिका लिपी ना, व्याकरण ना, ती बामणांची आनी क्रिस्तांव किर्यादांची भास असो अपप्रचार मोट्या प्रमाणांत विरोधक करताले. तांकां जाप दिवप तितलेंच गरजेचें आशिल्लें. कोंकणींक विरोध करपी मराठी समर्थकां कडेन हो अपप्रचार करचे पासत नेमाळ्यांचें माध्यम आशिल्लें. त्या माध्यमांतल्यान तांचो अपप्रचार चलतालो आनी तेंच सत म्हणपाचें लोकांक दिसतालें. कोंकणी कडेन ताका जाप दिवपाक दुसरें कसलेंच माध्यम

नाशिल्ल्यान लोकां मदीं पसरायिल्लो भाशेविशीचो अपप्रचार पयस करप रवीन्द्र केळेकारांक आनी तांच्या सांगात्यांक कश्टाचें जातालें.

ताका लागून कोंकणी परिशदो जावं हेर कसल्योय रासवळ कार्यावळी आसताल्यो तेन्ना रवीन्द्र केळेकार आपल्या भाशणांतल्यान तांचे सगळे मुद्दे खोडून काडटाले. जेन्ना गोंयच्या विलिकरणाचो मुद्दो आयलो तेन्ना हो निर्णय दोन गजालींचेर घेवपाचो आशिल्लो. जांकां गोंय महाराष्ट्रांत विलीन जावंचें अशें दिसतालें तांचें म्हणणें आशिल्लें, गोंयची भास मराठी देखून तांची संस्कृताय मराठी देखून गोंय महाराष्ट्रांत विलीन जावंकूच जाय. जाल्यार विलीकरणांक विरोध करपी रवीन्द्र केळेकार आनी तांचे सांगाती हांचे मुद्दे आसताले, गोंयची भास कोंकणी, तीच भास गोंयच्या सगळया धर्माच्या लोकांची एकचाराची भास, गोंयची संस्कृताय कोंकणी जाल्ल्यान गोंयचें महराष्ट्रांत विलिनीकरण जावप गोंयच्या फुडाराचे नदरेन घातक थारतलें.

जर कोंकणींक व्याकरण नाशिल्लें जाल्यार ती भास उलयतना उतरां आरतीं परतीं जावपाचीं. पूण तशें घडना. कोंकणी ही बामणांची भास म्हणटात तें समा न्हय. गोंयच्या सगळया जातींतले आनी धर्मांतले लोक कोंकणीच उलयतात आनी तेच कोंकणींतल्यान सगल्यांचो वेव्हार बेसबरो चलत आयला. कोंकणी ही किर्यादांची भास आनी ती भास सगल्यांनी मानून घेतल्यार तांकां क्रिस्तांव अशें लेखतले. पूण ह्या अपप्रचारांत तसो कसलोच आदार नासतालो. क्रिस्तांव धर्म हो एक अपघात. तो बळजबरीन लादलो तरी तांची संस्कृताय आनी भास हाचेर कसलोच परिणाम जावंक ना. जर गोंय हें गोंय म्हूण उरतलें जाल्यार कोंकणी ही सगळया गोंयकारांच्या एकवटाची भास, आत्म्याची भास. अशे तरेन विरोधकांचे खुबशे मुद्दे रवीन्द्र केळेकार आनी तांचे सांगाती खोडून काडटाले.

### 2.3.3 कोंकणी भाशेचो विकास

खंयचेय भाशेचो  विकास जातलो जाल्यार ती भास फकत उलयली म्हूण जायना. बोली भास ती उलोवपी मनीस जिवीत उरता म्हणसर जिवी उरता. पूण ते भाशेक लिखीत रूप दिलें जाल्यार

मात ती भास फुडाराक तगता. त्या पासत ते भाशेंत सगळे प्रकारचें गिरेस्त साहित्य येवपाक जाय हें भाशीक मळावयलें म्हत्वाचें सत्य.

गोंयचें कोंकणी साहित्य पुर्तुगेजांनी नानपयत करून उडयलें. आदीं तें आशिल्लें हाचो पुरावो 16व्या शतमानांत कृष्णदास श्यामा सारख्या कवींनी बरयिल्ल्या महाभारत आनी रामायण ह्या ग्रंथा वयल्यान तशेंच संत एकनाथाच्या गवळणी वयल्यान पुरावे मेळटात.[25]

अशें आसलें तरी खंयच्याय वाठाराच्या पुनरूत्थानाचो वावर जो कोण हातांत घेता तांकां इतिहासांतल्या गिरेस्त दायजाचेर निंबून रावप पुटवना. ते पासत जी  गिरेस्तकाय मातये भरवण जाल्या ती सोदून काडून, तिच्या आदारान तातूंत नवी भर घालपाची गरज उप्रासता. शणै गोंयबाबान ही गजाल पयलीं पारखिली आनी भाशेचो विकास करपाचे नदरेन आपले परीन योगदान दिलें. वा म्हणुंया आधुनीक भाशेच्या विकासाची बुन्याद घाली. उपरांत रवीन्द्र केळेकार आनी हेरांनी ते बुन्यादीचेर भाशेच्या विकासाची गडगंज इमारत उबी केली. ह्या वावरांत गरजेच्यो आशिल्ल्यो गजाली म्हणल्यार हेर भासांनी आसता तसलें गडगंज साहित्य निर्माण करप. त्या साहित्याच्या म्हालवजार केंद्रीय साहित्य अकादेमीची मान्यताय मेळोवप.

ते गोंयांत येवन गोंय मुक्ती संग्रामांत वांटेकार जाले. तांकां धरून पुर्तुगेजांनी क्वार्तेलार बंदखणींत उडयिल्लो. त्या स म्हयन्याच्या काळांत तांचे मुखार एकूच विचार आशिल्लो, गोंय मुक्त जाल्या उपरांत गोंयकार भुरग्यांक कोंकणी भाशेंतल्यान शिक्षण दिवचें पडटलें. ते पासत कोंकणी शिकोवपाची साधना जाय पडटलीं म्हूण कोंकणी भास कशीं शिकोवपाची रीत हाचेर सोंपेपणी भाश्य करपी पुस्तक तयार केलें. गोंय मुक्ती उपरांत जेन्ना कोंकणी शाळा चलोवपाचो वावर कोंकणी भाशा मंडळा सारक्या संस्थांच्या मार्फत कोंकणी  भक्तांनी  सुरू केलो तेन्ना रवीन्द्र केळेकार हांचें हें पुस्तक तांकां मार्गदर्शक थारलें. कोंकणी भाशेच्या विकासा पासतचें रवीन्द्र केळेकार हांचें हें पयलें पावल अशें म्हणूं येता.

*मीर्ग* ह्या एका अंकांत ते बरयतात, कोंकणी चळवळ ही निखटी भाशेची चळवळ न्हय तर ती कोंकणी आत्म्याक पुरूशार्थी करपाची एक भोवच प्रभावी चळवळ. तांचे हेच पिरायेचेर तांकां जाल्लो हो साक्षात्कार कोंकणी भाशेच्या विकासा खातीर तांकां एक सारको धोंगशीत रावलो. तेच पासत तांणी भाशेचोच विचार गोंय मुक्ती चळवळींत उखलून धरलो. हीच मोख दवरून तांणी फुडाराक कोंकणी भाशेचो विकास करपाक आपणें खासा शेंकड्यांनी लेख बरयले. हेरांकूय प्रवृत्त केले. भाशेची गिरेस्तकाय जें साहित्य, तेंय तांणी वेगवेगळ्या प्रकारांनी रचलें. हेरांकूय तें रचपाक स्फुर्त दिली आनी भाशेंचे हे अलंकार कोंकणीच्या गळ्यांत घाले. जाका लागून कोंकणी भाशेचो सातत्यान विकास जायत रावलो.

कोंकणी ही एक स्वतंत्र भास म्हूण साहित्य अकादेमीन तिका मान्यताय दिली. तिचो योग्य दिकेन विकास जाल्ल्यान केन्द्र सरकाराक हे भाशेचो आस्पाव संविधानाचे आठवे वळेरींत केल्या बगर पर्याय उरलो ना. कोंकणी भास ही विकसीत भास जाल्ल्यान तिचो वापर वेव्हारांत, राज्य कारभारांत आनी हेर सगळ्या तरांच्या वावरांत अधिकृतपणान  वापरू येता म्हणपाचें गोंय सरकारान मानून घेतलें. तिका राजभाशेचो दर्जो दिलो. कोंकणी भास विकासाक पाविल्ल्यान तिका साहित्य अकादेमी, सरस्वती सन्मान आनी ज्ञानपीठ सारके राष्ट्रीय पुरस्कार लाबले. हें सगळें घडपाचें कारण म्हणल्यार भाशेच्या विकासाचे सगळे मापदंड कोंकणीन पुराय केल्यात अशें म्हणूं येता. ह्या वावरांत मुखेल वांटो निश्चितच रवीन्द्र केळेकार हांचो आसा.

### 2.3.4 कोंकणी भाशेक फावो जाल्ल्यो मान्यतायो

ह्या सगळ्या भाशीक चळवळींतल्यान हेर भासांच्या इतिहासाचेर नदर मारली जाल्यार खूब उण्यां काळांत कोंकणी भाशेक तिच्या हक्काच्यो सगळ्यो मान्यतायो एकएक करून फावो जाल्यो म्हणपाचें लक्षांत येता.

जे भाशेक भास न्हय तर बोली म्हूण विरोधक हिणसायताले ते भाशेक, भाशे खातीरचीं जितलीं लक्षणां गरजेचीं आसात तीं दाखोवन दिवन कोंकणी ही एक  हेर भासांवरींच स्वतंत्र भास

म्हणपाचें मानून घेवन 1975 वर्सा साहित्य अकादेमीन कोंकणीक भारतांतली एक स्वतंत्र साहित्यीक भास म्हण मान्यताय दिली.

गोंय घटक राज्य जर जातलें जाल्यार ते भाशेक राज्यभाशेचो दर्जो वा मान्यताय आसप गरजेचें आशिल्लें. कित्याक देशांतल्या सगळया राज्यांची रचना भाशीक आदाराचेर जाल्ली. कोंकणी हें स्वतंत्र राज्य जावंक जाय जाल्यार तें फकत कोंकणीच्या आदाराचेर जावं येतालें. देखून रवीन्द्र केळेकार हांच्या मार्गदर्शना खाला गोंयांत 555 दीस एक खर आंदोलन उबें जालें आनी कोंकणी भाशेक राजभास म्हूण 20 एप्रील 1987 मान्यताय मेळ्ळी. ही सगळी रणनिती आंखतना तांणी एक प्रगल्भ राजकारणी म्हण आपली भुमिका केली. गोंयांत नावास्ते फुडारी आसतनाय तांणी खंयच्याच राजकी पक्षा कडेन संबंध नाशिल्ल्या भोवजन समाजांतल्या एका तरणाट्याक हे संघटनेचें निमंत्रक पद दिलें उद्देश्य इतलोच, ही चळवळ लेखकाच्या हातांत उरची आनी कोणें तिका राजकी रंग दिवंचो न्हय.

भारतीय संविधानाची आठवी वळेरी ही देशांतल्या म्हत्वाच्या अधिकृत भासांक अनुसुचीत करता. भारत देश हो वेगवेगळया भाशीक राज्यांचो संघ आशिल्ल्यान भारतीय जावनूय एकमेकाची भास कळना जाल्ल्यान हे लोक एकमेकाच्या संपर्कांत येवंक पावनात. हे आठवे वळेरींत सगळ्या भारतीयांक आपली भास वापरून तेच भाशेंतल्यान संपर्क वा वेव्हार करपाची मान्यताय दिल्या. तिका राष्ट्रमान्यताय अशेंय म्हणटात. कोंकणींक राष्ट्रमानयताय 20 ऑगस्ट 1992 ह्या वर्सा प्राप्त जाली.

खंयचीय भास एक स्वतंत्र भास म्हण जरी सगल्यो मान्यताय घेता आसल्यो तरी लोकमान्यताय नासत जाल्यार हेर मान्यतायांक भाशेच्या मळार अर्थ नासता. 2012 चे विधान सभेंत सगळें कामकाज कोंकणींतल्यान चलयतले म्हणपाचें सभापती राजेंद्र आर्लेकार हांणी जाहीर करून तो वावर चालीक लायलो तेन्ना ती खऱ्या अर्थान लोक मान्यताय अशें म्हणूं येता. जे आमदार जे भाशेंतल्यान मतदारांकडेन मतांची मागणी करतात तेच भाशेंतल्यान हे आमदार विधानसभेंत लोकांचे प्रस्न कशे मांडटात हें लोकांक कळप गरजेचें आसता.

आज समाज माध्यमां प्रचंड प्रमाणांत जनसंपर्काचें काम करतात. पयलीं ह्या माध्यमाचें भाशीक माध्यम हें फकत इंग्लीश अशें मानताले. पूण आतां दरएकलो कोंकणीचो वापर सगळ्या समाज माध्यमाचेर अधिकृतपणान करता.

## 2.4 लेखनाक आरंभ

रवीन्द्र केळेकार जेन्ना तरणेपणार आपल्या मिशनाचो सोद घेताले तेन्ना आपूण एक लेखक जातलों हाची तांणी सपनांत लेगीत कल्पना करूंक नाशिल्ली. *सर्जकाची आंतरकथा* ह्या आपल्या पुस्तकांत ते तर स्पश्ट सांगतात, “साहित्यीक जावपाचें आपले मनांतूय नाशिल्लें. साहित्यिकांविशीं आपलें बरें मत्तूय नाशिल्लें.”[25] पूण पत्रकार जावप तांकां मान्य आशिल्लें. पत्रकारूच लोकांचे प्रस्न योग्य तरेन मांडूंक शकता म्हणपाची तांकां जाण आशिल्ली. तेच पासत जेन्ना ते मुंबय गेले तेन्ना गोंयच्या *उ हेराल्द* दिसाळ्याचें प्रतिनिधी म्हूण गेले. जेन्ना वर्ध्याक तांकां काकासायबांचो लेखनीक म्हूण रावले. तेन्ना ते काकासायब जें कितें सांगतात तें उतरान उतर बरोवन घेताले आनी तांचे वांगडा दीसभर कितें घडटा ताचो रिपोर्ट वा डायरी दर दिसा बरोवन काडटाले. हातूंतल्यान  तांचें बरोवपाचें मुळावण पडलें.

त्याच काळांत तांकां *मीर्ग* (1953) ह्या पंद्रशीचो संपादक म्हणून काम केलें. तांकां तेन्ना पत्रकारितेची तांक उमजल्ली.  देखून ते आपल्याक रायटर म्हणचे परस फायटर म्हणपाचें पसंत करताले. अशें जरी आसलें तरी लेखन हो तांचो सभावधर्म आशिल्लो आनी खऱ्या अर्थान तांच्या लेखनाक आरंभ जालो तो ते *मीर्ग* पंद्रशीचे संपादक जाले तेन्नाच. ही घडणूक 1953 तली. त्या उपरांत तांचे *सत्याग्रह* (1955) हें पयलें पुस्तक उजवाडाक आयलें. त्या उपरांत तीं येत रावलीं. जेन्ना गोंय मुक्त जालें त्या काळांत म्हणल्यार 1962 सावन तांणी गोंयच्या कोंकणी तशेंच मराठी नेमाळ्यांतल्यान बरोवपाक आरंभ केलो.

## 2.5 कोंकणी साहित्याच्या मळार केल्लें कार्य

रवीन्द्र केळेकारान साहित्य निर्मणेचो वावर सुरू केलो तो *मीर्ग* सुरू जालें तेन्ना. मीर्गाचो पयलो अंक 15 ऑगस्ट 1953 वर्सा आयलो. तातूंत तांणी आपूण कित्याक बरयतां हाचे वयल्यान प्रारंभ केलो. मागीर गोंयचे सुटके उपरांत म्हणल्यार 1962 पासून गोंयांतल्या कोंकणी आनी मराठी नेमाळ्यांतल्यान सातत्यान ते बरोवंक लागले. ह्या पत्रकारीते भायर तांणी साहित्याच्या मळार ग्रंथ निर्मिती करून खूब व्हड भर घाल्या. तांचीं सुमार 32 स्वतंत्र कोंकणी पुस्तकां, 3 हिंदी आनी 4 मराठी पुस्तकां ,4 कोंकणी रूपांतरणां, 7 अणकारीत पुस्तकां, 4 संपादीत, 4 वांटे भोंवडेवर्णनां, 13 काकासायब कालेलकर संकलन, रवीन्द्र केळेकार हांच्या पुस्तकांचे अणकार – 9 अशीं लागीं लागीं 80 प्रकाशीत पुस्तकां आयज आमकां उपलब्ध आसात. ( परिशिश्ट पळोवंचें) त्या भायर तांणी केल्ल्या *स्वगत* सारक्या वर्तमान पत्रीय लेखांच्या संकलनाचे खंड उजवाडाच्या वाटेर आसात. त्या भायर तांचेर वेगवेगळ्या लेखकांनी बरयिल्लीं 4 पुस्तकांय अभ्यासापासत उपलब्ध आसात.[27] ह्या सगळ्या साहित्य संपदेंत इतिहास, धर्म, खगोलशास्त्र, समाजशास्त्र, भासशास्त्र, ललित, निबंद, प्रवासवर्णन, दिसपटयो, चरित्र, नवलिका, बालसाहित्य आदी साहित्य प्रकारांचो आस्पाव जाता.

# टिपो आनी संदर्भ वळेरी


1. केळेकार, रवीन्द्र.*पांथस्थ*. डॉ. व्होल्फागुं द सिल्व्ह मार्ग, पणजी,गोंय. 400013 :राजहंस ऑफसॅट, 2000. पा.क्र..- 1.
2. वयलोच संदर्भ : पा.क्र- 1.
3. बोरकार,दिलीप. *भारतीय भासांचें साहित्य घडोवपी रवीन्द्र केळेकार*. नवी,दिल्ली: साहित्य अकादेमी, 2021. पा.क्र. – 14,15.
4. पुर्तुगीज काळार पब्लीक नोटरीक ताबेल्यांव म्हणटाले. लिंगु दळवी हिंदू आसुनूय ताबेल्यांव जाल्ले कारणान तांची हिंदू समाजाचेर आनी पुर्तुगीज अधिकाऱ्यां भितर वट आशिल्ली.
5. आदलोच संदर्भ: *पांथस्थ*. पा.क्र.- 3.

6. आदलोच संदर्भ: *भारतीय भासांचें साहित्य घडोवपी रवीन्द्र केळेकार*. पा.क्र – 15.

7. आदलोच संदर्भ: *पांथस्थ*. पा.क्र.- 5.

8. आदलोच संदर्भ: *पांथस्थ*. पा.क्र.- 13.

9. आदलोच संदर्भ: *पांथस्थ*. पा.क्र.- 5.

10. आदलोच संदर्भ: *पांथस्थ*. पा.क्र.- 8,9.

11. आदलोच संदर्भ: *पांथस्थ*. पा.क्र.- 13,14.

12. आदलोच संदर्भ : *भारतीय भासांचें साहित्य घडोवपी रवीन्द्र केळेकार*. पा.क्र. – 18

13. आदलोच संदर्भ: *पांथस्थ*. पा.क्र.- 24.

14. केळेकार, रवीन्द्र.*सर्जकाची आंतरकथा*. प्रियोळ, म्हाड्डोळ- गोंय.403404 : जाग प्रकाशन, 2000. पा.क्र.- 6.

15. वयलोच संदर्भ : *सर्जकाची आंतरकथा*. पा.क्र.- 27.

16. आदलोच संदर्भ: *सर्जकाची आंतरकथा*. पा.क्र.- 40,41.

17. आदलोच संदर्भ: *सर्जकाची आंतरकथा*. पा.क्र.- 76.

18. आदलोच संदर्भ : *भारतीय भासांचें साहित्य घडोवपी रवीन्द्र केळेकार*. पा.क्र.– 48

19. आदलोच संदर्भ: *पांथस्थ*. पा.क्र.- 18.

20. आदलोच संदर्भ : *भारतीय भासांचें साहित्य घडोवपी रवीन्द्र केळेकार*. पा.क्र. – 54

21. नायक,जयंती (संपादक).*अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या अध्यक्षांचीं भाशणां*. सांतइनेज,पणजी -गोंय: अखिल भारतीय कोंकणी परिशद, 2016. पा.क्र. – 9.

22. वयलोच संदर्भ: *अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या अध्यक्षांचीं भाशणां*. सांतइनेज,पणजी -गोंय: अखिल भारतीय कोंकणी परिशद, 2016. पा.क्र. – 123.

23. चोपडेकार, डॉ. हनुमंत. *कोंकणीची राजभास चळवळ: एक समाजभासविज्ञानी मुल्यांकन*. ताळगांव,गोंय: गोंय विद्यापीठ,2014-2015.पा,क्र.- 188.

24. आदलोच संदर्भ: *पांथस्थ*. पा.क्र.- 18.

25. मावजो, दामोदर.*फिनिक्साचें उत्थान आनी सर्जकाचे उत्फर्के*. घोगळ, मडगांव,गोंय.403713 :पब्लिशिंग नॅक्स्ट, 2019. पा.क्र.- 23,24

26. आदलोच संदर्भ: *सर्जकाची आंतरकथा.* पा.क्र.- 6.

27. आदलोच संदर्भ : *भारतीय भासांचें साहित्य घडोवपी रवीन्द्र केळेकार*. पा.क्र. – 102,109.

# तिसरें प्रकरण

# पुनरूत्थाना पासत गोंय मुक्तीची गरज

## तिसरें प्रकरण – पुनरूत्थाना पासत गोंय मुक्ती गरज

गोंय राज्याच्या सामाजीक, सांस्कृतीक आनी भाशीक परिस्थितिचें निरिक्षण करतना गोंय हें एकसंघ दिसना. तातूंत विस्कळीतपणा नदरेक पडटा. देशांतल्या हेर राज्यांत हें दिसना. देशांतलें खंयचेंय राज्य घेयात, तातूंत धर्म, जात वेगळे आसले तरी भास एक आनी एक संस्कृताय जी भारतीय संस्कृताय म्हणूं येता ती नदरेक पडटा. पूण गोंयचे संबंदांत ही संस्कृताय जाणवना. ताचें कारण म्हणल्यार गोंयचेर पुर्तुगेजांनी साडेचारशीं वर्सां सत्ता राबयली. ह्या काळांत हे राजसत्तेन गोंयचें समाजजीवन आरत्याचें परतें करून उडयलें. धार्मीक, सांस्कृतीक आनी भाशीक नदरेन एकसंघ आशिल्लें गोंय पुरायेन विस्कळीत करून उडयलें.

परकी सत्तेच्या भंयाक लागून आपलेच भुंयेंत गोंयकार आवाज काडूंक पावलो ना. जो कितें गोंयचो विध्वंस जाला तो परतून आसा तसो जाग्यार घालतले, म्हणल्यारूच पुनरूत्थान करतले जाल्यार हे भुंयेंचेर आपली सत्ता आसप गरजेची. जाका लागून भंया विरयत आपलो समाज, आपली भास, आपली संस्कृताय हाची विस्कटलेली घडी परतून जाग्यार घालपाक मेळटली. पूण गोंय परकी सत्तेखाला आशिल्ल्यान गोंयकारांच्या काळजांतले पुनरूत्थानाचे उत्फर्के दबून उरताले.

## 3.1 गोंय मुक्तीची गरज आनी जाल्ले प्रयत्न

फाटल्या कितल्याच हजार वर्सां सावन वेगवेगळया राजवटींनी गोंयचेर शेक चलयलो. हालींच्या काळांत चार शतमानां शेक चल्लो तो पुर्तुगेजांचो. खंयचीच मनीसजात गुलामपणांत आपली सर्वांगी उदरगत करूंक पावना. गोंयकारांच्या वांट्याक हें बंदेपण आयिल्ल्यान मनीस आसुनूय मनीसपणाची जीण जियेवंक मेळ्ळी ना. पुर्तुगेजाचे सत्ते खालचीं चार शतमानां सामकी पिडापिडीचीं आशिल्लीं. आदले राजवटींत जितले अत्याचार गोंयचे जनतेन सोंसले नात ताच्या परस कितलेच पटीन चड पुर्तुगेज सत्तेखाला गोंयकारांनी सोंसले.

1510 त पुर्तुगेजान गोंय जिखलें आनी गोंयचेर सत्ता राबोवपा वांगडाच धर्मीक सत्ताय राबोवपाक आरंभ केलो. पुर्तुगेजांच्या ह्या धर्मीक आक्रमणांक लागून गोंयचेर बाटाबाटीचो सांवार आयलो. साम, दाम, दंड आनी भेद हांचो वापर करून धर्मांतर करपाचें सत्र पुर्तुगेज सत्तेन चालू दवरलें. हाका लागून एकसंघ गोंयकारांचे जिणेंत धर्मीक फूट पडली. फकत धर्म बदल्लो म्हूण जायना जाल्यार पुरायपणान धर्माचें आचरण करपाक जाय म्हूण ‘धर्म समिक्षण सभे’ ची स्थापना 1560 त केली.[1]

गोंयांत पुर्तुगेज सत्तेचीं मुळां रुजलीं आनी हे सत्तेन गोंयच्या लोकांक आत्मसात (Assimilation) करपाचें धोरण आपणायलें. हाका लागून गोंयच्या लोकांच्या धर्मीक आनी सांस्कृतीक जिविताचेर बंधनां आयलीं. 1546 त देवळां आनी मशिदी मातये भरवण करपाक आरंभ केलो. क्रिस्तांव लोक सोडून हेर धर्माच्या लोकांचेर निर्बंध घाले. हिंदू धर्मीक साहित्य एकठांय करून लासून उडयलें. गोंयकारांचें ख्रिस्तीकरण करपाक सगळे तरेचे उपाय पुर्तुगेज सत्तेन घेतले.[2] अशे तरेन एका काळार हेर राजवटी खाला आसुनूय ज्या कोंकणी समाजान आपली भास, आपली संस्कृताय आनी आपलो धर्म हाका व्हडलीशी पिडापीड जाल्ली पळोवंक नाशिल्ली त्या समाजांत पुर्तुगेजाच्या अत्याचाराक लागून दोळयां सामकार कोंकणी समाज पुरायेन मातये भरवण जातना पळयलो. हे परिस्थितींतल्यान जर मुक्ती मेळयतले जाल्यार पुर्तुगेजांक सत्ते भायरे करपाची गरज आशिल्ली.

पुर्तुगेजांच्या ह्या धर्मांतरणांक आनी अत्याचारांक पयलो विरोध जालो 1559 वर्सा. धर्मांध पुर्तुगेजांनी हिंदू आनी मुसलमान प्रजेक पिडापीड इतली भोगयली, तांकां मरण परवडलें अशें दिसूंक लागलें. पूण विरोध करतलो म्हणल्यार कोणाचोच आदार नासलो. पुर्तुगेजां आड झुजतलो म्हणल्यार शस्त्रां नाशिल्लीं आनी एकवटय नाशिल्लो. तरी लेगीत गोंयच्या हिंदुंनी आपल्या बायलांक पुर्तुगेज राज्यां भायर शेजारच्या राज्यांत धाडलीं. आपलो वेपार बंद दवरलो , दुकांनां बंद दवरलीं. शेतकारांक सांगून शेताचे बांद मोडले जाका लागून खारें उदक शेतांनी येतलें

आनी पिकांचें लुकसाण जावन सरकाराचें उत्पन्न नश्ट जातलें.[3] अशें हें इतलेंच करून आपलो निशेद दाखोवप शक्य आशिल्लें.

पूण पुर्तुगेजान हो विरोध मोडून काडून आपलें धर्मांतर आनी अत्याचार चालूच दवरले. त्या उपरांत जें बंड जालें जाका कुंकळेचें बंड म्हणटात तें 1577 त जालें. आपल्याचेर जावपी धर्मीक पिडापीड जावंची न्हय म्हूण साश्टिच्या लोकांनी हो उठाव केल्लो. तांणी सरकारी खंड भरपाक विलंब केलो. एक अधिकारी इश्तेवांव रूद्रिगीश खंड हाडपा खातीर कुंकळे गेल्लो ताका आनी ताच्या सहकाऱ्याक कुंकळेच्या लोकांनी एकवट करून जितेच मारून उडयले. मागीर पुर्तुगेजांच्या ठाण्याचेर हल्लो करून खूब लोकांक मारून उडयले. तेन्ना गव्हर्नरान तो पुराय गांव लासून उडोवंक सांगलो. तेन्ना पुर्तुगेजांनी उठाव करप्यांक मारून उडयले आनी थंयचीं देवळांय मोडून उडयलीं. अशे तरेन  सैन्याच्या बळाचेर हो उठाव वा बंड मोडून उडयलें.[4]

त्या उपरांतचो उठाव परतून कुंकळ्ळे भुंयेचेरूच जालो. 1583 वर्सा गांवच्या लोकांनी पांच धर्म प्रसारकांक मारून उडयले. तांचे वांगडा तांकां मजत करपी वांगडच्या आनीक पांच लोकांक जिवेशी मारले. तांचीं मडीं व्हरपा पासत गांवांत कोणांकूच येवंक दिलें ना. हो उठाव करपी फुडाऱ्यांक मागीर पुर्तुगेज सत्तेन विस्वासघात करून असोळण्या धरले आनी चवदा वीर गोंयकारांक पुर्तुगेज सैनिकांनी मारून उडयले. हे घडणुके उपरांत पुर्तुगेजान आनीकूय खर कायदे करून जे कोण पुर्तुगेजां आड आवाज काडटात तांचेर खर कारवाय आरंभ केली.[5]

उपरांतच्या काळांत 1654 त पुर्तुगेज सत्ता गोंयच्यान धांवडावन घालून विजापुरच्या अदिलशाहाच्या पालवान गोंय स्वतंत्र करप आनी अदिलशाहान ताचेर राज्य करप. असो प्रयत्न जालो. ह्या कटाचो सुत्रधार दों ब्राज दु काश्त्रू हो थळावो पाद्री. ताका हिंदुंनी तेंको दिल्लो. त्या उपरांत मराठ्यांनी पुर्तुगेजां कडेन संघर्श करून 1661त शिवाजी महाराजान दिवचल आनी साखळी तशेंच पेडणे मणेरी आनी सत्तरी आपले सुवादीन केलें.[6]

मागीर 1668 च्या ऑक्टोबरांत शिवाजी महाराजान गोंय जिखपाचो डाव रचलो. पूण हो कट पुर्तुगेजाक कळ्ळो आनी शिवाजीक परत वच्चो पडलो. शिवाजी महाराजाच्या मरणा उपरांत परत गोंय जिखपाचो यत्न जालो. फर्मागुडी म्हण आज जाका वळखतात तो फोंडेचो गड संभाजीन जिखून घेतलो. गोंय स्वतंत्र करपा पासत संभाजीन केल्लो हो आतां मेरेनच्या प्रयत्नां मदलो सगळ्यांत व्हडलो प्रयत्न आशिल्लो.[7]

त्या उपरांत 1749 च्या दरम्यान बाजीराव पेशव्यान प्रयत्न केलो आनी 26 जानेवारीक साश्टीक येवन मडगांव शार जिखलें पूण फितुरेक लागून पेशव्यांक हो यत्न सोडून दिवचो पडलो. पुर्तुगेजाचे तावडींतल्यान फोंडें मुक्त करपाचो कट थळाव्या लोकांनी केल्लो. तांचो फुडारी बोरयेचो गोविंद शेणवी बोरकार आशिल्लो. पूण थंयूय फितुरी जाल्ल्यान गोविंद शेणवी बोरकाराक जिवेशी मारलो 1771 ली ही गजाल.[8]

गोंय मुक्तीचे जितलेय यत्न जाताले ते पुर्तुगेज बळ वापरून सोंपयतालो आनी आपल्या राज्याचो विस्तार आनी धर्मांतर नेटान मुखार व्हरतालो. पुर्तुगेजांच्या अत्याचारांक लागून ताचे आड आवाज काडपाचें कोणांक धाडस जाय नाशिल्लें. अशें आसलें तरी खंय तरी कीट पडटाली. 1787 त गोंयच्या कांय पाद्रींनी बंड करपाचो कट केलो. पिंटोचें बंड ह्या नांवांन हें बंड फामाद आसा. होय प्रयत्न फितुरेक लागून फंसलो आनी जे कोण ह्या बंडांत आशिल्ले, तांकां सगळ्यांक पुर्तुगेजान हाल हाल करून मारले. एकूण 47 बंडखोरांक धरून ख्यास्त दिली. ह्याच काळांत अदीं मदीं सत्तरींत पुर्तुगेजां आड राणे बंड करताले. तांकां राण्याचीं बंडां म्हणटात. तातूंतलें 1852 त जाल्लें दिपाजी राण्याचें बंड म्हूण इतिहासांत प्रसिद्ध आसा. त्या उपरांतचें 1870 वर्सा जाल्लें कुष्टोबाचें बंड . कुष्टोबा हो गोंयचो रॉबिनहूड आसलो. ताका गुळी घालून मारलो.[9]

उपरांतच्या पंचवीस वर्सांच्या काळांत घटनात्मक चळवळी जाल्यो. मागीर 1895 त पुर्तुगेजां आड दादा राणे हांणी मोट्या प्रमाणांत उठाव केलो. जे कोण ह्या उठावांत वांटो घेताले वा प्रयत्न करताले तांकां धरून धरून आफ्रिकेच्या मोझांबीक हांगा धाडूंक लागले. ताका लागून बंडाचो उजो थंड जायत गेलो.

अशें आसलें तरी गोंयचे जनतेंत पुर्तुगीजांच्या अत्याचारा आड असंतोश आशिल्लोच. ताका उठावाचें स्वरूप दिना आसतना लोकजागृतायेचो वावर समाजसुधारणेच्या नांवांन चलतालो. पुर्तुगेजान गोंयकारांच्या विचार स्वातंत्र्याचेर बंदी घाल्ली, संचार बंदी घाल्ली ताचे आड गोंय न्हिदेंतल्यान जागोवपा सारको उठाव केलो तो 20 व्या शतमानाच्या मध्यार. डॉ. राम मनोहर लोहिया गोंयांत आयले आनी 18 जून 1946 त जमांवबंदी आनी विचार अभिव्यक्त स्वातंत्र्य बंदी हांचे आड आवाज काडलो. थंड जाल्लें गोंयकारांचें रगत पेटलें. आतां जाका आमी लोहिया मैदान म्हूण वळखतात ते सुवातेर गोंयकारां मुखार जमांव बंदिचो हुकूम मोडून भाशण करपाक लोहिया मुखार सरले. पूण त्या आदींच तांकां अटक जाली. हे घडणुकेन गोंयांत एका नव्या पर्वाचो आरंभ जालो. गोंयकारांच्या काळजांत स्वाभिमानाची कीट पेटली. मागीर 19 जुनाच्यान गोंयभर सभा मिरवणुको, हरताळ पाळप, दुकानां बंद दवरप, जय हिंद च्यो घोशणां दिवप असले गजालींक ओतो आयलो. अशे तरेन गोंयांत गोंयच्या सुटके पासत क्रांतीक आरंभ जालो.[10]

लोहियांचे हे  करणेचो रवीन्द्र केळेकारांचेर प्रभाव पडलो आनी तांच्या प्रभावान गोंय सुटके झुजांत वांटो घेवंक तांणी आरंभ केलो.

## 3.2 रवीन्द्र केळेकार हांचो गोंय मुक्ती चळवळींत सहभाग

गोंय जाता तितले बेगीन मुक्त जावपाक जाय. गोंयकार धनीपणान गोंयचेर राज्य चलयना तो मेरेन ताच्या पुनरूत्थनाचो विचारच करप कल्पने भायलें अशें रवीन्द्र केळेकार हांकां दिसतालें. तांणी आपलें पुराय जिवीत आपूण कोंकणी पासत ओंपतलों म्हणपाचो निश्चेव केल्लो. जर तो सार्थी पावोवपाक जाय जाल्यार गोंयचेर पुर्तुगेजांची सत्ता आसा ती धांवडावन घालूंक जाय म्हणपाचें तांकां दिसतालें. हाका उपाय कितें हाचेर तांचो आपलेपरीन विचार चलतालो. फोंड्या आल्मैद कुलेजींत शिकतना तांकां लक्ष्मणराव सरदेसाय हांचे सारक्याचें मार्गदर्शन मेळिल्लेंच.

आल्मैद कुलेजींत शिकतना ते कुलेजीच्या वसतीगृहांत रावताले. ते सुटयेंत घरा येताले तेन्ना घरांतले जाणटेले देशाच्या स्वातंत्र्याविशीं भासाभास करताले. गांधी, नेहरू, चलेजाव चळवळ बी तांच्या कानार पडटाली. हांगां तांकां मेळपाक विश्वनाथ लवंदे, वामन सरदेसाय सारके गोंय मुक्ती पासत वावुरतले तरणाटे येताले. तांचे लागीं रवीन्द्र केळेकार गोंय मुक्तीविशीं भासाभास करताले. ह्याच काळांत तांचो संबंध नारायण भेंब्रे[11] हांचेकडेन आयलो. तांणी स्थापन केल्ल्या ‘विद्यार्थी संघां’ त ते हातांत लाठयो घेताले आनी माथ्याक गांधी तोपी घालताले. गोंय मुक्ती पासत तांणी उबारिल्लें हें पयलें पावल.[12]

तांचो इश्ट दत्ताराम सुखटणकार तांचे वांगडा आसतालो. अश्यो माथ्याक तोपयो घालून देखावो करून मुक्तीची चळवळ जायना अशें तांणी सांगलें तशें रवीन्द्र केळेकारांन ती संघटना सोडली आनी राष्ट्रवादी लोकां वांगडा वावरूक लागले. येवाग्रियु ज्यॉर्ज हो राष्ट्रवादी तरणाटो तांचे वांगडा शिकतालो. तांचे कडल्यान ज्युलियांव मिनेझीस, फ्रांसिश्कु लुईस गोमिस आनी मिनेझीस ब्रागांझ हांचे राष्ट्रवादी विचार समजून घेताले. तांचें साहित्य वाचताले. तांची एकूच मोख आशिल्ली, गोंय स्वतंत्र जावंक जाय. ते पासत आपणें कितें तरी करूंक जाय. पूण मार्ग सांपडनासलो. मुंबय वचून शिकतलों म्हूण मुंबय आयले. थंय गोवालिया टॅंकच्या मळार कॉंग्रेस फुडाऱ्यांच्या अधिवेशनांक वचूंक लागले. वल्लभभाई पटेल, एस. के. पाटील , कन्हैयालाल हांचे सारक्या फुडाऱ्यांक गोंयच्या सुटके विशींचे प्रस्न विचारूंक लागले. एकदां थंयच्या फुडाऱ्यांचेर ब्रिटीश सैनिकांनी लाठिचार्ज केलो, टियर गॅस फोडले ताचो प्रसाद रवीन्द्र केळेकारांकूय मेळ्ळो.[13]

मुंबयत रावन गोंयचे सुटकेचो प्रस्न सुटावो जावपाचो ना. गोंयांत वचून कितें जाता जाल्यार पळोवंया म्हण गोंयांत आयले. तेन्नाच गोंयांत राम मनोहर लोहिया आयिल्ले. सत्याग्रह करपाचो निर्णय घेवन तांणी गोंयचें वातावरण खंवदळून घाल्लें. ताच्या प्रभावान रवीन्द्र केळेकारांच्या आंगांत विरश्री संचारली. लोहियांक पुर्तुगेजांन गोंयच्यान धांवडायल्या उपरांत चळवळ चालू दवरपाचो, जमता तसो सत्याग्रह करपाचो निर्णय तांणी घेतलो. 30 जून 1946 ह्या दिसा बॅर्तो

मिनेझीस, त्रिस्तांव ब्रागांझ, हांचे वांगडा मडगांवां सत्याग्रह केलो. बॅर्ता मिनेझीस, त्रिस्तांव ब्रागांझ हांकां धरून व्हेले उपरांत म्हाड्डोळा सत्याग्रह करपाचो रवीन्द्र केळेकारान थारायलो. 18 जुलायाक तांणी तो केलोय. मागीर 17 ऑगस्टाक लोहिया लोंढ्यार येवपाचे आसात हें कळटकच फुडें कितें करप हें समजून घेवंक तांचेकडेन गेले. तांचे वांगडा बेळगांवां चार दीस बैठको घेतल्यो आनी गोंयांत सत्याग्रह कसो करप हाचेर चर्चा केली.[14]

मदीं तांणी फोंडे, माशेल, मडकय हांगच्या चार इश्कॉलांत उजो घालपाचो निर्णय घेतलो. मडकयचें इश्कॉल रवीन्द्र केळेकार हांणी आपले सांगाती पांडुरंग आनी सच्चीत हांचे वांगडा जळयलें.[15] उपरांतच्या काळांत तांणी *ज्वाला* (12 डिसेंबर 1946) हें पत्रक वांटपाक आरंभ केलो. सरकार हादरलें, झडटी सुरू जाली. अटक चुकोवंक ते गोंयची शीम हुपून बांदा गेले आनी विश्वनाथ लवंदे[16] कडेन आसरो घेतलो. थंय तांणी पत्रकारीतेंत वावर करून विश्वनाथ लवंदे आनी तांच्या आजाद गोमंतक दलाक देशभर खूब प्रसिद्धी दिली. जाका लागून खूब तरणाटे आजाद गोमंतक दलांत भितर सरले. जेन्ना बांद्याच्यान रवीन्द्र केळेकार मुंबय गेले आनी आतां खंयच्याय खिणांक गोंय मेकळें जाता अशें वातावरण गोंयांत तयार जावंक लागलें तेन्ना ते परत गोंयांत आयले. तांकां अटक करपाक अजुनूय पुर्तुगेज अधिकारी फिरताले. पूण योग येनाशिल्लो. शेवटाक 1961 च्या जून म्हयन्यांत तांकां अटक जाली आनी जून ते सप्टेंबर अशे चार म्हयने बंदखणीची ख्यास्त जाली.[17]

अशे तरेन सशस्त्र क्रांती काय वैचारीक पुनरूत्थान हे द्विदा वैचारीक अवस्थेंत रवीन्द्र केळेकार हांणी गोंय सुटके झुजांत आपलें योगदान दिलें. सशस्त्र क्रांती ह्या विचारा परस तांणी गांधीचो अहिंसा आनी सत्याग्रह हो वैचारीक मंत्र आपणायलो आनी ते नदरेन गोंय मुक्तीच्या यज्ञात आपल्यो समिधा घाल्यो.

## 3.3 गोंयच्या पुनरूत्थानाची येवजण

बाटाबाटी आनी हेर कारणांक लागून गोंय दोन कडेन वांटून गेलें. एक घटक देशी संस्कृताय शेणोवन बसलो आनी पुरायेन अस्तंती संस्कृतायेचे भकीक पडलो. तर दुसरो घटक देशी संस्कृतायेक दसून रावलो तरी आपले मुळचे कोंकणी संस्कृताये पासून पयस गेलो. हाका लागून अस्तंती संस्कृताय आनी देशी आसुनूय दायज विसरिल्लो कोंकणी लोक अशी सरळ सरळ फूट पडली. हे दोनूय घटक पयलीं सारको एकसंघ करतलो जाल्यार सगळ्या थरांतल्यान पुनरूत्थानाचो याग सुरू करपाची गरज आशिल्ली. कोंकणी समाज आनी गोंयकारपण एकसंघ उरतलो जाल्यार कोणें तरी वैचारीक आनी कृतिशील फुडारपण घेवपाची गरज आशिल्ली. रवीन्द्र केळेकार हांणी आपली वैचारीक बैठक सशक्त करून विस्कळीत कोंकणी समाजाचें पुनरूत्थान करपा पासत एक निश्चित दिका थारायिल्ली.

### 3.3.1 भाशीक वावर

गोंयांत हिन्दू देव-धर्मा पासत मराठीचो वापर करताले. देखून तांणी आपली भास मराठी असो समज करून घेतिल्लो. रवीन्द्र केळेकार हिन्दू म्हणटकच तांकांय मराठी येवप गरजेची अशें त्या काळा वयल्या कांय शिक्षकांक दिसतालें. तांचे सुचोवणे वयल्यान रवीन्द्र केळेकार मराठी-किशोर साहित्य वाचून  मराठी भास शिकले आनी आतां तूं महाराष्ट्रीय जाला म्हणपाची सर्टीफिकेटय शिक्षकां कडल्यान घेतली. पूण जेन्ना ते लिसेवाची तिसऱ्या वर्साची परिक्षा दिवन सुटयेंत एका गुजराती मनशा वांगडा दीवाक वतना तांकां पयलेच खेप आपूण महाराष्ट्रीय न्हय तर कोंकणी म्हणपाचो दिश्टावो जालो. दीवाक पावतकच रवीन्द्रबाब आपल्या बापाय कडेन आपले भाशेची खबर करता. तेन्ना तांकां वामनबाब वर्दे वालावलीकार हांची म्हायती मेळ्ळी. तांचीं *कोंकणी भाशेचें जैत* बी पुस्तकां वाचून कोंकणीवादी जाले.[18]

सुटी सोंपोवन फुडलें शिक्षण घेवंक रवीन्द्र केळेकार गोंयांत आयले तेन्ना तांची तांचेच पिरायेच्या शांताराम आमोणकारां कडेन वळख जाली. तांकांय कोंकणीचो दिश्टावो जाल्लो. तांचे वांगडा

तांणी भाशीक वावरांत योगदान दिवपाचो निच्छेव केलो. तांकां ते पिरायेर गोंयांत दोन गोंयां दिसलीं. एक आपल्याक पुर्तुगेज लेखपी क्रिस्तांव गोंय आनी दुसरें, आपणाक मराठी लेखपी हिंदू गोंय. तांकां ते मनांतल्या मनांत सांगतात  तुमी पुर्तुगेजूय न्हय आनी मराठीय न्हय. तुमी खरे कोंकणी. तुमकां तुमची खरेली वळख घडोवंक जाय. हे घडणुके सावन तांणी कोंकणीचें भाशीक मिशन तकलेंत दवरलें.[19]

तेवीस- चोवीस वर्सांचे पिरायेर रवीन्द्र केळेकार वर्ध्याक काकासायब कालेकरासरीं गेले आनी तांचे सांगाताक रावून देशाचो भाशीक प्रस्न तांणी समजून घेतलो. थंयच तांची भाशीक नदर स्पश्टपणान घडली. थंयच तांणी 1953 च्या 15 ऑगस्टाक *मीर्ग* हें पंद्रशी नेमाळे सुरू केलें आनी कोंकणी भाशेचें म्हत्व तातूंतल्यान स्पश्ट केलें. रवीन्द्र केळेकार अशे तरेन सुरवेक सावन कोंकणीच्या प्रस्नांकडेन   समाजकारणाचे, समाजहिताचे आनी समाज घडोवपाचे नदरेंतल्यान पळयतात. कोंकणीची केसूय ते शुद्ध भाशाशास्त्राचे व्याकरणीक नदरेंतल्यान न्हय तर समाजशास्त्राचे नदरेंतल्यान मांडटात. आपल्याक गोंय जाय, आपलो गोंयचेर मोग आसा पूण आपल्याक कोंकणी नाका म्हणप्यांक ते शिटकायतात. ‘हांव शरिराचेर प्रेम करतां, आत्मो म्हाका लागना अशें म्हणपा सारकी ही गजाल. कोंकणींक विरोध करपी देशद्रोहीच न्हय तो आत्मोद्रोहीय.’ अशें तांचें मत. ‘गोंयकारांची भास कोंकणी, गोंयच्या हिंदू आनी क्रिस्तांव समाजाक एकठांय हाडपाची तांक फकत कोंकणींतूच आसा. गोंयांत कोंकणींक फावता ती सुवात कोंकणींकूच मेळूंक जाय. आनी मराठीन तिका मदत करूंक जाय.’ अशें सांगत तांणी सगळ्या समाजाक एकठांय केले.[20]

हेच भाशीक विचार मतींत दवरून :-

1. गांधी साहित्य कोंकणींत हाडून तें सुटके झुजाऱ्यां मेरेन पावयलें.
2. गोंय सुटके काळांत तांकां जेन्ना बंदखणींत उडयले तेन्ना गोंय सुटके उपरांत शाळांनी कोंकणी शिकोवपा खातीर *नवी शाळा* हें पुस्तक  तांणी तयार केलें.

3. परिशदेचो वावर कोंकणी वाठारांत व्हरून कोंकणी समाजाक कोंकणी भासूच एकठांय दवरूंक शकता म्हणपाचें तांणी पटोवन दिलें.
4. कोंकणी ही हेर भारतीय भासां वरींच एक स्वतंत्र भारतीय भास हें साहित्य अकादेमींक पटोवन दिवन कोंकणी भाशेक स्वतंत्र साहित्यीक भास म्हूण मान्यताय घेतली.
5. गोंयच्या हिंदू आनी क्रिस्तावांक तुमची एकवटाची भास कोंकणी म्हूण बरपांतल्यान आनी उलोवपांतल्यान पटोवन दिवन एकठांय हाडले. तांच्या एकवटीत ताळ्यांतल्यान कोंकणी भाशेक राजभाशेचो दर्जो मेळ्ळो.
6. कोंकणी ही एक स्वतंत्र भास आनी ती राजभास अशें सांगून ते भाशेक राष्ट्रमान्यताय मेळोवपाक तांणी दिल्ली मेरेन आवाज पावयलो आनी तातूंत तांणी येस जोडलें.
7. कोंकणी भाशेक साहित्य अकादेमी आनी ज्ञानपीठ पुरस्कार मेळपा सारकें साहित्यीक आनी भाशीक वातावरण तयार करून तातूंतय तांणी येस जोडलें.

अशे तरेन रवीन्द्र केळेकार हांणी कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थाना पासत, समाजाच्या अस्मितायेची मुखेल कुरू जी 'भास' तिका सगळे तरेन केळोवन तिका फावता ते सगळे म्हत्वाचे पाट भेटयले. कोंकणी भास ही हेर भारतीय भासां परस खंयच्याच वांट्यान उणीं न्हय हें सिद्ध केलें. तिका हेर भयण भासांचे पंगतीक मानान बसयली.

## 3.3.2 साहित्यीक वावर

गोंय हो कोंकणी भास उलोवपी समाजाचो अधिकृत प्रदेश. गोंय म्हणटकच कोंकणी भास उलोवपी कोंकणी मनशाचो वाठार म्हणपाचें इतिहासांत नोंद जालां. भास ही निखटी उलोवन सासणाची तगना. ती तगतली जाल्यार लिखीत म्हणल्यार साहित्य रूपान उरपाची आयच्या आधुनीक काळाची गरज थारल्या. लिखीत साहित्य हो भाशेचो पुरावो अशें मानतात. पुर्तुगेज गोंयांत येवचे आदीं गोंयांत कोंकणी भास वापरांत आशिल्ली आनी ते भाशेंतल्यान साहित्यूय

रचताले म्हणपाचो पुरावो कृष्णदास शामा सारक्या त्या काळच्या साहित्यकारांनी रचिल्ल्या साहित्यावेल्यान आज आमकां कळटा.

कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थाना पासत भास म्हत्वाची थारता हाची जाण रवीन्द्र केळेकार हांकां आशिल्ली. कोंकणी भास जर गिरेस्त करतले जाल्यार ते भाशेंत मोट्या प्रमाणांत सगळे तरेचें साहित्य तयार जावप गरजेचें अशें तांकां दिसतालें. चड करून गद्य साहित्य निर्माण जावंक जाय अशें तांचें मत आशिल्लें.

जें साहित्य निर्माण जातलें तें सगळेंच अक्षर साहित्यांत आसतलें असो विचार कोणें करचो न्हय. सगळे तरेचें, मोडीचें साहित्य भरपूर रच्चें. तातूंतलें जें कितें पोल आसा तें उबून वतलें आनी धड आसा तें उरतलें असो तांचो बरोवप्यांक सल्लो आसतालो. फकत कविता हेंच साहित्य मानलें जाल्यार भास समृद्ध जायना. अशें ते मानताले. अवधी, ब्रज ह्यो एका काळा वयल्यो समृद्ध भासो जातूंत सूरदासा सारके व्हड कवी जाले पूण भास उरली ना अशें ते सांगताले. देखून कोंकणी समाज एक साहित्य, एक लिपी, एक संस्कृती, एक भास ह्या सुत्रांनी एकवटीत रावलो जाल्यारच ताचें पुनरूत्थान जावंक पावतलें म्हणपाचें संद मेळटा थंय तांणी सांगलें.[21]

साहित्य हो समाजाचो हारसो जाल्ल्यान साहित्यांत त्या त्या समाजाचें चित्रण जाता आनी तें जावपाची गरज आसा. साहित्यांतल्यान  मनीस सुसंस्कृत जाता, शिक्षीत जाता, विचार करपाची समाजांत तांक निर्माण जाता. देखून साहित्यीक पुनरूत्थान कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थाना पासत तितलेंच गरजेचें आसा हाची तांकां जाण आशिल्ली. तेच पासत तांणी निबंद हो साहित्य प्रकार आपलो मुखेल विशय अशें मानून  साहित्याची सेवा केली.  आपली अशी वेगळी लेखनशैली तयार केली. तेच पासत आज तांकां तांच्या वैचारीक निबंदाक लागून विचारवंत साहित्यकार अशें देश मानता.

साहित्याचें म्हत्व कळिल्ल्यानूच तांणी शणै गोंयबाबा उपरांत सगळे तरेचें साहित्य केळयलें. आपले उपरांतचे पिळगेक तरेतरेचें साहित्य रचपाक मार्गदर्शन केलें, उर्बा दिली. जेन्ना साहित्य

उजवाडाक हाडपाची आर्थीक तांक नाशिल्ली तेन्ना जाग प्रकाशना सारकी संस्था उबारून साहित्य प्रकाशनाचो वावर चालीक लायलो. तांचे कडल्यान स्फुर्त घेवन कोंकणींत आज कितलेच बरोवपी घडले. ह्याच साहित्याच्या म्हालवजार कोंकणींक स्वतंत्र भाशेचो दर्जो लाबलो, व्हडले व्हडले पुरस्कार मेळूंक पावले जे अक्षर साहित्याकूच दितात.

## 3.3.3 सामाजीक वावर

रवीन्द्र केळेकार हांणी एका आदर्श समाजाची संकल्पना बाळगिल्ली. तांणी आपलें पुराय जिवीत कोंकणी पासत दितलो असो जरी निश्चेव केल्लो तरी तांकां अपेक्षीत आशिल्लो एक 'कर्तृत्वी कोंकणी समाज'. पूण तांणी आपल्याक फकत कोंकणी पुरतोच मर्यादीत दवरिनासतना भारतीय समाज हे नदरेन विचार केलो. ज्या समाजांत आपूण रावतां तो समाज सगळ्या आंगांनी उदरगतीक पावूंक जाय असो तांचो हावेस आशिल्लो. त्याच पासत ह्या समाजाक  वैचारीक बसका दिवपाक तांणी सुरवेक पत्रकार म्हूण आपल्या विचारांचें योगदान दिलें आनी उपरांत सादी सोंपी भास वापरून साहित्याची निर्मणी केली. साहित्यांतल्यान लोकां मेरेन विचार पावोवपाक जाय, साहित्य हें मनरिजवणेचें साधन न्हय तर समाजाक दिका दाखोवपाचें एक म्हत्वाचें साधन म्हणपाचें भान दवरून तांणी समाजाक जागोवपाचो यत्न केलो.

ताचें उपफळ म्हूण तांचे उपरांतची कोंकणी समाजांतली पिळगी सशक्त साहित्यकार जाली. ते पिळगेन वेगवेगळ्या विशयांत दर्जेदार बरप केलें. साहित्यांतले सगळे प्रकार कुशळतायेन हाताळ्ळे आनी कोंकणी साहित्य राष्ट्रीय आनी आंतरराष्ट्रीय स्तराचेर व्हरून दवरलें. तांच्या साहित्यांत समाजाकूच मुखेल सुवात दिल्ल्यान आयज कोंकणी समाजाचें पुनरूत्थान चालू आसा. समाजा खातीर रवीन्द्र केळेकार हांणी दिल्ल्या योगदानाचें हें एक म्हत्वाचें फळ अशें म्हणूंक जाय.

बरो समाज निर्माण जावंक जाय जाल्यार म्हालगड्यांनी सांगलां तशें समाजाक चार आश्रमांनी वांटूंक जाय अशें आदर्श समाजा पासत तांचें मत आशिल्लें. 'ब्रह्मचार्याश्रम' हो समाजाचो

म्हत्वाचो आश्रम. ह्या आश्रमी काळांत शिक्षण, विद्या संपादन, योग्यताय, कसब, जोडपाची कुशळताय हाचें शिक्षण मेळटा. ताका लागून आदर्श समाजाची बुन्याद घडटा. उपरांतचो आश्रम 'गृहस्थाश्रम' हो समाज वेवस्थेंतलो मुखेल आश्रम जाल्ल्यान लग्न, भुरगीं, तांचे शिक्षण, संपत्त आनी किर्त हें सगळे ह्या आश्रमाच्या काळांत घडटा. देखून समाज ह्या आश्रमांत आपलें कर्तृत्व दाखोवंक पावता. त्या उपरांत 'वानप्रस्थाश्रम' आनी 'सन्यासाश्रम' येता. वानप्रस्थाश्रमांत समाज, ह्या आदीं जें अणभवान जोडलां तें समाजाक दिता आनी 'सन्यासाश्रमां'त अनासक्त आनी तृप्त भावनेन फुडले पिळगेक फुडार करूंक संद दिवपा पासत अलिप्त रावता. आज समाज फकत गृहस्थाश्रमांत पुराय जिवीत सारता. जाका लागून समाज उदरगतीक पावलो ना अशें तांचें मत आशिल्लें.[22] रवीन्द्र केळेकार आयचे समाजाकडेन पळयतात तेन्ना तो घुस्पला हाची तांकां खात्री पटल्या. ताका तातूंतल्यान मेकळो कसो करप हाचेर तांणी सातत्यान विचार केलो. आपल्या *घुस्पल्लें जानवें* (2000) ह्या पुस्तकांत तांणी वेगवेगळया विशयांचेर समाजप्रबोधनाचे जे लेख बरयल्यात तातूंत 'घुस्पल्लो समाज' ह्या विभागा अंतर्गत सात लेखांतल्यान तांकां अपेक्षीत आशिल्ल्या समाजाची उस्तवारी केल्या. देखीक – 'कुड्डो अभिमान' ह्या तांच्या लेखांत आमी धर्माचेर आदारून राष्ट्राभिमान थारायतात तो समाजाच्या एकवटाक वेर हाडपी थारता अशें मत उक्तायलां आनी राष्ट्राभिमानाची सुवात राष्ट्रभक्तीन घेवंक जाय ह्या मता कडेन पावल्यात. ताचे वयल्यान कोंकणी समाजाच्याच न्हय तर एकंदर मनीसजातीच्या पुनरूत्थाना पासत आपल्याक खंयचे दिकेन वचूंक जाय हाचेर तांची वैचारीक बसका थारिल्ली म्हणपाचें दिसता.

## 3.3.4 अर्थीक वावर

साहित्याचें आनी अर्थवेवस्थेचें पटना म्हणपाचें रवीन्द्र केळेकार हांच्या बरपांतल्यान वाचूंक मेळटा. पूण बरेच कडेन तांणी आपल्या लेखांत फकत गोंयच्याच न्हय जाल्यार देशाच्या आनी आंतरराष्ट्रीय मळाचेर, तांचे अर्थवेवस्थेचेर भाश्य केलां. तें पळोवन ते आर्थीक मळाचेरूय कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थाना पासत अभ्यास करताले म्हणपाचें दिसता. ते नदरेन प्रसंग आनी संद येता तशें आपलें मत मांडपाक फाटीं रावनासले. *जागा*च्या एका संपादकियांत राष्ट्राच्या

अर्थ शास्त्राचेर भाश्य करतना ते सांगतात, "अर्थशास्त्र हो तज्ञाचो विशय आसूं, तो फकत तज्ञाचोच विशय उरूंक जायना. तज्ञ जीं धोरणां आंखतात तीं खासा तांकां कितलीं बादतात, खबर ना. पूण तीं सामान्य लोकांक खुबूच बादतात. ताका लागून आमी अर्थशास्त्र समजून घेवंक जाय.......व्हडल्या यंत्रांनी बेकारी वाडटा आनी ताका लागून अमेरीकेची अर्थनिती इबाडल्या. हाका लागून भारतीयांनी स्वावलंबनाची अर्थनीत वेंगावंक जाय. ल्हान यंत्रांच्या आदारान घरा घरांनी म्हाल तयार जाता तोच घेतले म्हणपाचो नेम करूंक जाय."[23]

हाका ते  स्वदेशी अर्थनीत म्हणटाले. जपानांत थंयचे कामगार आमच्या भारतीयांवरीं सुटयो घेनात. ते उत्पादनाचेर भर दितात. तेच पासत त्या देशाची अर्थवेवस्था सशक्त आसा. आमच्या देशांतूय अर्थवेवस्था सुदारतली जाल्यार सप्तकांतलो फकत एक आयतार सोडून कोणांकूच कसली सुटी दिवंक फावना, संपार वचून निशेध करचो पूण तो निर्मितीक्षम आसचो[24] अशे विचार तांणी परखडपणान मांडल्यात.

आमची अर्थवेवस्था सुदारतले जाल्यार शेतकी संस्कृताय राबोवपाक जाय अशें तांकां दिसता. अडेचशे – तिनशीं वर्सां आदीं देशांत बेकारी नाशिल्ली. सगळयांचें जिवीत शेतकामाचेर निंबून उरतालें. उपरांत भोवराष्ट्रीय कंपन्यो आयल्यो आनी तांणी यंत्रांच्या आदाराचेर उत्पादन करून आमच्या समाजाक फकत उपभोक्ते केले. तांच्या दुडवांचेर ह्यो कंपनी गब्बर जाल्यो. देश मात बेकारी वाडोवन बसलो आनी अर्थवेवस्थेचीं तीन तेरा जालीं.[25]

गोंयची अर्थनीत इबाडपाचें कारण म्हणल्यार गोंयची दिकाहीन उदरगत अशें तांचें स्पश्ट मत जालां. ताका जापसालदार राजकारणी म्हणपाचें ते सांगतात. तांकां ते वाटमारे म्हणटात. ह्या लोकांनी कुचकुचीत झाडां मारलीं, खणीं खणल्यो आनी सैमाचो विध्वंस केलो. कसलेंच प्लॅनींग नासतना गोंयांत कारखाने हाडले. हाचो परिणाम गोंयचे अर्थवेवस्थेचेर जालो. ही वाटमाऱ्यांची अर्थनीत, प्लॅनींग नासतना. अर्थनितीची सोयरीक सैमाकडेन जुळोवन, सैमाचें संतुलन इबाडी नासतना अर्थवेवस्था वाडोवंक जाय हाचो तांणी आग्रो धरलो.[26]

ह्या सगळ्या तांच्या बरपांतल्यान तांकां कसले तरेची अर्थवेवस्था कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थाना पासत जाय आशिल्ली हें समजता. ताचे वयल्यान तांचे आर्थीक नदरेची वळख घडटा ती अशी –

1. अर्थवेवस्था देशी आसूंक जाय. भोवराष्ट्रीय कंपन्यांनी देशांतलो दुडू विदेशांत व्हेलो. स्वदेशीक प्रोत्साहन नाशिल्ल्यान हें घडलें.
2. देशी अर्थनीत धनिकांची. सरकार धनिकांक संपत्ती कर लायना ताका लागून ज्या कराचो वापर गरिबां पासत जावं येतालो तो जायना.
3. आयचें अर्थतंत्र विदेशी चलन कशें हाडचें हाचेर उबें आसा. ताका लागून देशी उत्पादन देशा भायर वता.
4. देशाची अर्थनीत जर जाग्यार घालतलो जाल्यार गांधीजींच्या अर्थनिती कडेन देशाची अर्थवेवस्था जोडूंक जाय.

अशे तरेन गोंयच्या पुनरूत्थाना पासत देशी अर्थवेवस्था राबोवपाचो तांचो हावेस आशिल्लो, जी अर्थवेवस्था कोणांक बेकार दवरिना, देशी उत्पादन थळाव्यांक वेवसाय दिता, शेतकी संस्कृताय वाडीक लागता, पर्यावरणाचो विध्वंस जायना, आनी सैमीक स्रोत जे आसात ते सांबाळून वापरिल्ल्या कारणान येवपी पिळगेकूय तांचो उपभोग घेवपाची संद मेळूंक पावता. अशी एक आदर्श अर्थवेवस्था पुनरूत्थाना पासत तांचे संकल्पनेंत आशिल्ली.

## संदर्भ वळेरी आनी टिपो


1. सरदेसाई, मनोहर हिरबा.*गोवा दमण दीव स्वातंत्र्यलढ्याचा इतिहास (खंड 1)*. पणजी,गोंय: क्रिडा व सांस्कृतिक संचालनालय, 1986. पा.क्र.– 40.
2. वयलोच संदर्भ :*गोवा दमण दीव स्वातंत्र्यलढ्याचा इतिहास (खंड 1)*. पा.क्र.– 43.
3. आदलोच संदर्भ : *गोवा दमण दीव स्वातंत्र्यलढ्याचा इतिहास (खंड 1)*. पा.क्र. – 48.
4. आदलोच संदर्भ : *गोवा दमण दीव स्वातंत्र्यलढ्याचा इतिहास (खंड 1)*. पा.क्र.– 70,71.

5. आदलोच संदर्भ : *गोवा दमण दीव स्वातंत्र्यलढ्याचा इतिहास (खंड 1)*. पा.क्र.– 82.

6. आदलोच संदर्भ : *गोवा दमण दीव स्वातंत्र्यलढ्याचा इतिहास (खंड 1)*. पा.क्र.– 104.

7. आदलोच संदर्भ : *गोवा दमण दीव स्वातंत्र्यलढ्याचा इतिहास (खंड 1)*. पा.क्र.– 107-125.

8. आदलोच संदर्भ : *गोवा दमण दीव स्वातंत्र्यलढ्याचा इतिहास (खंड 1)*. पा.क्र.– 136.

9. आदलोच संदर्भ : *गोवा दमण दीव स्वातंत्र्यलढ्याचा इतिहास (खंड 1)*. पा.क्र.– 125-170.

10. आदलोच संदर्भ : *गोवा दमण दीव स्वातंत्र्यलढ्याचा इतिहास (खंड 1)*.पा.क्र.– 310-314.

11. नारायण भेंब्रे दोतोरकी शिकताले आनी लिसेवाचे परिक्षेक बसपी भुरग्यांक तयार करपाक इंश्तितूतांत शिकयताले आनी एक विद्यार्थी संघ तांणी सुरू केल्लो जो गोंय मुक्तीखातीर तरणाट्यांक तयार करतालो.

12. बोरकार, दिलीप. *भारतीय भासांचें साहित्य घडोवपी रवीन्द्र केळेकार*. नवी,दिल्ली: साहित्य अकादेमी, 2021. पा.क्र. – 20.

13. केळेकार, रवीन्द्र. *पांथस्थ*. डॉ. व्होल्फागुं द सिल्व्ह मार्ग, पणजी, गोंय. 400013 :राजहंस ऑफसॅट, 2000. पा. क्र.-35, 36.

14. आदलोच संदर्भ: *भारतीय भासांचें साहित्य घडोवपी रवीन्द्र केळेकार*. पा. क्र.– 40.

15. आदलोच संदर्भ: *पांथस्थ*. पा.क्र.-76- 77.

16. विश्वनाथ लवंदे हे आजाद गोमंतक दलाचे फुडारी. सशस्त्र क्रांतीचेर विश्वास दवरपी बांदा रावून गोंय सुटके पासत तरणाट्यांक क्रांतीकारी प्रशिक्षण दिताले.

17. आदलोच संदर्भ : *गोवा दमण दीव स्वातंत्र्यलढ्याचा इतिहास (खंड 1)*. पा.क्र. – 437-439.

18. देसाय, गुणाजी, चोपडेकार, हनुमंत (सं). *रायटर आनी फायटर रवीन्द्र केळेकार*. मडगांव,गोंय: बटुकाका स्मृती प्रतिष्ठान, 2012. पा. क्र. – 21, 22.

19. वयलोच संदर्भ. देसाय, गुणाजी, चोपडेकार, हनुमंत (सं). *रायटर आनी फायटर रवीन्द्र केळेकार*. मडगांव, गोंय: बटुकाका स्मृती प्रतिष्ठान, 2012. पा.क्र. – 21, 22.

20. आदलोच संदर्भ : देसाय, गुणाजी, चोपडेकार, हनुमंत (सं). *रायटर आनी फायटर रवीन्द्र केळेकार*. मडगांव, गोंय: बटुकाका स्मृती प्रतिष्ठान, 2012. पा. क्र. – 27.

21. आदलोच संदर्भ : *भारतीय भासांचें साहित्य घडोवपी रवीन्द्र केळेकार*. पा. क्र.– 74.

22. केळेकार, रवीन्द्र (सं). *जाग* फेब्रुवारी. प्रियोळ, गोंय: जाग प्रकाशन, 1991. पा.क्र. – 3.

23. केळेकार, रवीन्द्र (सं). *जाग* डिसेंबर. प्रियोळ, गोंय: जाग प्रकाशन, 1993. पा.क्र. – 1, 2.

24. केळेकार, रवीन्द्र (सं). *जाग* मे. प्रियोळ, गोंय: जाग प्रकाशन, 1993. पा.क्र. – 3.

25. केळेकार, रवीन्द्र (सं). *जाग* जानेवारी. प्रियोळ, गोंय: जाग प्रकाशन, 1997. पा.क्र. – 5.

26. केळेकार, रवीन्द्र (सं). *जाग* मे. प्रियोळ, गोंय: जाग प्रकाशन, 1989. पा. क्र. – 4.

## चवथें प्रकरण

# रवीन्द्र केळेकार : रायटर आनी फायटर

(संकल्पना आनी कार्य)

## चवथें प्रकरण – रवीन्द्र केळेकार : रायटर आनी फायटर

### (संकल्पना आनी कार्य)

रवीन्द्र केळेकार संद मेळटा तेन्ना सांगताले, आपूण 'रायटर' लेखक अपघातान जालों. आपलो पींड फायटराचो. आपूण पयलीं फायटर आनी उपरांत रायटर. आपणें खूब बरयलां आसलें तरी आपल्याक रायटर म्हूण कोणें संबोधचे परस फायटर मानलो जाल्यार चड खोस भोगतली.[1]

हाचे वयल्यान रवीन्द्र केळेकार हांणी गोंयच्या पुनरूत्थाना पासत जेन्ना खांद मारलो तेन्ना तांकां पुरायेन जाणविकाय आशिल्ली, हो वावर दिसता तितलो सोंपो ना. हातूंत जर जैत जोडपाचें आसत जाल्यार तें झगडुनूच म्हणल्यार फायट दिवनूच मेळोवंचें पडटलें. आपूण रायटर उपरांत, पयलीं फायटर अशें ते अभिमानान सांगताले.

## 4.1 'रायटर आनी फायटर' संकल्पने फाटलो उद्देश्य

कोंकणी समाज हो आमच्या देशांतलो एक हुशार आनी बुदवंत समाज. फाटलो कांय शेंकड्यांचो इतिहास धवळून पळयत जाल्यार वेगवेगळया कालखंडांत ह्या समाजांत व्हडले व्हडले लोक जल्मांक आयल्यात. एका फुडले एक बुदवंत, धनवंत, शूर आनी हुशार. कलेच्या, संगीताच्या आनी संस्कृतायेच्या मळार तांणी दीश्ट लागपा सारकें कर्तृत्व केल्लें आसा. पूण ह्या लोकां मदीं धनीपणाची भावना खंयच दिश्टी पडना. दुसऱ्यांचीच चाकरी करपा खातीर जशे कितें जल्मा आयल्यात आनी तांचेच खातीर आमी जियेवंक आनी मरूक जाय असो समज करून जियेल्ले पळोवंक मेळटात. दुसऱ्यांचो आलाशिरो नासत जाल्यार आमकां कोण विचारचो ना, आमचें कर्तृत्व कित्याक उपकारा पडचें ना हे भावनेनूच सगळे जियेल्यात आनी मेल्यात.

अशें कित्या खातीर जालें हाचो सोद लावपा खातीर आमगेले म्हालगडे बसले तेन्ना तांकां दिसून आयलें आमच्यांत बुद्ध आसा, विद्या आसा, कला आसा, दुडू आसा, बळगें आसा पूण धनीपणाची उब ना. कित्याक स्वत्व नावांचो गुणूच आमच्या आंगांत ना. हें अशें जावपाचें कारण म्हणल्यार

फाटल्या कितल्याच शतमानां सावन आमचेर सदांच भायल्यांच्यो घुरयो येत रावल्यो. त्यो परतून लावपाचो सुरवेक आमी यत्न केलो जातलो. पूण त्यो इतल्यो येत रावल्यो की कालांतरान आमी निर्शेले, खर्शेले आनी ह्या घुरयांक लागून आमच्यांतली प्रतिकार शक्तूच एकदीस ना जाली.[2]

हाचे वयल्यान कोंकणी समाज मेंगो कित्याक जालो, ताचेर कितल्याच राजवटींनी शेक चलयलो तोय तांणी मोन्यानी सोंसून घेतलो. मात्तूय उसळून तांच्या आंगार गेलो ना. त्या उपरांत 16 व्या आनी 17 व्या शेंकड्यांत पुर्तुगेजांनी ह्या लोकांचेर तरातरांच्यो आगळिको केल्यो. तरी लेगीत हायहूय लेगीत करिनासतना देव धर्म आनी पोट घेवन मेळत तेवटेन पळत रावले. प्रतिकार करपाचें म्हणल्यार फायट दिवपाची ह्या लोकांक मात्तूय वान्सा नाशिल्ली. तांची ही अवतिकाय पळोवन तांचे भितर आत्मसन्मानाची कीट पेटोवपाच्या हावेसान 1939 वर्सा कोंकणी परिशद जल्मांक आयली. कोंकणी मनीस व्यक्तीगत कर्तृत्वाक फिशाल पूण एकवटीत कृतीक बाबत म्हणपाचें दिसून आयिल्ल्यान कोंकणी समाजान एकसंघ जावन लढो दिवपा पासत तांकां एकठांय हाडपा पासत ही परिशद घडिल्ली.

हुशार पूण मेंग्या, बुदवंत पूण स्वत्व नाशिल्ल्या समाजाक जाग हाडची, तांच्यांत जीव ओतचो, स्वाभिमान वाडोवचो आनी ताच्या कर्तृत्वाक एक नवी देख दिवंची आनी हातूंतल्यान आपल्या हक्काची दरेक गजाल झगडून म्हणल्यार फायट दिवन मेळोवंची अशें हाचें फाटलें उदात्त सामुदायीक ध्येय आशिल्लें.[3]

गोंयकारांक जर धनीपणान आपले भुंयेंत राज करपाचें आसत जाल्यार आपले भितरलीं मेंगेपणा सोडूंक जाय, आपल्या आत्म्याक जागोवंक जाय आनी स्वत्वाची भावना बळावंक जाय ही आत्मभावना परिशदेच्या निमतान कोंकणी मनशां मेरेन पावली तेन्ना झगडल्या बगर ह्या फुडें आपल्याक कांयच मेळपाचें ना हाचो साक्षात्कार जालो.

हो साक्षात्कार जावपी कोंकणी समाजाचो पयलो म्हालगडो शणै गोंयबाब. आतां सांस्कृतीक बंदेपणांतल्यान आनी चेंपणांतल्यान मेकळे जावपाक कोंकणी मनशा भितर स्वत्व जागोवपाची वेळ

आयल्या हें तांणी पारखिलें. ताचो आरंभ आपले पासून केलो. तांणी आपले काळार सगळे तरेची 'फायट' दिली. तांणी ही फायट दिवंक जीं जीं शस्त्रां जाय तितलींय आदीं तयार करून आपल्या हाता लागीं दवरलीं. देखीक – कोंकणीचे विरोधक कोंकणी ही भास न्हय तर बोली असो हट्ट धरताले. तांचे हे म्हणणेक पुराव्या सयत जाप दिवपा पासत शणै गोंयबाबान फाटल्या अडेज हजार वर्सांचो इतिहास सोदून काडलो. गडगंज पुरावे हातांत दवरले. ह्या पुराव्यांचें अस्त्र करून तांणी विरोधकांक फायट दिली आनी तांचीं तोंडां सासणाचीं बंद केलीं. शणै गोंयबाब हे आधुनीक पुनरूत्थानाचे पयले फायटर. ती फायट दिवपाक जे पुरावे शस्त्रां म्हूण जाय, ते लिखीत स्वरूपांत हाडले देखून शणै गोंयबाब रायटरूय थारले.

शणै गोंयबाबा उपरांत तांचें दायज घेवन मुखार वचपी जी पिळगी मुखार सरली तातूंत रवीन्द्र केळेकार हांचें अस्तित्व ठळकपणान दिश्टी पडटा. शणै गोंयबाबान परिशदेचे माचये वयल्यान जो वावर आरंभ केल्लो तो तांणी मुखार व्हेलो. गोंय ह्या काळांत पुर्तुगेजांच्या शेकातळा आशिल्लें. तें मेकळें जाले बगर 'पुनरूत्थान' जावप शक्य ना हाची तांकां जाणविकाय आशिल्ली. गोंयची सुटका मागून मेळपाची नाशिल्ली. फकत वैचारीक बदल घडोवन लेख बरयले म्हूण पुर्तुगेज सत्ता सोडून वतले अशें चिंतप लेगीत हास्यास्पद थारू येतालें. गोंयची सुटका वैचारीक परिवर्तन आनी फायट दिवन जावं येता हो विचार मूळ धरतालो. तेच पासत फायटर जाले बगर पर्याय नाशिल्लो. सुटके झुजाऱ्यांनी गोंय मेकळें केलें तें संघटीत फायट दिल्ल्यानूच.

गोंय मेकळें जालें आनी रोखडोच बंदेपणाचो दुसरो प्रसंग मुखार आयलो. स्वतंत्र गोंय मेकळें दवरून ताचेर धनीपणान राज्य करप काय ते महाराष्ट्रांत विलीन करून ताचे भितोडेक दीस सारप हो तो प्रसंग आशिल्लो. ताच्याय आड फकत लेख बरोवन जैत मेळपाचें नाशिल्लें. तेन्नाय फायट दिवप गरजेचें म्हणपाचें जाणवलें आनी गोंय फायटरांक लागुनूच मेकळें उरलें.

जण एकल्या राज्याची वा प्रांताची एक भास आसता. ती भास थंयच्या लोकांची आवयभास आसता. गोंयच्या लोकांक तांची हक्काची भास आसुनूय तिका राजभास म्हूण मान्यताय नाशिल्ली.

हात मुखार करून, भीक मागून ती पदरांत पडपाची शक्यताय नाशिल्ली. ती मेळोवपा पासत स्वाभिमानी गोंयकारांक लढो दिल्या बगर दुसरो पर्याय नाशिल्लो.

अश्यो ह्यो गोंयकारांच्या स्वत्वाच्यो कितल्योच घडणुको धुल्ल खायत कितलोच काळ पडून आशिल्ल्यो. वैचारीक परिवर्तन घडोवन हाडून तांचे भितर जागृताय जेन्ना हाडली तेन्ना आपल्या हक्का खातीर लढपाचो साक्षात्कार जण एकल्याक जालो. सगळीं जैतां तातूंतल्यान मेळूंक पावलीं. हीं सगळीं फायट दिवन, लढो दिवन मेळिल्लीं जैतां. फायटर ही संकल्पना हातूंतल्यानूच मुखार येवंक पावली.

## 4.2 भास, साहित्य, संस्कृताय आनी अस्मिताय सांबाळूंक केल्ली पत्रकारिता

आपलो समाज, आपलें राज्य, ताची भास, संस्कृताय, साहित्य हाचें पुनरूत्थान करपाचें जर आसत जाल्यार पत्रकारिता हो एक खूब म्हत्वाचो घटक अशें रवीन्द्र केळेकार मानताले. लोकशाय तिगतली जाल्यार पत्रकारितेचो मुखेल वांटो आसा. भंया विरयत पत्रकारिता ही लोकशाय जिवीत दवरपाचो एक मार्ग. तेच पासत भारता सारके लोकशाय प्रधान देशाचो पत्रकारिता हो  चवथो खांब थारला. हो खांब जर सशक्त नासत जाल्यार विधिमंडळ, शासन आनी न्यायमंडळ हे हेर तीन खांब डळमळीत जातात.

हे गजालींतलें म्हत्व रवीन्द्र केळेकारांक खबर आशिल्लें. तेच पासत तांणी पत्रकारितेक आपलें मिशन मानलें. आमच्या देशांत आनी कितें आसू वा नासू विचार स्वातंत्र्य आसा, उच्चार स्वातंत्र्य आसा. हीं दोन स्वातंत्र्यां आसात त्याच देशाक सभ्य आनी संस्कारी मानूं येता. पत्रकार भोवसंख्य लोकां परस वेगळें कितेंय तरी सांगतात. ताचेर कोणाचें चेंपण येवंक जायना. ताणें उलोवपाक, बरोवपाक भियेवंक जायना अशें केळेकार मानीत आयल्यात.[4]

पत्रकार विचारवंतूच आसूंक जाय ह्या संस्कारांत रवीन्द्र केळेकार हांची वाड जाल्ली. तांचे मुस्तींत लोकांचें प्रबोधन करपी, तांकां प्रेरणा दिवन मत्तां घडोवपी पत्रकार आशिल्ले. तांगेली एक

वेगळी नदर आशिल्ली. एक विचारसरणी आशिल्ली. ह्याच वैचारीक प्रभावान रवीन्द्र केळेकार हांणी पत्रकारिता हें आपलें मिशन मानलें.[5]

### 4.2.1 भास

रवीन्द्र केळेकार हांणी बरोवपाक आरंभ केलो तोच पत्रकारितेंतल्यान. जेन्ना ते वर्ध्याक आयले आनी काकासायब कालेकर हांचे कडल्यान गांधी समजून घेवंक लागले तेन्ना तांकां पत्रकारितेचें म्हत्व समजलें. न्हिदिल्ल्या समाजाक जर जागो करतलो जाल्यार पत्रकारिते सारकें दुसरें सादें सोंपें साधन ना. देखून तांणी वर्ध्याक *मीर्ग* हें पंद्रशी नेमाळें सुरू केलें. मीर्गाचो पयलो अंक 1953 ल्या 15 ऑगस्टाक आयलो. तातूंत तांणी संपादकीय बरोवपाक आरंभ केलो. आपलो अणभव सांगतना रवीन्द्र केळेकार सांगतात – "गुपाट काळखांत चलतल्या मनशाक अवचीत वाटेर वीज जोगलावन एका खिणांत पुराय वाट स्पश्ट बरी दिश्टी पडची तशेंशें कितें जालें. जिविता कडेन पळोवपाची एक नदर म्हाका मेळ्ळी आनी कोणायचीं गुपितां कळटकूच ती दुसऱ्यांक सांगपा खातीर कांय जाणांची जीब हुळहुळपाक लागता, तशी, म्हाका जें कितें हांगां होलमल्लें, समजल्लें तें दुसऱ्यांक सांगपा खातीर म्हजी लेखणी हुळहुळपाक लागलीं आनी हांवें *मीर्ग* सुरू केलें."[6]

*मीर्ग* सुरू करपा फाटलो तांचो उद्देश आशिल्लो तातूंत विचारीक बरपूच दिवंचें. कथा, कविता छापच्यो न्हय. विचारीक बरपाक निबंदाचें स्वरूप दवरप. तांणी अशे तरेचें बरप सुरू केलें आनी ह्या बरपाची भास सोंपी, सादी, सुटसुटीत दवरली. आपूण जें कितें बरयतां ताचेर बरप्यान बारीक लक्ष दवरपाक जाय आनी भाशेचें लालित्य सांबाळपाक जाय अशें ते हेरांक सांगताले. तांणी आपणेंय हे सांगणेक पाळो दिलो. तांच्या सगळ्या बरपाची शैली पळयत जाल्यार तांची भास संवादी आशिल्ल्याचें दिसता. ल्हान ल्हान सुटसुटीत वाक्यां ही तांच्या बरपाची खाशीयत. हातूंतल्यान ते विचारांची सहज मांडणी करतात.

गोंयच्या मराठी दिसाळ्यांतल्यान तांणी 1980 ते 1999 मेरेन सातत्यान 'स्वगत' हें सदर चलयलें. हातूंतले सादे सोंपे मराठी भाशेन वाचप्यांचेर मोनेळ घाल्लो. सहज सोंपी भास जाल्ल्यान कळकळ, तळमळ तातूंल्यान व्यक्त जाताली. तांणी आपले ओघवते आनी लालित्यपूर्ण भाशेंतल्यान राष्ट्रीय, आंतरराष्ट्रीय, थळाव्या प्रादेशीक स्तरावयल्यो राटावळी वाचकां मुखार दवरल्यो. तांणी समाजकारण, भासकारण, अर्थकारण, संस्कृताय, शिक्षण, अध्यात्म, आचरण आदी कितलेच विशय आपले सादे, सुटसुटीत भाशेंत लोकां मुखार मांडले आनी तांचे भितर वैचारीक परिवर्तन घडोवन हाडलें.[7]

आपूण जें कितें बरयतां ताची भास स्पश्ट आनी भंया विरयत आसूंक जाय हाचेर तांणी भर दिलो. कोणांक बरें दिसतलें हाचे परस तांकां बऱ्याक पडटलें आनी तांकां तें सहजपणान समजतलें अशी भास तांणी आपणायली. एक आदर्श पत्रकारिता जर पुनरूत्थाना पासत वापरतले जाल्यार ती वाचकांच्या पचनी पडटली अशीच आसूंक जाय ह्या मताकडेन ते निमणे मेरेन ठाम रावले. तांची सहज, सोंपी, लालित्यपूर्ण आनी ओघवती भास हेंच तांच्या लोकप्रीय पत्रकारितेचें गमक आसा.

### 4.2.2 साहित्य

वर्ध्याक लेखन सुरू करीत सावन रवीन्द्र केळेकार एक सारके बरयत रावले. आपणें कित्याक बरोवंक जाय हाची तांकां बरोवंक आरंभ केलो तेन्ना पुराय जाणविकाय जाल्ली. तांणी बरोवंक आरंभ केल्लो गोंयचे सुटके खातीर कितें तरी करूंक जाय म्हूण. जे कोण सुटके पासत तळमळटाले तांकां कितें करचें तें खबर नाशिल्ल्यान घुस्मट्टाले. तांकां दिका दिवपा खातीर आपणें बरोवंक जाय अशें तांणी थारायिल्लें. कोंकणी बरपावळींत भर घालपा खातीर आपूण साहित्य रचूंक सोदिना अशें मत तांणी जाहीर केल्लें.[8]

उपरांत ते दिल्ली गेले आनी *मीर्ग* बंद पडलें. वर्सभर दिल्ली रावून मुंबय आयले. थंय तांणी *गोमंत भारती* (1956-60) हें सप्तकी नेमाळें रोमी लिपयेंतल्यान सुरू केलें. तीन वर्सां ह्या

नेमाळ्यांतल्यान ते राष्ट्रवादी विचार दीत रावले. उपरांत गोंयांत आयले. सुटके झुजांत वांटो घेतिल्ल्या पासत तांकां बंदखणींत दवरले. गोंयच्या शिक्षणाचो विचार थंयच तांणी केलो आनी शिक्षणीक साहित्याचो वावर सुरू केलो. गोंय मेकळें जाले उपरांत तें महाराष्ट्रांत विलीन करपाचो मुद्दो वयर आयलो. ह्या वेळार तांणी बरयिल्ल्या साहित्याक तरसादीची धार आशिल्ली. अशें घडपाचें कारण म्हणल्यार ह्या वेळार तांचो वाचक वेगळो आशिल्लो. आपणांक मराठी लेखपी, गोंय महाराष्ट्रांत वचूंक जाय म्हणपी गोंयकार तांच्या साहित्याचो वाचक आशिल्लो. तांचें मत परिवर्तन करतलो जाल्यार जें कितें साहित्य रचतां तें झगडाळ आसूंक जाय हाचेर तांणी भर दिल्लो. 1968 ते 1980 मेरेनचें तांचें साहित्य हेच तरेचें आशिल्लें. हें बरप साहित्यिकाचें न्हय, तर मिशनान भारून गेल्ल्या एका ध्येयवाद्याचें, एका झुजाऱ्याचें आशिल्लें म्हणपाचें रवीन्द्र केळेकार मान्य करतात.[9]

साहित्य हें बरोवंक जाय म्हूण बरोवंचें न्हय जाल्यार बरयले बगर रावूं नज अशें दिसता तेन्नाच बरोवंक जाय अशें तांचें चिंतप आशिल्लें. समाजाचें मत परिवर्तन करून पुनरूत्थाना पासत तांकां तयार करतना तांणी जें कितें बरयलें तातूंत साहित्य अशें कांय ना म्हणपाची जाणविकाय आशिल्ली. *मीर्ग* सुरू केलें तेन्ना तांचें बरप पत्रकारितेचें आशिल्लें. तें तांचें मिशन आशिल्लें. तातूंतल्यानूच तांकां आपूण साहित्यकारूय आशिल्ल्याची जाणवीक जाली. आपूण जिणेंत जे कितें अणभव घेता ते उक्तावपा खातीर जेन्ना ते बरोवंक लागले तेन्ना तांकां खोस जावंक लागली. तेन्ना सावन असल्या साहित्या कडेन ते लक्ष दिवंक लागले.

पत्रकारितेच्या रूपान जें बरप जातालें तातूंत वायट घडणुकांचेर थेट हल्लो जातालो. तातूंत साहित्यीक मुल्यांचो आस्पाव नासतालो. पूण खोसदेण्या साहित्यांतल्यान तांकां वाचप्यांक विचार करपाची संद लाबूंक लागली. निबंद शैली तांकां चड आवडूंक लागली. 'दिसपटी' सारख्या साहित्यांतल्यान खूब कितें सांगूं येता अशें तांकां दिसलें. तातूंतल्यान वाचप्यांक विचार करपाक लावन तांचे भितर वैचारीक बदल घडोवन हाडूं येता हाचो तांकां साक्षात्कार जालो. असलें साहित्य पुनरूत्थाना पासत गरजेचें थारता ह्याच अणभवांतल्यान तांणी साहित्य रचनेक

आरंभ केलो. वेगवेगळ्या विचारांनी भरिल्लें साहित्य तांणी फकत कोंकणींतच न्हय जाल्यार हेर भासांनीय बरयलें.

### 4.2.3 संस्कृताय

समाजाची वळख त्या त्या समाजाचे संस्कृताये वयल्यान थारता. संस्कृती हें समाजाचे अस्मितायेचें मूळ. संस्कृताय एक सारकी बदलत आसता. समाज प्रकृतींतल्यान संस्कृती कडेन वता. खासा रवीन्द्र केळेकार संस्कृतीचेर भाश्य करतना सांगतात, "मनीस प्रकृतींतल्यान संस्कृती कडेन वचना जाल्यार तो विकृत जाता. म्हणटकच ताका प्राकृतीक अवस्थेंत रावंक मेळना. मनशाक हें जें कितें प्रकृतिंतल्यान संस्कृती कडेन व्हरता ताका आदल्या काळांत धर्म म्हणटाले."[10]

हांगां धर्म म्हणल्यार 'रिलीजन' ह्या अर्थान न्हय जाल्यार जिवन पद्धत, आज ताका आमी 'कल्चर', 'सिविलाझेशन' अश्या नांवांनी वळखतात. एका समाजाचें अस्तित्व तिगोवन दवरतलो जाल्यार चुकिचे दिकेन वचपी संस्कृताय योग्य वेळार आडावंक जाय आनी तिचें पुनरूत्थान घडोवपाचो यत्न जावंक जाय. रवीन्द्र केळेकार हांणी ह्याच वावराक खांद मारतना वा शणै गोंयबाब आनी हेरांचें दायज मुखार व्हरतना पत्रकारितेचो मार्ग पत्करलो. तातूंतल्या लेखांतल्यान गरज पडटा थंय तांणी बडी मारल्या. देखीक – क्रिस्तांव समाज भारतीय संस्कृताये पासून पयस वता आनी येवरोपेव संस्कृतीचे भकीक पडटा म्हणपाचें जेन्ना तांकां दिसलें तेन्ना तांणी रोमींतल्यान *गोमंत भारती* नेमाळें सुरू केलें. मुंबयच्या धोबीतलाव वाठारांतल्या क्रिस्तांव गोंयकारांक परत भारतीय संस्कृतायेंत हाडून तांचे भितर राष्ट्रीयत्व जागोवपाचो यत्न केलो.[11] हे लोक संस्कृती भ्रश्ट जातात म्हूण त्या आदीं त्रिस्तांव ब्रागांझ कुन्य हांणी 'डिनेशनलायझेशन ऑफ गोवनस्' – गोंयकारांचें देशभश्टेंपण म्हण बरोवन आपल्या मनाचो उद्वेग उक्तायल्लो.[12] ह्या असल्या लोकांक परत देशी संस्कृतायेंत हाडून संस्कृतायेचें पुनरूत्थान करप हें म्हत्वाचें कार्य आशिल्लें.

### 4.2.4 अस्मिताय

दरेक समाजाची वळख घडटा ती ताचे अस्मितायेचेर. जशी व्यक्तिगत अस्मिताय आसता तशी सामाजीक अस्मितायूय आसता. कोंकणी भास आनी कोंकणी लोक संस्कृताय समाजाचे अस्मितायेचीं आंगां. ह्या आंगांचेरूच गोंयची अस्मिताय घडल्या देखून हो समाज हेर समाजा परस वेगळो थारता.

वेगवेगळे राजवटींक लागून कोंकणी मनीस आनी कोंकणी समाज हांचेर पडिल्ल्या प्रभावाक लागून तांची मूळ अस्मिताय विस्कळीत जाली. निमणी सत्ता ज्या पुर्तुगेजांची आशिल्ली, ते सत्तेन तर अस्मितायेचें मुळूच हुमटून उडयलें. एका गोंयांत दोन गोंयां दिसूंक लागलीं. एक धर्म बाटोवन क्रिस्तांव केल्ल्या गोंयकारांचें गोंय आनी दुसरें आपूण क्रिस्तांव न्हय तर हिंदू हें दाखोवन दिवपा पासत मराठी अस्मिताय बळयां पांगुरिल्लें गोंय. ह्या दोनीय गोंयचीं एक गोंय करपा पासत पुनरूत्थानाची गरज निर्माण जाली. त्या पासत कोंकणी भास हें एकूच वखद लागू जावं येतालें. तोच प्रयत्न कोंकणी परिशदेन केलो. शणै गोंयबाब आनी रवीन्द्र केळेकार हांचे सारक्या व्यक्तिनी केलो.

तातूंत भर म्हूण गोंय सुटके उपरांत गोंयच्या सामाजीक स्थित्यंतराचो प्रस्न वयर सरलो. गोंयचे विकास प्रक्रियेक लागून लोकसंख्येच्या प्रस्नां वांगडा शारिकरणाचोय प्रस्न उबो जालो. कसलेच येवजणे बगर वाडिल्ले हे लोकसंख्येक लागून आनी शारिकरणाक लागून गोंयची अस्मिताय भलतेच दिकेन वचूंक लागली. स्वच्छतायेक प्राधान्य दिवपी गोंयांत गलिच्छ वसणुको उब्यो जावंक लागल्यो. गोंयकारां परस स्थलांतरीत कामगारांची गर्दी वाडून मिश्र अस्मिताय वाडीक लागली. मजेच्या आनी गरजेच्या कारणाक लागून गोंयांत पर्यटक वाडले. हाका लागून गोंयचें पुराय प्लॅनींग चुकून गोंयची अस्मिताय राष्ट्रीय प्रवाहांत विरगळून गेली. गोंयची अस्मिताय वा कोंकणी अस्मिताय दिसपा सारको वाठार गोंयच्या शारांनी आनी गांवांनीय उरलो ना. ज्या गोंयांत खून, चोरयो – मारयो हांचें नांव लेगीत नाशिल्लें थंय गोंयच्या सामाजीक स्थित्यंतरांक लागून

गोंयच्या सैमाची सोबीतकाय, गोंयकारांचे जिणेंतली शांतताय जी गोंयची अस्मिताय म्हूण वळखताले ती इतिहासांत जमा जाली.[13]

वेगवेगळ्या कारणांक लागून पुरायेन बदलून गेल्ली गोंयची ही अस्मिताय आनी तिणें भोवरंगी राष्ट्रीय रूप घेतलें तें मूळपदार हाडप पुनरूत्थाना पासत गरजेचें आसा. ही गोंयची अस्मिताय म्हणल्यार कितें हें अ.ना. म्हांबरो हांच्या *गोंयची अस्मिताय* (दु.आ. 1995) ह्या लेखसंग्रहांत पळोवंक मेळटा. त्रोसात्मक शैलीन जरी हे निबंद बरयिल्ले आसले तरी गोंयची अस्मिताय कितें आशिल्ली आनी ती कशी बदल्ली हाचो अदमास मेळटा.

## 4.3 निबंद लेखनांतल्यान प्रबोधन

रवीन्द्र केळेकार हे मुळांत चिंतक आनी तत्वगिन्यानी. लालित्यपूर्ण शैली हो तांच्या साहित्याचो आत्मो. निबंद हो तांचो सभाव. ती तांच्या बरपाची मूळ प्रकृती. रवीन्द्र केळेकारान साहित्य निर्मणेचो आरंभूच ललित निबंदा सारक्या वैचारीक साहित्यांतल्यान केलो. तांणी सुरवेक गरज म्हूण भुरग्यांचें साहित्य, नवलिका, एकांकिका बी हेर साहित्य प्रकार हाताळ्ळे. तो तांचो पिंड नाशिल्लो. कोंकणी सगळे तरेचें साहित्य येवंचें हे पासत तांणी केल्लो तो एक प्रयोग आशिल्लो. पूण तांचो खरो पिंड ललित गद्यकाराचो म्हणल्यार निबंदकाराचो. हाची गवाय आमकां 1971 वर्सा उजवाडाक आयिल्ल्या *वेळेवयल्यो घुलो* - ह्या पुस्तका वयल्यान मेळटा. उपरांत *उजवाडाचे सूर* (1973), *घुस्पल्लें जानवें* (2000), *आमोरेर* (2003) हें निबंद साहित्य उजवाडाक आयलें.[14]

निबंद हो प्रकार मौलीक व्यक्तित्वाची थीर अभिव्यक्ती आनी थोडे भितर उक्तायिल्ली कलात्मक खबर आसता. निबंद बरोवप्याचें जशें व्यक्तित्व आसता ताचीच अभिव्यक्ती ताच्या निबंदांतल्यान जाता. निबंदांत व्यक्तित्व म्हणल्यार व्यक्तिगत खाशेलेंपण आसता. निबंदाचे प्रकार आनी शैली त्या त्या निबंद बरोवपी मनशाच्या व्यक्तित्वाचेर अवलंबून आसता.[15]

हाचे वयल्यान गोंयच्या पुनरूत्थाना पासत वैचारीक परिवर्तन घडोवन हाडपाचे नदरेन रवीन्द्र केळेकार हांच्या निबंद लेखनाचें म्हत्व समजता. रवीन्द्र केळेकार हांचें व्यक्तिमत्वूच उतूंग आनी

समाजप्रबोधनकाराचें. तांच्या ह्या दुर्मीळ व्यक्तिमत्वाचें पर्तावण तांच्या दरेक निबंदातल्यान दिसता.

आपूण कित्या खातीर बरयतां ह्या प्रस्नाची जाप सोदतना रवीन्द्र केळेकार सांगतात, " दोन प्रेरणा म्हज्यांत काम करतात. एक, सृजनाची. दुसरी, एके तरेचे लागणुकेची. (कित्याखातीर बरयतां ? 13-14)." आपूण, नवें जल्मांक घालपाचे सृजनाचे उर्बेन बरयतां तसोच आपणाले भाशेंतलें उणें, तिची गरिबाय जाता तितली पयस करपा खातीर, तिची बुन्याद घट करपा खातीर बरयतां, अशें ते म्हणटात. सृजनाचे उर्बेन बरयतना रवीन्द्रबाबांच्या हाताक तांचे आवडीचो दिसपटयेचो – ल्हान ल्हान निबंदाचो, चिंतनांचो – फॉर्म लागला. (चार दसकांची साहित्य यात्रा- 224) *वेळेवयल्यो घुलो*, *सांगाती*, *ओथांबे*, *आशिकुशीक* हीं पुस्तकां ह्या फॉर्मांत बसतात.[16]

हाचोच अर्थ तांचें हें निबंद लेखन पुनरूत्थानाच्या हावेसान ते करताले. आपणाले भाशेंतलें उणें, तिची गरिबाय जाता तितली पयस करून तिची बुन्याद घट करपा खातीर बरयताले. जेन्ना रवीन्द्र केळेकार हांच्या पुनरूत्थाना पासत तांच्या निबंदांचें योगदान हाचेर विचार जाता तेन्ना तांणी आपल्या निबंदांतल्यान वैचारीक परिवर्तन केलां. ताची गवाय म्हूण चार 'दसकांची साहित्य यात्रा' ह्या निबंदांत ते सांगतात, "......म्हजे कडेन म्हजे भाशेंत जें कितें दिवपा सारकें आसा तें हांव जीव ओतून दीत रावलां. जें दितां तें आयचे वा फुडले पिळगेक अन्न म्हूण खावपाक उपकारां पडलें ना तरूय कोंकणी सरस्पतीच्या शेतांत बऱ्यांतलें बरें पीक काडपाक सारें म्हूण ताचो बऱ्यांतलो बरो उपेग जावं येता हे विशीं म्हाका इल्लोय दुबाव ना.''[17]

पुनरूत्थानाची मोख नदरे मुखार दवरून रवीन्द्र केळेकार हांणी जितलेंय निबंद साहित्य रचलां तांचेर कितल्याच समिक्षकांनी भाश्य केलां. तांच्या निबंदांनी जितले जितले विशय आयल्यात आनी तातूंतल्यान जे जे कितें विचार मांडल्यात तातूंत गोंयच्या आनी कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थानाचोच ध्यास आसा हाचेर ह्या समिक्षकांचें एकमत आसा.

साहित्य समिक्षेंतलें डॉ. किरण बुडकुले हें एक म्हत्वाचें नांव. *कषाय मधुर* ह्या रवीन्द्र केळेकारांच्या निबंद संग्रहाचे प्रस्तावनेंत तांणी म्हणलां – "......ह्या सिद्धहस्त गद्यकाराची असामान्य जिवन साधना, कालातीत मुल्यां वयलीं ताची असाधारण निश्ठा आनी ओडलायणी शैलींतलें विश्लेशण – विवेचन हांचे धादोसदिणें दर्शन घडयता. तेच भायर रवीन्द्र बाबान साहित्यांतल्या कुशळतायेन विचार प्रवर्तन केलां... कांय अशेंय लेख ह्या पुस्तकांत आसात ते वाचून मनीस आपल्या अंतर्मनाक जागोवन चितूंक लागता. आपले परीन सामकार आयिल्ल्या अनपेक्षीत प्रस्नांच्यो प्रामाणीक जापो सोदूंक प्रवृत्त जाता...वाचप्यांक जिणेची वास्तव वट सांगप, समाजाची व्यथा समाजाकूच सांगप, सामाजीक व्याधी निवळावपाचो यत्न करप आनी निर्वीर्य स्थितिंतल्या समाज घटकाक चेतवप हो वावर निबंदांतल्यान घडटा."[18]

मार्च 2017च्या *जाग* अंकांत आसावरी नायक तांच्या निबंदाचेर भाश्य करतना म्हणटात – रवीन्द्र बाबानूच कोडू वखदाचो घोट बरोवन क्रिस्तांव समाजाचे कान पिळपाचें काम केलां. फ्रान्सिस्क सार्दीन शिक्षण मंत्री आसतना सरकारान कोंकणी माध्यम बदलून इंग्लीश शाळांकूय सरकारी अनुदान दिवपाचो निर्णय घेतिल्लो..... तांणी कोंकणींक नखलामी केली त्या वेळार कोडू वखदाचो घोट बरोवन रवीन्द्र बाबान गोंयांत दोन मुखेल समाज वेगळे वचूंक उपकारना म्हणपाचें परखडपणान आपलें मत उक्तायिल्लें.

*आशिकुशीक* (2007) निबंद झेल्याचे प्रस्तावनेंत डॉ. माधवी सरदेसाय बरयतात – "रवीन्द्रबाब हांच्या सगळ्या बरपांनी वाचप्यांक कितें तरी सांगपाचो, ताका विचार करूंक लावपाचो एक तीव्र हुटहुटोय आसा. हे नदरेन पळोवंक गेल्यार, सगळ्यांक सांगाता घेवन वांगडा तेजवंत जावपाचें आपोवणें दिवपी 'तेजस्विनावधि तमस्तु' चो साद ह्या बरपांनी पावलां कणकणी जाणवता."

*वेळेवयल्यो घुलो* (1971) ह्या रवीन्द्र केळेकार हांच्या निबंद संग्रहांत मनोहरराय सरदेसाय बरयतात – " मनशाची समाजीक नीत, धर्माचें खरें स्वरूप, विद्यार्थ्यांचीं बंडां, बायलांची अवतिकाय, साहित्याचो आदर्श अश्या कितल्याच विशयांचेर तो चिंतता आनी कांय मोटे प्रस्न मुखार दवरता. जें चल्ला तें सगळें सारकें चलना. समाजांत बरे लोक आसात. ते मातसो विचार

करतीत जाल्यार सगळे तांच्यांनी बदलूंक जातलें. ही ताची श्रद्धा. रवीन्द्राचीं उतरां व्हायलंट न्हय, पूण ताचे विचार क्रांतीकारी.”

*सांगाती* (1977) ह्या निबंद संग्रहाचे प्रस्तावनेंत रवीन्द्र केळेकार बरयतात – “ चितनां कडेन फाट केल्ल्या आयच्या समाजाक चितूंक लावपाक हीं चिंतनां थोडीं भोव उपकारा पडलीं जाल्यार म्हाका खूब बरें दिसतलें...हीं चिंतनां कोणाकूय जिविताचे खोलायेंत व्हरूंक पावलीं जाल्यार म्हाका समाजाची बऱ्यांतली बरी सेवा केल्ल्याची खोस भोगतली.”

*तीन पावलां प्रज्ञावादाचीं* (2005) ह्या रवीन्द्र केळेकार हांच्या निबंदाच्या संग्रहांत उजवाडावपी माणिकराव गावणेकार निबंदां विशीं बरयतात – “ नित्य चिंतन – मनन करून जिवीत गिरेस्त करपाक उपकारां पडपा सारकें एक गुरू – पुस्तक हें, तरणे पिळगेच्या हातांत पडटलें, तिचें जिवीत भांगराचें जातलें.”

माधव बोरकार हे रवीन्द्र केळेकार हांच्या *ओथांबे* (1999) ह्या निबंद संग्रहाचेर मत मांडटना सांगतात – आमगेल्या रासवळ, राजकी जिवितांतली धोंगां पोंगां सरळ उतरांनी दाखोवन दितात आनी ताचेर आपल्या विचारांक आनी मनांत पटपा सारकें भाश्य करतात. आपलें विचार दुसऱ्याक पटोवन दिवचेली विलक्षण तांक तांगेल्या बरपांत आसा.

अशे तरेन खासा रवीन्द्र केळेकारान आपल्या निबंदांचेर आनी समिक्षकांनी  तांच्या निबंदा विशीं बरयतना पुनरूत्थानाचे नदरेन जी मोलावणी केल्या ती पळयत जाल्यार तांचे निबंद येवपी फुडले पिळगेक आपले वरींच पुनरूत्थाना पासत स्फुर्तदेणे थारतले.

## संदर्भ वेळेरी


1. केळेकार, रवीन्द्र. *सर्जकाची आंतरकथा*. प्रियोळ, म्हाड्डोळ- गोंय. 403404 : जाग प्रकाशन, 2000. पा. क्र.- 2.
2. रवीन्द्र केळेकार फेब्रुवारी 1978 त जाल्ल्या अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या 12व्या अधिवेशनाच्या अध्यक्षीय भाशणांत आमच्यांतलो फायटर कसो आनी कित्याक सोंपलो हाचेर आपलें मत मांडटात.( नायक, जयंती (संपादक). *अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या अध्यक्षांचीं भाशणां*. सांतइनेज, पणजी - गोंय: अखिल भारतीय कोंकणी परिशद, 2016. पा.क्र – 121-123)
3. नायक, जयंती (संपादक). *अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या अध्यक्षांचीं भाशणां*. सांतइनेज, पणजी - गोंय: अखिल भारतीय कोंकणी परिशद, 2016. पा.क्र. – 121-123.
4. आदलोच संदर्भ: *सर्जकाची आंतरकथा*. पा. क्र- 175, 176.
5. आदलोच संदर्भ: *सर्जकाची आंतरकथा*. पा. क्र- 175.
6. केळेकार, रवीन्द्र. *कषाय मधुर*. पाजीफोंड, मडगांव- गोंय. 403601 : जाग प्रकाशन, 27 मे 2010. पा. क्र.- 218- 219.
7. बोरकार, दिलीप. *भारतीय भासांचें साहित्य घडोवपी रवीन्द्र केळेकार*. नवी, दिल्ली: साहित्य अकादेमी, 2021. पा. क्र. – 29-30.
8. आदलोच संदर्भ: *कषाय मधुर*. पा. क्र.- 219.
9. आदलोच संदर्भ: *कषाय मधुर*. पा. क्र.- 220.
10. वेरेंकार, श्याम (संपादक). *कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय*. विद्यानगर, मडगांव, गोंय: कोंकणी भाशा मंडळ, मार्च 2003 पा. क्र. - 390.
11. आदलोच संदर्भ: *भारतीय भासांचें साहित्य घडोवपी रवीन्द्र केळेकार*. पा. क्र – 22.
12. सरदेसाय, डॉ. मनोहरराय (मुखेल संपादक). *कोंकणी विश्वकोश (खंड पयलो)*. ताळगांव, गोंय 403002: गोवा विश्व विद्यालय,1991. पा, क्र.- 460.
13. आदलोच संदर्भ: *कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय*. पा. क्र.- 440-441.

14. आदलोच संदर्भ: *भारतीय भासांचें साहित्य घडोवपी रवीन्द्र केळेकार*. पा. क्र. – 55- 56.

15. आदलोच संदर्भ: *कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय*. पा. क्र.- 345- 346.

16. सरदेसाय, माधवी. *मंथन*. पाजिफोंड, मडगांव- गोंय. 40360 : जाग प्रकाशन, 2012. पा. क्र.- 65.

17. आदलोच संदर्भ: *कषाय मधुर*. पा. क्र.- 226.

18. आदलोच संदर्भ: *कषाय मधुर*. पा. क्र. - 1-6.

# पांचवे प्रकरण

# पुनरूत्थानाचें वैचारीक अधिश्ठान

## पांचवें प्रकरण – पुनरूत्थानाचें वैचारीक अधिश्ठान

गोंय आनी कोंकणी समाज हांचो फाटल्या कितल्याच वर्सांचो इतिहास उस्तीत जाल्यार कितल्याच राजवटींनी तांचेर शेक चलयला म्हणपाचें हाताक सांपडटा. ह्या राजवटींनी गोंय आनी थंयच्या समाजाचेर घाल्ल्या प्रभावाक लागून हो समाज पुरायेन विस्कळीत जायत गेलो. ताची तेंगशी म्हणल्यार सोळाव्या शतमानांतल्यो पुर्तुगेज राजवटींतल्यो आगळीको. ह्या आगळिकांक लागून कोंकणी समाज विंगडविंगड शिंपडिल्ल्यान विस्कळीत जालो आनी आपलो आत्मसन्मान व्हगडावन बसलो.[20]

तो परत हाडून ह्या समाजाचें पुनरूत्थान करतलो जाल्यार कोणें तरी ह्या समाजाक वैचारीक अधिश्ठान दिवपाची गरज आशिल्ली. जाका लागून कोंकणी समाजान व्हगडायिल्लो आत्मसन्मान, आत्मगौरव आनी आत्मभान ताका परत मेळटलें. ह्या आदीं कितल्योच पिळग्यो व्यक्तिगत रूपान कर्तृत्व गाजोवन संवसारभर नांव जोडटाल्यो. पूण आत्मसन्मान आनी आत्मगौरव परतून प्रस्थापीत करपा पासत जाय आशिल्लो. एकवटीत पुरूशार्थ कोंकणी मनशांत नाशिल्लो. तो जागोवपा पासत 1939 वर्सा कोंकणी परिशदेन जल्म घेतलो. तातूंतल्या मंथनांतल्यान शणै गोंयबाब, त्या उपरांत रवीन्द्र केळेकार हांचे सारके वैचारीक अधिश्ठान आशिल्ले पुरूशार्थी लोक जल्मांक आयले जांणी पुनरूत्थानाच्या वावराक खांद मारून वैचारीक अधिश्ठान दिलें.

## 5.1 कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थानाची बुन्याद

गोंयचेर कितलींच वर्सां भायले राजवटीन सत्तेच्या म्हालवजार राजवटी चलयल्यो. तांचे भिरांतीन कोंकणी समाज सदांच भियेत भियेत जियेलो. तातूंतल्या कांय जाणांनी आपल्या व्यक्तिगत गुणांनी नांव जोडलां. पूण लोकांक एकठांय करून ह्या बंदेपणांतल्यान मेकळे जावपाचो संघटीत वावर मात कोणें केल्ल्याचें दिसना. सगळ्यांनी परकी सत्ते खाला तांची सायबाजात्रा करीत पोट

भरपाचें काम केलें. कितलींच शतमानां हें चलत आयल्या उपरांत देशांत बदलाचें वारें आयलें. विवेकानंद, रवीन्द्रनाथ टागोर ह्या सारके निर्भीडपणान विचार मांडूंक लागले आनी देशभर जागृताय जावंक लागली. हाचोच परिणाम म्हणून पुर्तुगेजाच्या शेकातळा आशिल्ल्या गोंयकारांतल्या कांय सुदारकांक स्फुर्त मेळ्ळी.

ह्या वातावरणांत डॉ. जोकीम हेलियोदोर दा कुञ रिव्हार, मोन्सिन्योर सेबेस्तियांव रूदोल्फ दाल्गाद, एदुवार्द झुजे ब्रून द सौझ, त्रिस्तांव ब्रागांझ कुञ, वामन रघुनाथ वर्दे वालावलिकार (शणै गोंयबाब), माधव मंजुनाथ शानभाग सारक्यांनी स्फुर्त घेतली. आत्मसन्मान शेणोवन बशिल्ल्या कोंकणी मनशाक जागोवन कोंकणी समाजाचें पुनरूत्थान करपा पासत तांणी आपले परीन वावराची बुन्याद घालपाचो यत्न सुरू केलो. आपल्या बरपांतल्यान आनी कृतिंतल्यान हे लोक आपले परीन वावर करताले. पूण ह्या वावराक संघटीत रूप दिलें तें माधव मंजुनाथ शानभाग हांणी. कोंकणी समाजाचें पुनरूत्थान करपा पासत तांकां एकठांय हाडपाची बुन्याद तांणी घाली जाल्यार वैचारीक अधिश्ठान घालपाची बुन्याद शणै गोंयबाबान घाली. त्या बुन्यादीचेर गडगंज इमारत उबी करपाचो वावर तांच्या प्रभावान फुडें आयिल्ले रवीन्द्र केळेकार आनी तांच्या सांगात्यांनी केलो.

## 5.2 रवीन्द्र केळेकारान पळयिल्लें आधुनीक गोंयचें सपन

रवीन्द्र केळेकार हांणी आधुनीक आनी आदर्श गोंयचें सपन आपले तरणे पिरायेर सावन पळयिल्लें. जेन्ना तांकां आपली भास मराठी न्हय, गुजराती न्हय, पुर्तुगेज न्हय तर आपल्याक शिकनासतना जी भास येता ती कोंकणी भास आपली म्हणपाचो जेन्ना दिश्टावो जालो तेन्नाच्यान आपूण आपलें पुराय जिवीत कोंकणी आनी गोंय हांचे पासत दितलो म्हणपाचो निश्चेव केलो.[1] आनी त्या दिसाच्यान आधुनीक गोंय घडोवपा पासत कितें कितें करूं येता हाचेर चिंतन करपाक आरंभ केलो. आपल्याक जें आदर्श गोंय जाय तें स्वाभिमानी गोंयकाराचें, धनीपणान राज्य करपी आदर्श कोंकणी मनशाचें जाय म्हणपाचें तांणी सपन रंगयलें.

हें सपन रंगोवपाक विवेकानंदांचें चरित्र, गांधी, कालेलकर, विनोबा भावे, र.धो.कर्वे हांच्या विचारांचो प्रभाव तांचेर आशिल्लोच. तेच वांगडा शणै गोंयबाबांच्या साहित्यानय तांच्या विचारांक दिका दिल्ली. हो सगळो तेंको अमूर्त आशिल्लो. पूण तांकां आल्मैद कुलेजींत शिकोवपी लक्ष्मणराव सरदेसाय आनी हेर देशभक्त शिक्षक तांचे विचार घडपाक उदक सारें घालताले. शांताराम आमोणकार, दत्ताराम सुखठणकार,मनोहरराय सरदेसाय,इव्हाग्रियो जॉर्ज, मार्क्स फेर्नांडीस बी तांचे पिरायेचे तांचे सांगाती आनी इश्ट वेगवेगळे चर्चेंतल्यान तांच्या सपनांक घटाय हाडटाले.

तांकां 1961 वर्साच्या आगोस्त म्हयन्यांत गोंय सुटके झुजांत वांटेकार जाल्ले पासत पुर्तुगेज सरकारान अटक करून बंदखणींत उडयलो. ते विशीं *नवी शाळा* (1962) ह्या पुस्तकांतले प्रस्तावनेंत ते सांगतात, "गोंयच्या सांस्कृतीक पुनरूत्थानाचे दृश्टीन जेन्ना हांव ताच्या वेगवेगळया आंगांचो विचार करूंक लागलों तेन्ना सगळयांत पयलीं म्हजी नदर आमच्या मुळाव्या शाळांचेर गेली...गोंयांत जे लोक शाळा चलयतात तांणी ह्या प्रस्नाचेर व्हडलोसो विचार केला अशें दिसना...तांणी मुळाव्या शाळांचो विचार शिक्षणशास्त्राचे नदरेन करपा बदला भाशावादाचे नदरेन केलां...शाळेची बुन्याद शास्त्रीय आसत जाल्यार भाशावादाचो पांयूच मोडटा..."[2] देखून बंदखणींत आसतना नवें गोंय निर्माण करपाची सपनां पळयतां पळयतां रवीन्द्र केळेकार हांणी बंदखणींतूच *नवी शाळा* हें पुस्तक तयार केलें. मुक्त गोंयांत भुरगीं जें शिक्षण घेतले तें शिक्षण फकत परिक्षा पास जावपा पुरतेंच आसचें ना जाल्यार तांकां आपल्या सपनांतल्या गोंयांतलें आदर्श नागरीक घडोवपाचे नदरेन तें आसतलें हाचेर ह्या पुस्तकांत तांणी भर दिल्लो.

गोंय मेकळें जावन (1961) जेन्ना मुक्त गोंयांत शिक्षणाचो वावर सुरू जालो तेन्ना कोंकणी भाशा मंडळ (1962) ही संस्था रवीन्द्र केळेकार आनी चंद्रकांत केणी, मनोहरराय सरदेसाय, उदय भेंब्रे, शंकर भांडारी आनी तांच्या हेर वावुरप्यांनी सुरू करून वावर फुडें व्हेलो.

आपले आवयभाशेंतल्यान शिक्षण घेतल्यार भुरगीं आपलें गिन्यान सहज संपादन करूंक शकतात हाची तांकां जाणविकाय आशिल्ली. त्या पासत तांणी शाळेंत कोंकणी कित्याक, हाची

कल्पना लोकांक येवंची म्हण संवाद रूपी पुस्तिका तयार केली आनी ताचें नांवूय शाळेंत कोंकणी कित्याक? (1962 ) हेंच दवरलें. हे पुस्तिकेंत तांणी शिक्षणाच्या मळार गोंयचें सपन पळयिल्लें ताची विस्कटावणी केल्ली पळोवंक मेळटा.3

हेंय पुस्तक कोंकणी भाशा मंडळान उजवाडाक हाडून तें कोंकणीच्या विरोधकां मेरेन पावोवन रवीन्द्र केळेकारांच्या विचारांक तेंको दिलो.

शणै गोंयबाब हांणी गोंयच्या पुनरूत्थानाचे नदरेन जें सपन पळयिल्लें ताचो रवीन्द्र केळेकाराचेर प्रभाव पडिल्लोच. शणै गोंयबाब *भुरग्यांलो इश्ट* (1935) ह्या पुस्तकांत 'म्हजें गोंय' हे कवितेंत सांगतात, - " गोड म्हजें गोंय, सुंदर म्हजें गोंय, निजाचे अपुरबायेचें, इंद्रनीळ मळबाचें, भांगराच्या वोताचें, रूप्याच्या चान्याचें, पथीक उदका वाऱ्याचें, चकचयाळ पिकावळीचें सोबीत फुलां फळांचें, शिटूक सावदां सवण्यांचें, उजळ संस्कृतायेचें, खरेल्या कुळवंतांचें, पाटांगड्या विद्वानांचें, बळीश्ट झुजप्यांचें, बुदवंत राजकरण्यांचें , वावराड्या कामवटांचें, कर्तृत्वी मनशांचें अशें धर्तरीवयलो सर्ग हें म्हजें गोंय." अशें जें गोंय शणै गोंयबाबान सपनांत रंगयलां तेंच गोंय आपल्याय सपनांत रवीन्द्र केळेकारान दवरलें. त्याच गोंयाक मूर्त रूप दिवपाक तांणी सुरवेक पत्रकार ह्या नात्यान आधुनीक गोंयचे विचार मांडले.

गोंय सुटके झुजांत वांटो घेवन गोंय मेकळें केलें. त्या काळांत गोंयचे जनतचें मत परिवर्तन करपा पासत गांधी साहित्याच्यो पुस्तिका तयार करून वांटल्यो. गोंय सुटके उपरांत विलिनीकरणाचो प्रस्न आयलो तेन्ना आपल्या सपनांतलें गोंय महाराष्ट्राच्या भितोडेक रावून दीस सारपी न्हय तर स्वतंत्रपणान धनी म्हूण वावुरपी गोंय हाचें भान दवरून तांणी गोंयचें अस्तित्व राखलें. ते वेळार तांच्या सांगाताक, बाकिबाब बोरकार, मनोहरराय सरदेसाय, उदय भेंब्रे, शंकर भांडारी, व्हितोरिया फेर्नांडीस, उल्हास बुयांव सारके कितलेच सांगाती खांदाक खांद लावन तांचे वांगडा वावुरताले.

कोंकणी भास गोंयची राजभास करपा पासत तांच्या वैचारीक फुडारपणा खाल कोंकणी प्रजेचो आवाज ही संघटना जल्माक आयली. तांच्या रायटर आनी फायटर हे संकल्पनेंतल्यान तयार जाल्ल्या वैचारीक आनी साहित्यिक मार्गदर्शना खाल तयार जाल्ले नव्या दमाचे तरनाटे हे

चळवळींत आशिल्ले. अश्टताशी साहित्यकार पुंडलीक नायक हे निमंत्रक जाल्यार दिलीप बोरकार, एन.शिवदास, दत्ता श्री.नायक, तोमाझिनो कार्दोज सारकिले कितलेच रायटर, फायटर जावन तांच्या मार्गदर्शना खाल झुंजताले. तातूंतल्यानूच गोंयांक घटक राज्य मेळ्ळें जें तांच्या सपनांतलें आधुनीक अशें गोंय आशिल्लें. ह्या आधुनीक गोंयांत सगळे हिंदू, क्रिस्तांव आनी मुसलमान गोंयकार म्हूण एकवटान रावतले, गोंयचें पर्यटन, उद्देगधंदे, पर्यावरण, भावपण ह्या सगळ्यांचो सांबाळ करून गोंय हें पुराय देशांतच न्हय तर संवसारांत एक आदर्श राज्य म्हूण नामनेक पावतलें म्हणपाचें तांचें सपन आशिल्लें. तें सत्य सृश्टींत हाडपा पासत तांणी आपल्या सगळ्या साहित्यांत ते विशीं बारकायेन बरप केलां. ते फकत बरोवनूच रावले नात तर गरज पडल्या तेन्ना रस्त्यार येवन सरकाराक विरोध केलां. आपल्या सपनांतल्या आधुनीक आनी आदर्श गोंयांक जें कितें वायटाक पडटा ताका तांणी पुराय शक्तीन विरोध केला.

## 5.3 रवीन्द्र केळेकारान निर्माण केल्लें वैचारीक अधिश्ठान

गोंयचेर फाटल्या कितल्याच शतमानां सावन गोंयकारांनी केन्नाच धनीपणान राज्य केलें ना म्हणपाचो इतिहास रवीन्द्र केळेकारांक खबर आशिल्लो. परकी राजवटींचें एकार एक अवर्शण येत राविल्ल्यान कोंकणी मनीस सभावान मिंदो जाल्लो. तो आपलें स्वत्व आनी स्वाभिमान घालोवन बशिल्लो. अश्या गोंयकाराक परत स्वाभिमानी करपा पासत तांचे भितर वैचारीक परिवर्तन करपाची गरज आशिल्ली. ह्या वैचारीक अधिश्ठानाचो आरंभ शणै गोंयबाब, टि. बी. कुन्य आनी हेरांनी केल्लोच. तो वावर मुखार व्हरून पुनरूत्थान घडोवन हाडपाचे प्रक्रियेंत हें वैचारीक अधिश्ठान आनीकूय घट करपाची गरज आशिल्ली. हो वावर करपा पासत एक निश्चित वैचारीक दिका  रवीन्द्र केळेकारां कडेन आशिल्ली.  पूण तांणी गोंय सुटके झुजांत वांटो घेवन सशस्त्र क्रांती दलांत वावर सुरू केल्लो. त्या वेळार  ह्या क्रांतिकारां भितर वैचारीक अधिश्ठान ना म्हणपाचें तांच्या लक्षांत आयलें. जे चळवळीक वैचारीक बसका नासता ती चळवळ येसस्वी जावंक पावना.  ही बसका कशी तयार करप हें सोदपा पासत  र. धो. कर्वे, अरविंदो सारक्या लोकां मेरेन ते वचून आयले. शेवटाक हें वैचारीक अधिश्ठान फकत गांधी कडेनूच मेळूंक शकता

म्हूण ते वर्ध्याक गेले. तांणी थंयच्या वैचारीक आनी राष्ट्रीयत्वाच्या वातावरणांत आपली जीण संस्कारी केली. हेच संस्कार तांकां फुडाराक गोंयच्या पुनरुत्थानाच्या वावरांत उर्बा दीत रावले.

गोंयची राजभास कोंकणी जावंची आनी गोंय हें कोंकणी राज्य जावंचें म्हूण तांणी 'कोंकणी प्रजेचो आवाज' ही संघटना उबी केली. आरंभाक हे संघटनेच्या फुडाऱ्यांक वैचारीक अधिश्ठान दिलें आनी उपरांतच्या काळांत विरोधकांकूय तांणी नवो विचार दिलो. हाका लागून जे कोण मराठीच जाय असो हट्ट धरून आशिल्ले तांचें चुकीचें वैचारीक अधिश्ठान बदलून कोंकणी राज्याक तांचो येवकार मेळ्ळो.

कोंकणीच्या मळार गोंयच्या पुनरूत्थाना पासत तांणी घाल्ल्या उल्याक कितलेच तरनाटे धांवून गेले. तांकां तांणी रायटर न्हय तर फायटर जावपाची गरज आसा म्हणपाची दिक्षा दिली. तांचे उपरांतचे पिळगेंतले कितलेच लोक आमकां आज गोंय आनी गोंयां भायर आपलें नांव परजळीत करतना दिसतात. कोंकणीक दुसरे खेप ज्ञानपीठ पुरस्कार हाडिल्ले दामोदर मावजो हे रायटर म्हूण पुराय संवसारार नामनेक पावल्याच. तेच वांगडा कोंकणी भास आनी कोंकणी मनीस हांचेर अन्याय जाल्लो दिसता तेन्ना फायटर जावन ते धावून वतात. कोंकणींत पयलो सरस्वती सन्मान हाडपी महाबळेश्वर सैल हे रवीन्द्र केळेकारांच्याच मार्गदर्शनांतल्यान मुखार आयल्यात. सर्गेस्त गुरुनाथ केळेकार, रमेश वेळुस्कार, डॉ.माधवी सरदेसाय हांच्या सारख्यांनी जिवीतभर तांचो विचार आपणावनूच फुडलें पावल उडयलें. उदय भेंब्रे, नारायण मावजो, अरवींद भाटीकार, स्नेहलता भाटीकार, सुरेश आमोणकार, रजनी भेंब्रे, शीला कोळंबकार सारक्यांनी रवीन्द्र केळेकारांच्या विचारांची दीक्षा घेवनूच गोंयच्या पुनरुत्थानाच्या वावराक खांद मारलो. पुंडलीक नायक, दिलीप बोरकार, हेमा नायक, एन.शिवदास, राजू दा.नायक, आर.बी.एस.कोमरपंत, डॉ.जयंती नायक सारकी कितलींच नांवां आज रायटर आनी फायटर म्हूण पुनरुत्थानाच्या वावरांत सक्रिय आसात. ती पिळगी रवीन्द्र केळेकांरांच्या हातांतल्यान घडल्या. आज शिक्षणाच्या मळार विद्यार्थ्यां मदीं शिक्षणीक, वैचारीक तांक बळावन तांचे भितर पुनरुत्थानाचो विचार रुजयतात तातूंत रवीन्द्र केळेकार ज्ञानमंदिराचे प्राचार्य अनंत अग्नी, गोंय विद्यापीठांतले

डॉ. हनुमंत चोपडेकार, डॉ.प्रकाश पर्येकार, हेर म्हाविद्यालयांत विद्यादान करपी डॉ.भूषण भावे, डॉ. राजय पवार, डॉ. पुर्णानंद च्यारी, डॉ. प्रकाश वझरीकार हांचे सारके कितलेच आपूण रवींन्द्र केळेकारांच्या विचारांतल्यान घडल्यात म्हणपाचें अभिमानान सांगतात आनी गोंयच्या पुनरुत्थानांत योगदान दितात. ह्याच लोकां कडल्यान रवीन्द्र केळेकारांचे विचार, आचार आनी कार्य आमचे मेरेन पावता आनी आमचेय मदीं अन्याया आड झुजपाची, गोंयची राखण करपाची, साहित्य निर्मणेची उर्बा जागता. आमकां वेगवेगळया मळाचेर गोंय कोंकणीमय जालां म्हणपाचें दिसता ताचे फाटलें कारण रवीन्द्र केळेकार हांणी रुजयल्ल्या विचारांत आसा हें सत. आपल्याक मराठीवादी म्हणोवन कोंकणीचे विरोधक म्हूण जे कोण मिरयताले ते सगळे रवीन्द्र केळेकार हांचें मराठी सदर स्वगत वाचताले. तातूंतल्यान तांचें प्रबोधन जातालें. देखून तांच्या विरोधाची धार कालांतरान उणी जाली. देखून आदीं जातालो तसो विरोध कोंकणीक उरूना. जे कोण राजकी हेत बाळगून भाशेचें राजकारण खेळटात ते सोडल्यार आपूण कोंकणी मनीस, आपली संस्कृताय कोंकणी, आपली भास कोंकणी म्हणपाचें सगळया गोंयकारांक पटलां. हाचे फाटलें कारण रवीन्द्र केळेकार हांणी आपल्या बरपांतल्यान आनी भाशणांतल्यान दिल्लो विचार. ह्या विचारांतल्यानूच रवीन्द्र केळेकार हांच्या सपनांतल्या गोंयाक वैचारीक अधिश्ठान मेळूंक पावलें.

### 5.4 रवीन्द्र केळेकारान नवे पिळगेक घडयिल्लो नवो दिश्टावो

देशाचो वा गोंयचो फुडार नव्या दमाच्या तरण्या रगताकडेनूच सुगूर आसता ह्या मताचे रवीन्द्र केळेकार आशिल्ले. तांणी आपले दरेक कृतींतल्यान आनी लेखनांतल्यान सदांच नवे पिळगेकूच आपलें ‘टारगेट’ धरलां म्हणपाचें दिसता. ताचे फाटलें कारण म्हणल्यार ते जेन्ना आयचे वा येवपी नवे पिळगेच्या पिरायेचे आशिल्ले तेन्ना तांचेर विवेकानंदाचो खर प्रभाव पडिल्लो. ते सांगतात, - सतरा अठरा वर्सां म्हणल्यार भुरगेंपण सोंपलां, तरणेंपण अजून सुरू जावंक ना, ह्या संधी काळांतली एक नाजूक पिराय. हांव कितेंय तरी दिव्य भव्य करून दाखयतलों म्हणपाचो हावेसूय हेच पिरायेचेर मनांत जागो जाता. हेच पिरायेर म्हज्या हातांत विवेकानंदाचें जिवीत

पडलें...तें वाचले उपरांत ल्हंवेन ल्हंव फुलून आयली...विवेकानंदांचें सांगणें आशिल्लें, मुखावयल्या पिळग्यांक तुमी कितें दिवन वतले ? तुमच्यांत प्राण आसा, एक आत्मो आसा ताका एकनिश्ठ रावशात जाल्यार तुमी आकांताचें शक्तिशाली जातले. पुराय हिमालय हेवटेनचो तेवटेन मोखून मारचो सो दिसतलो. पुराय हिंदी म्हालसागर एका घोटांत पियेवन उडोवंक पावतले. सतरा अठरा वर्सांचे पिरायेचेर भुरग्यांक असलीं उतरां वाचूंक मेळ्ळीं जाल्यार खंयचोय प्राणवान भुरगो हिमालय हेवटेनचो तेवटेन मोखून मारपाक फुरफुरून येवंचो ना ?."[5]

रवीन्द्र केळेकारांचे तेच युवा पिरायेर विवेकानंदाचें चरित्र वाचून तांचे भितर जें कितें घडलें तेंच फुडाराक येवपी दरेक पिळगे बाबतींत घडूंक जाय अशें तांकां दिसतालें. त्या पासत नवे पिळगेक सतत नवो विचार दिवन चार्ज दवरपा पासत रवीन्द्र केळेकार हांणी नवे युवा पिळगे पासत सतत नवो विचार बरयलो. तांच्या संपर्कांत येतना तांणी आपल्या मुखामळार सदांच हांसो खेळयलो. आपूण जाचें फुडारपण करता ती पिळगी रसरशीत आनी ताजी टवटवीत उरतली जाल्यार आपणेंय तीच स्फुर्त आंगांत राबोवपाक जाय हाचेर कटाक्षान भर दिलो. आपल्याचेर जसो विवेकानंदान मोनेळ घाल्लो तसोच तो युवकांचेर पडूंक जाय म्हणपाचेर तांणी भर दिलो. नवे पिळगेचेर आपले वरींच आगळे संस्कार जावंचे  हाचेर तांचें लक्ष आसतालें. नवे पिळगेक गोंयच्या पुनरुत्थानाचो दिश्टावो घडचो म्हूण तांणी आपल्या पुराय जिवितांत जितलें म्हूण बरप केलें, चळवळी उबारल्यो, भाशणां आनी उपदेश केले तातूंतल्यान तांणी कोंकणीची निश्ठावंत अशी पिळगी तयार केली.

आयज कोंकणीच्या मळार वावुरपी जितलोय तरनाटो दिसता ताचे भितर कोंकणीची जी निश्ठा दिसता ती रवीन्द्र केळेकार हांणी तांचे भितर जागयल्लो स्वाभिमान, आत्मसन्मान आनी उर्जेचें फळ म्हणूंक जाय. आयज नवे पिळगेंतलो  लेखक म्हूण फुडें सरता तो कितेंय बरोवन तें उजवाडाक हाडीं ना. रवीन्द्र केळेकार हांणी तांकां, जें कितें बरयतात तें सारकें अणभवाचे सांडीर तिज्जून, पारखून बरोवंक जाय म्हणपाचो सल्लो दिल्लो तो मानून साहित्य निर्मणी करतात.

कोंकणीचेर जाल्लो अन्याय पळोवन ते फुरफुरून मुकार सरतात तें पळयत जाल्यार रवीन्द्र केळेकारा मदलो 'फायटर' हे नवे पिळगेंत आमकां दिसता.

### संदर्भ वळेरी


1. केळेकार, रवीन्द्र.*पांथस्थ.* डॉ. व्होल्फागुं द सिल्व्ह मार्ग, पणजी, गोंय.400013 :राजहंस ऑफसॅट, 2000. पा.क्र. - 18.
2. केळेकार, रवीन्द्र. *नवी शाळा.* प्रियोळ, म्हाड्डोळ, गोंय. गोमंत भारती प्रकाशन, 26 जानेवारी 1962. पा.क्र. – 5-6.
3. केळेकार, रवीन्द्र. *शाळेंत कोंकणी कित्याक जाय ?* मडगांव, गोंय. : कोंकणी भाशा मंडळ, 1962. पा. क्र. – 1- 2.
4. केळेकार, रवीन्द्र. *कषाय मधुर.* पाजीफोंड, मडगांव- गोंय. 403601 : जाग प्रकाशन, 27 मे 2010. पा.क्र. – 220-221.
5. आदलोच संदर्भ: *पांथस्त.* पा.क्र.- 24.

# सवें प्रकरण

## समारोप आनी निश्कर्श

# सवें प्रकरण – समारोप आनी निश्कर्श

## 6.1 समारोप आनी निश्कर्श

### 6.1.1 समारोप

**कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थाना पासत रवीन्द्र केळेकार हांचें योगदान** ह्या विशया वयल्या म्हज्या ह्या सोदप्रबंधांत स प्रकरणां आस्पावल्यांत.

म्हज्या सोदवावराचो हो विशय, गोंयचो विस्कळीत समाज पर्थून मूळ पदार हाडपा पासत ज्या युगप्रवर्तकांनी प्रयत्न केलो तातूंत रवीन्द्र केळेकार हांचें कितलें योगदान आसा आनी तातूंत तांकां कितले मेरेन यश आयलां हाचो अलिप्तपणान केल्लो हो अभ्यास. ह्या विशयाचेर सोद वावर करपाचो मनांत विचार आयलो,कारण आज कोणूय उठतात आनी गोंय, गोंयकार, गोंयकारपण म्हूण आमकां भुलयतात. पूण आपणें गोंयच्या गोंयकारपणा पासत म्हणल्यार गोंयच्या पुनुरुत्थाना पासत कितें योगदान दिलां हाची जाप मात तांचे कडल्यान आमकां मेळना. म्हजे सारके विद्यार्थी आपले आवय भाशेंतल्यान शिक्षण घेवपा पासत वा हेर कामां पासत कोंकणीच्या मळार येतात तेन्ना, आमी कोंकणी पासत हें केलां आनी तें केलां अशें कितलेच जाण आमकां सांगतात. आमचे उपरांत तुमीय तशेंच करूंक जाय म्हणपाचो सल्लोय दितात. पूण आमी कोणाच्या मार्गदर्शना खाल हें करूंक जाय हाची आमकां वाट दाखयनात. आज आमच्या सारक्यांक भुलोवन आपल्या कळपांत व्हरपाचो काळ उरूंक ना. आमी स्वतंत्रपणान विचार करतात आनी आमकां आमच्या गोंयची राखण करपाक जाय, ताचो मान राखपाक जाय. आमच्या पुर्वजांनी आपल्या कर्तृत्वान गोंयचें नांव दिगंताक पावयलां. अशे तरेचें काम आमी करूंक जाय अशें म्हाका दिसता. अशे वगतार आमी कोणाच्या पावलार पावल घालून मुखार वच्चें असो प्रस्न उप्रासता तेन्ना 'रायटर आनी फायटर' म्हूण जांकां पाचारतात तांचो विचार आपसूक येता. तेच पासत तांचो वावर समजून घेवपाक हो म्हजो अभ्यासाचो विशय म्हत्वाचो आसा अशें म्हजें मत.

फाटलीं कितलींच शतमानां गोंयचेर आक्रमणां जालीं, तीं परतावन लावपा खातीर जाल्ले प्रयत्न, ताचें अपेस आनी जैत ह्यो गजाली अभ्यासून ह्या पांचूय प्रकरणांत तांची चर्चा केल्ली आसा.

ह्या प्रकरणांत इतिहासाचो फाट पुरावो करून जें कितें म्हज्या हाताक लागलें आनी कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थाना पासत जांणी वावर केलो तें ह्या प्रकरणांत हांवें मांडलां.

गोंयचो इतिहास खुबश्या इतिहासकारांनी सोदून काडला. शणै गोंयबाबान दीस रात बैठक मारून फाटल्या अडेज हजार वर्सांचो कोंकणी मनशाचो इतिहास, वांठार, संस्कृताय, कोंकणी समाजाचें विस्कळीतपण, धर्मांतरण, स्थलांतरण, इंक्विझिशन, पुनरूत्थानाच्या काळाचो आरंभ ह्यो सगल्यो गजाली – **कोंकणी समाज आनी ताच्या पुनरूत्थानाची गरज** ह्या पयल्या प्रकरणांत मांडल्यात.

आज मेरेनच्या गोंयच्या इतिहासांत गोंयचो आनी कोंकणी समाजाचो हुसको बाळगून ज्या ज्या लोकांनी वेगवेगळया सत्तांक विरोध करून तशेंच वैचारीक बुन्यादिचो केल्लो वावर हांवें पयल्या प्रकरणांत आसपावीत केला.  ह्या प्रकरणांतलो सोद वावर इतिहासाच्या आदाराचेर आशिल्ल्यान तातूंत तर्क करपाक वाव ना. सगल्या घडणुकांची विस्कटावणी इतिहासकारांनी केल्ल्यान इंक्विझिशन कशें जालें  आनी तातूंतल्यान एकवटीत कोंकणी समाज कसो दुभंगलो हाचें चित्र दोळयां मुखार रावता आनी ताच्यो कुरवो आजूय आमकां दिसतात. समाजाक आयिल्लें हें विस्कळीतपण परत सांगपा पासत कुन्य रिव्हार, दाल्गाद, त्रिस्तांव ब्रागांझ कुन्य, शणै गोंयबाब, माधव मंजुनाथ शानभाग हांच्या जिवीत आनी कार्याची वळख ह्या पयल्या प्रकरणांत घडयल्या.

हें प्रकरण पुनुरुत्थानाची गरज कित्याक उप्रासली हाची म्हायती आनी ताचे फाटलीं कारणां जाणां जावन घेवपा पासत आसा. देखून हांवें हांगा फकत त्या विशयाक स्पर्श केला. जांकां कोणांक चड जाणून घेवपाचें आसल्यार तांणी  म्हजो सोदप्रबंद चाळूं येता.

**रवीन्द्र केळेकार जीवीत आनी कार्य** हें दुसरें प्रकरण  पुरायेन रवीन्द्र केळेकार हांच्या जिवीताचेर आनी कार्याचेर निंबून आसा.  रवीन्द्र केळेकार जरी जिवीत आख्यायिका थारल्या तरी तांच्या सांगाताक वावुरिल्ले, तांच्या लागीं भासाभास केल्ले तशेंच तांच्या लागीं प्रत्यक्षांत उलयिल्ले लोक आज आमचे मदीं आसात म्हणटकच रवीन्द्र केळेकार हें व्यक्तिमत्व अजून तशें इतिहास जमा

जावंक ना. तांच्या साहित्याक लागून, तांच्या यादींक लागून आनी तांणी वैयक्तीक आनी सांघीक रुपान जितलींय कार्यां केलीं ताका गवाय आशिल्ले लोक आमचे मदीं आयज आसात. तांच्या कार्याच्यो कुरवो आनी तातूंतल्यान मेळयल्लें येस आमी पळयतात. म्हणटकच अशे हे व्यक्तिचें भुरगेंपण, तांचें शिक्षण, तांचो इश्ट परिवार, तांचेर पडिल्लो प्रभाव, तांकां जाल्लो साक्षात्कार तशेंच तातूंतल्यान तांणी कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थाना पासत ओपिल्ली जीण ह्या दुसऱ्या प्रकरणांत विस्तारान येता.

गोंयच्या आनी कोंकणी समाजाच्या पुनरुत्थानाचो वावर अजून पुर्णायेक पावूंक ना. आज आमी सरभोंवतणी आमच्या समाजा कडेन पळयतात तेन्ना आमकां ताची कल्पना येता. हो वावर आमकां मुखार व्हरपाचो आसा हाची जाणविकाय जाता. तेच पासत रवीन्द्र केळेकारांच्या जल्मा वेळार आशिल्लें वातावरण, तत्कालीन परिस्थिती, कुटुंबाचो प्रभाव, घरांतले आनी भायले तांचेर जाल्ले संस्कार, तातूंतल्यान तांची जाल्ली मानसीक घडण, तांणी आपलें कार्यक्षेत्र सोदून काडपा पासत तांचें जाल्लें मतपरिवर्तन ह्यो सगल्यो गजाली म्हत्वाच्यो आसात.

आमकां जर कितेंय भव्यदिव्य करपाचें आसत जाल्यार कितें करपाचें आसता ताची देख ह्या प्रकरणांत हांवें दिल्या. व्हड कामाक माथें मारतलो जाल्यार हात कामरून बसूंक फावना. धडपड करूंक जाय हाच्यो देखी ह्या प्रकरणांत आसात. खंयचेंय व्हड काम करपाक आरंभ करचे आदीं आपली एक वैचारीक बैठक थारावंक जाय. रवीन्द्र केळेकार हांणी तरणे पिरायेर विवेकानंदांचें चरित्र वाचून स्फूर्त घेतली. कर्वे, अरविंदो, विनोबा भावे आनी त्या मुस्तींतल्या हेर बुदवंतां लागीं चाचपडून तांणी आपल्याक वैचारीक मार्गदर्शन मेळटा काय तें सोदलें. सगळ्यांक तर्जून शेवटाक गांधी होच सत्य मार्ग म्हणपाचें सोदून काडलें. तांची जाल्ली मनाची तयारी हांवें ह्या प्रकरणांत मांडल्या.

समाजांत जर बदल घडोवन हाडटलो वा पुनरूत्थान करपाचे नदरेन वावराक माथें मारतलो जाल्यार तें करूंक सदळ हात वापरूंक मेळूंक जाय. पूण जो कोण बरें करूंक सोदता ताका मजत करपा बदला आडमेळीं हाडपाचें काम सत्ता करता. मराठीचे उदरगती पासत ज्ञानेश्वरान खांद मारलो

तेन्ना त्या काळच्या संस्कृत हीच देवाची भास मानपी ब्राह्मणांनी खर विरोध केलो. शणै गोंयबाबान कोंकणीचें दैन पयस करपाक आरंभ केलो जाल्यार मराठी समर्थकांनी ताका पिडापीड भोगयली. हें असले विकृतीक लागून केल्लो सगळो वावर मातयेभरवण जावन उमथ्या कळश्यार उदक थारता. तातूंत गोंय हें सदांच परके राजवटी खाला आशिल्ल्यान गोंयचेर कितल्याच शतमानां सावन अरिश्टां येत रावल्यांत. ज्यो राजवटी येताल्यो त्यो सत्तेच्या नाड्यार समाजाक पिडटाल्यो, देखून सत्तेआड पुनरूत्थान करपाचें शक्यूच नाशिल्लें. त्या पासत पुनरूत्थान करप्यां मुखार मोख आसता ती समाजाक परक्यांचे गुलामींतल्यान मुक्त करप. **पुनरूत्थाना पासत गोंय मुक्तीची गरज** ह्या म्हज्या तिसऱ्या प्रकरणांत गोंयचेर चार शतमानां राजवट चलयत आयिल्ल्या पुर्तुगेज सत्तेच्या छळाचो संक्षीप्त इतिहास सांगला, तो छळ मोडून काडपा खातीर जाल्ले प्रयत्न, रवीन्द्र केळेकार हांचो गोंय मुक्तीलढ्यांतलो सहभाग आनी गोंय मुक्त जाले उपरांत तांणी येवजिल्ली भाशीक, साहित्यीक, सामाजीक, अर्थीक नदर ह्या म्हज्या तिसऱ्या प्रकरणांत अचुकपणान दिवपाचो यत्न हांवें केलां. तो करतना वेगवेगळ्या घडणुकांचो तपशील तांच्या साहित्यांतल्यान घेवन तांचो संदर्भ म्हूण ह्या प्रकरणांत वापर जाला. ह्या प्रकरणांत परजळीत गोंय आनी कोंकणी समाज हाच्या पुनरूत्थानाचो आराखडो तयार केल्लो आसा.

चवथें प्रकरण रवीन्द्र केळेकार : **रायटर आनी फायटर संकल्पना आनी कार्य** ह्या माथाळ्या खाल आसा. रायटर आनी फायटर ही संकल्पना फकत गोंयांत अस्तित्वांत आयली. पुराय संवसारांत मनीस कुळयेक आपल्या हक्का पासत झगडचेंच पडलां. झगडल्या बगर आपल्या हक्काचें कांयच केन्ना हाताक लागना हो आमचो इतिहास. ही झगडपाची स्फुर्त मनीसजातीक रायटर म्हणल्यार लेखक आपल्या बरपांतल्यान दिता. जगभरचो इतिहास आज मेरेन हेंच सांगत आयला. गोंयचो इतिहास पळयत जाल्यार, गोंयचे जनतेक हे आदीं विशेश अशें झगडचें पडलां म्हणपाचें खंयच दिसना. कोंकणी समाज सदांच मेंगेपणांत जियेल्लो दिसता. ताचें वर्णन बरपांत आयलां, पूण ताच्या प्रभावान कोण पेटून उठिल्लो दिसना. तेच पासत ह्या लोकांक जागे करून तांच्या स्वाभिमानाक हात घालपाचें काम खासा लेखकाकूच करचें पडलें. फायटर जावन सगळ्यांनी आतां फायट दिवपाचो काळ आयला असो संदेश दिवंचो पडलो. हो संदेश दिवपाचें

काम 21व्या शतमानांत रवीन्द्र केळेकार हांकां करचो पडलो. तो कसो करचो पडलो हाचो इतिहास रवीन्द्र केळेकारांच्या जिवितांतल्यान आमकां  जाणून घेवंक मेळटा. खास करून रायटर म्हणल्यार लेखक चार वणटी भितर बसून लेखन करतात. हांगां पयलेच खेप खासा रायटर हो फायटर जाता आनी झुजल्या बगर हाताक कांयच लागना म्हणपाचें सांगता. सांगुनूच ओगी रावना जाल्यार आपले कृतीन तें सिद्ध करतात.

आपली जल्मभूंय स्वतंत्र करपा खातीर तांणी लढो दिलो. स्वतंत्र जाल्ली जल्मभूंय आपलेच लोक हातासतात आनी सांस्कृतीक गुलाम करूंक पळयतात त्या आडूय तांणी लढो दिलो. आपली भास आसुनूय तिका वायट परिस्थितींत दीस सारचे पडटात हें पळोवन तिका मानाची सुवात दिवपाक लढो दिवंचो पडलो.  आपलें साहित्य आसतना ताका कुस्कुटावन हेर भासांतलें साहित्य तोखेतात तें पळोवन आपल्या साहित्याक राष्ट्रमान्यताय मेळोवपा पासत लढो दिवचो पडलो. ह्यो सगळयो गजाली ‘फायटर’ म्हूण करपा वांगडाच ‘रायटर’ म्हणुनूय आपल्या बरपांतल्यान ते प्रबोधन करीत आयल्यात.  हाची  म्हायती चवथ्या प्रकरणांत हांवें मांडल्या.

खंयचींच चळवळ मागीर ती पुनरूत्थानाची आसूं तिका वैचारीक अधिश्ठान लाबले बगर ती घटाय घेना. हाची कल्पना रवीन्द्र केळेकार हांकां आशिल्ल्यान आपल्या उलोवपांतल्यान, चिंतनांतल्यान, बरपांतल्यान तांणी कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थानाच्या वावराक वैचारीक अधिश्ठान दिलें. तांच्या आदीं कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थानाक हात घालून शणै गोंयबाब आनी हेरांनी बुन्याद घाल्लीच. पूण ते बुन्यादीचेर इमारत उबारतलो जाल्यार शणै गोंयबाबान सगले तरेचो गडगंज पुरावो एकठांय केल्लो तो समजून घेवन हेरां मेरेन पावोवपाक तितलेच तांकीचे वावुरपी जाय आशिल्ले.  चळवळी खातीर असल्या वैचारीक अधिश्ठानाची गरज आसा म्हणपाचें रवीन्द्र केळकारांक  विवेकानंद, गांधी, लोहिया हांच्या सारख्यांच्या वैचारीक प्रभावांतल्यान समजल्लें. तेच पासत पुराय शणै गोंयबाब समजून घेवन तांणी पचयलो.  हेंच वैचारीक अधिश्ठान  कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थाना पासत रवीन्द्र केळेकारान आपल्या साहित्यांतल्यान दिलें. ही सगळी खबर हांवें **पुनरूत्थानाचें वैचारीक अधिश्ठान** ह्या माथाळ्या खाला पांचव्या प्रकरणांत घेतल्या.

कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थाना पासत रवीन्द्र केळेकार हांचें योगदान ह्या सोद प्रबंधांत वेगवेगळ्या युगप्रवर्तकांचो आपरोस घेतला आसलो तरी फकत रवीन्द्र केळेकार हांच्याच वावराचेर भर हांवें दिला. ताचें कारण म्हणल्यार ह्या सोद प्रबंधाचो रवीन्द्र केळेकार केंद्रस्थान आसात. हेर जांचीं नांवां पुनरुत्थानाच्या पर्वाचो आरंभ म्हूण घेतल्यांत तातूंतलीं त्रिस्तांव ब्रागांझ आनी शणै गोंयबाब हीं दोन नांवां सोडल्यार हेरांचो वावर तसो विशेश धोक्याचो नाशिल्लो. धर्मप्रसार आनी पुर्तुगेजाचे सेवेंत रावन तांणी हो वावर हातांत घेतिल्लो. त्रिस्तांव ब्रागांझान सरकाराचो आनी आपल्याच धर्माच्या लोकांचो रोश पत्करून ह्या वावराक हात घालो. शणै गोंयबाबान जाल्यार त्या काळची बऱ्या पगाराची नोकरी सोडून पुनरुत्थानाच्या वावराची बुन्याद घालूंक आपलें योगदान दिलें. तांच्या वावराचो ब्रिटीश सरकाराक त्रास जावपा सारकें कांयच नाशिल्लें. पूण रवींन्द्र केळेकारान पंदरा-सोळा वर्सांचे पिरायेर पुर्तुगेजां आड कारवायो सुरू केल्ल्यो. अठरा वर्सांचे पिरायेर सशस्र क्रांतीचीं सपनां पळयत शाळांक उजो घालूंक आरंभ केल्लो. ह्या वेळार तांकां जिवाचीय भिरांत आशिल्ली. पुर्तुगेज सरकार तांकां मोझांबीक जावं हेर कडेन काळ्या पाणयांची ख्यास्त भोगपाक धाडटले आशिल्ले.

तांचे पिरायेचे हेर तरनाटे आपलें शिक्षण पुराय जाले उपरांत नोकरी आनी संवसाराक लागपाचो विचार करताले. जाल्यार रवीन्द्र केळेकार पुनरुत्थानाच्या वावराक वैचारीक बैठक सोदपा पासत राष्ट्रीय विभुतींच्या सोदाक लागिल्ले.

हो सगळो तांचो वावर पळयत जाल्यार तांणी कोंकणी समाजाच्या पुनरुत्थाना पासत त्यागाची जीण पुराय विचारान आपणायल्ली. तांचें जिवीत आनी वावर पळयत जाल्यार घडपाचे पिरायेर तांचेर विवेकानंदांनी मोनेळ घाल्लो. तांच्या ह्या सगळ्या वावरांतल्यान हांवें निश्कर्श काडला तो सकयले प्रमाण आसा :

### 6.1.2 निश्कर्श

रवीन्द्र केळेकार हें गोंयांक पडिल्लें एक सुंदर सपन, रवीन्द्र केळेकार म्हणल्यार एक जिवंत आख्यायिका, रवीन्द्र केळेकार ‘रायटर आनी फायटर’, केळेकार हांणी गोंयकारांचो स्वाभिमान

जागोवन कोंकणी भाशेच्या आंगां वयलीं पिजकीं लक्तरां काडून तिचे आंगार तरातरांचे अळंकार आनी माथ्याक मुकूट चडोवपाचें काम केलें. हाचोच अर्थ केळेकार हांणी कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थानाचो विचार मूळ धरतालो ताका मूर्त रूप दिवपाचें काम एक मिशन म्हूण सुरू केलें आनी आपले हयातितूच तो वावर पुराय करून दाखयलो. त्या वावराचीं फळां कोंकणी समाज चाखतात तेंय पळोवपाचें भाग्य तांकां लाबलें.

1. कोंकणी समाज हो हेर समाजा सारकोच एक गडगंज संस्कृती लाबिल्लो समाज. पूण हो समाज गोंय ह्या प्रांतांत वसलेल्यान तशेंच हो प्रांत सैमीक नदरेन सुंदर आशिल्ल्यान ती सोबीतकाय त्या प्रांताक नडली. कितल्याच भायल्या राजवटींनी ह्या प्रांताचेर हल्लो केलो आनी आपली सत्ता चलयली. हाका लागून हे भुंयेवयलो समाज अरिश्टां येत राविल्ल्यान तो थकलो आनी मेंगो जालो.
2. वैयक्तीक रूपान ह्या समाजांतले कितलेच लोक संवसाराच्या हेर भागांत पावले आनी तांणी आपल्या कर्तृत्वान नामनां जोडली. पूण आपले भुंयेचेर एकवटीतपणान वा धनीपणान राज्य करपाचें स्वत्व तांचे भितर नाशिल्लें. सदांच सत्ताधाऱ्यांची सायबाजात्रा करीत पोट भरप हीच हांची मोख थारली.
3. सोळाव्या शतमानांत जेन्ना पुर्तुगेजांनी गोंयचेर राजवट सुरू केली तेन्ना हे पिडापिडीचो अतिरेक जालो. आनीक सोंसप शक्य ना म्हूण आपली साठली पोटली आनी देव घेवन हो समाज जळामळाक गेलो. जे कोण गोंयांत रावले तातूंतलीं कितलींच कुटुंबां धर्मांतराक लागून विस्कळीत जालीं. तांकां आपलें दुभंगलेलें जिवीत जियेल्या बगर पर्याय नाशिल्लो. सत्तेर आशिल्ल्यांक बरें मागून पोट भरप इतलेंच ह्या लोकां पासत जिवीत आशिल्लें.
4. आयज लोकशायेंत लेगीत सत्ते मुखार शाणेंपणा कोणाचीं चलनात. आज कोंकणी भाशेचे उदरगती खातीर कोंकणी समाज कितल्योच मागण्यो सरकाकडेन करता. तरीय सरकार बाडगना. कित्याक तांकां पुनरुत्थानाचें पडूंक ना.

5. आयचो काळ वैचारीक नदरेन समजुतदार आनी प्रगल्भ आसुनूय जर ही अशी गजाल, जाल्यार सोळाव्या शतमानांत सरकारा कडेन प्रजेन कितें मागप जावं ते पासत आग्रो धरप ही गजालूच धाडसाची असो तर्क काडूंक शकतात.

6. आयज जर ही परिस्थिती जाल्यार ज्यो राजवटी परके सुवाते वयल्यान हे भुंयेंत आयल्यो तांकां हांगच्या मनशां विशींची कसलीच लागणूक आसत अशें दिसना. म्हणटकच अश्या लोकांकडल्यान पुनरूत्थानाची वा एकवटीत कार्याची अपेक्षा बाळगप समा न्हय. जो कोण ह्या वावराक फुडारपण घेता ताका मरणा बगर दुसरी ख्यास्त नासताली.

7. जांची क्रिस्तांव धर्माकडेन लागणूक आसा तांणी पुर्तुगेज सत्तेकडेन थेट दुस्मानकाय घेनासतना कोंकणी समाजाक वैचारीक जागृताय हाडपाचो वावर आरंभ केलो.तांच्या वावराची तुळा पुनरुत्थाना कडेन करूं येता काय कितें हो प्रस्न आसा.

8. कुन्य रिव्हार हे पुर्तुगेज विद्वान आनी इतिहासकार. कोंकणी आनी मराठी भासांचे ते जाणकार. तांणी सरकाराच्या आड वचनासतना कोंकणी समाजाक फकत एक संदेश दिलो – तुमी आपले आवयभाशेचो अभिमान बाळगात. धर्मांतराच्या पिशेंपणांक लागून जें सरकार कोंकणीक मर्णाचें फर्माण दिवपाचें कार्य करता त्या काळांत कोंकणी विशीं अशें सांगप हें लेगीत धारिश्ट्याचें. ते गोंयच्या राजपालाचे सचीव जाल्ल्यान तांणी अशें धारीश्ट करप हें तितलें मोठेपणाचें अशें म्हाका दिसना.

9. आयचो लिपीवाद पळयत जाल्यार दाल्गादाचें लिपी विशींचें मत आयच्या काळार नागरी लिपीचो आग्रो धरप्यांक आपले वटेनचें दिसप साहाजीकच.पूण धर्म प्रसाराक उपाय ना म्हूण कोंकणी भाशेचो आदार घेवपी ह्या धर्मोपदेशाक कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थानाचो घटक मानप हें कितलें मेरेन समा जातलें तें म्हाका कळना.

10. एदुवार्द झुजे ब्रुन द सौझ हाका मात आमी ते पदवेक बसोवं येता. तो खासा पत्रकार आशिल्लो. तांणी वर्तमान पत्र चलयलें, जायत्या बरोवप्यांक विचार मांडपाक प्रोत्साहन दिलें.

*क्रिस्तांव घराबो* हाचे सारकी  कादंबरी बरोवन क्रिस्तांव समाजांत विचार करपाक लावपाची एक संद घेवप ही म्हजे नदरेन कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थानाच्या वावराक जाणविकेन मारिल्लें एक पावल अशें म्हाका दिसता.

11. त्रिशतांव ब्रागांझ हांणी पत्रकार म्हूण व्हड वावर केलो. लोकांक जागोवपाचोय हो तांचो वावर पत्रकारीतेंत सदांच उरतलो. आजाद गोवा, फ्रि गोवा अशीं नेमाळीं चलोवन लोकां मदीं वैचारीक परिवर्तन हाडपाचो वावर केलो. तो पुनरूत्थानाचोच वावर आशिल्लो.

12. त्रिस्तांव ब्रागांझाचें इतिहासांत अज्रंवर थारतलें तें *डिनेशनलायझेन ऑफ गोवन्स* हें तांणी बरयल्लें एक सुपुल्लें पुस्तक. आज लेगीत ह्या पुस्तकाक काळाचें मुल्य आसा. कित्याक देशभश्टेपणाची ही प्रक्रिया आयजूय गोंयांत घडटा जी कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थानाक मारक थारता. खऱ्या अर्थान होच वावर पुनरूत्थानाच्या बुन्यादीचो अशें म्हाका दिसता.

13. उपरांतच्या काळांत शणै गोंयबाबान कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थानाच्या बुन्यादी पासत संशोधन करून इतिहासाचो  गडगंज पुरावो तयार केलो. फुडाराक जो कोण विस्कळीत कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थाना पासत वावर करतलो ताचे पासत शणै गोंयबाबाचो वावर भोवच आदाराचो थारलो.

14. रवीन्द्र केळेकार हांचे सारके कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थाना पासत मुखार आयले ते शणै गोंयबाबान केल्ल्या ह्याच संशोधनाच्या बळाचेर. पूण शणै गोंयबाबाचें हें कार्य पुनरूत्थानाची जी इमारत फुडाराक उबी जावपाची आशिल्ली ताची बुन्याद हें म्हाका नक्कीच म्हणन दिसता.

15. शणै गोंयबाबा उपरांत रवीन्द्र केळेकारान कोंकणी समाजाच्या पुनरूत्थानाक मारिल्लो खांद हो सगळ्यांत सशक्त अशें म्हजें मत जाला.

16. हांव शणै गोंयबाब वा ताचे आदले युगप्रवर्तक आशिल्ल्याचें म्हत्व मात्तूय उणें अशें हांव म्हणना. त्या त्या काळार तांणी आपलो वावर केलो. शणै गोंयबाबान केल्लो वावर हो संशोधनाचो मुखार जो कोण कोंकणी समाजाक वयर काडपाचो आसा तांचे पासत तांणी विरोधकांक जाप दिवपाचे सगळे मुद्दे एकठांय केल्ले.

17. शणै गोंयबाबाच्या संशोधनाच्या आदाराचेर रवीन्द्र केळेकारान फुडें जो वावर केलो तो घसशीत बरो आशिल्लो. आपूण आपलें पुराय जिवीत कोंकणी पासत दितलो असो तांणी निश्चेव केल्लो तो निमणे मरेन पाळ्ळो.

18. शणै गोंयबाबन इतिहासाचो सोद घेतलो. रवीन्द्र केळेकारान संवसारांतल्या संस्कृतीचो सोद घेतलो. भारतीय संस्कृतायेची साधना करून खोलायेन आपलें मत तयार केलें.

19. गोंयची सुटके झुजांत निर्भिडपणान वांटो घेवन सुटके झुजांतल्या क्रांतीकारी गटाक वैचारीक बैठक ना म्हणपाचें परखडपणान सांगलें. ती दिवपाची जापसालकी आपणें घेतली.

20. गोंय मुक्त जाले उपरांत गोंयच्या शिक्षणाकडेन खाशेलें लक्ष दिलें आनी शिक्षणाचेर गांभिर्यान विचार केलो.

21. गोंयचें विलीनिकरण करून संवसाराच्या नकाश्या वयलें गोंय सासणाचें काडून उडोवपाचें थारलें तेन्ना रवीन्द्र केळेकार किंवाट्यान पेटले. तांणी लेखन, भाशण आनी चळवळ अश्या सगल्या मार्गान गोंय उचंबळीत केलें आनी ह्या निर्णया आड तांकां पेटोवन घालें.

22. गोंयच्या पर्यावरणाचो, संस्कृतायेचो, अर्थवेवस्थेचो आनी एकवटाचो इबाड जावंचो न्हय म्हूण सगळे विशय आपल्याक लावन घेतले आनी त्या विशयांचेर नेमाळ्यांनी अभ्यासपूर्ण लेख बरोवन जनमत तयार केलें.

23. मेकळ्या गोंयांत गोंयकारांक दुय्यम दर्जो मेळटा तो मेळूंक फावना म्हूण कोंकणी राज्य जावचे पासत तांणी चळवळ उबी केली. कोंकणीचें घटक राज्य लोकांच्या बळार निर्माण केलें.

24. कोंकणी ही ल्हान भास न्हय ती सगळ्या गुणांनी हेर भासांचे पंगतीक बसल्या तेन्ना तिका राष्ट्रमान्यता फावता. अशें सांगून तिका राष्ट्रीय मान्यताय मेळयली.

25. कोंकणींक तांणी पयलो साहित्य अकादेमी पुरस्कार हाडलो. तशेंच पयलो ज्ञानपीठूय तांणीच हाडलो. तांणी आपल्या बरपांतल्यान साहित्याचे सगळे विचार केळयले आनी

कोंकणी मनीस खंयचेंच तरेन फाटी ना म्हणपाचें आपल्या गडगंज साहित्यांतल्यान दाखयलें.

26. आयच्या कोंकणी समाजा कडेन हांव चौकस नदरेन पळयतां तेन्ना केळेकारांन केल्लो वावर तसो पुर्णायेक पाविल्लो दिसना. कोंकणी समाजाचें पुनरुत्थान अजून जावपाचें आसाआनी तें आमच्या सारक्या तरनाट्यांचें काम ह्या मता कडेन हांव पावलां.

27. जिविताच्या अखेर मेरेन तांणी फकत गोंय आनी कोंकणी समाज हाचो विचार करून गोंयच्या पुनरूत्थानापासत आपली जीण घाली.वअशी ही व्यक्ती फकत मर्यादीत सोद प्रबंधाचो विशय न्हय तर तांचें भोव आयामी आनी भोव कर्तृत्वी जिवीत पळयत जाल्यार तांच्या पुराय जिविताचेर कितलेच प्रबंध बरोवं येतात म्हणपाची ह्या तांच्या अभ्यासांतल्यान जाणविकाय जाता.

ह्या म्हज्या वावराची देख घेवन विद्यार्थी फुडाराक हे नदरेन वावुरतले आनी कोंकणी समाजाच्या, गोंयच्या पुनरुत्थाना पासत खांद मारतले हाची म्हाका खात्री आसा. ते पासत हो म्हजो सोदवावर तांकां मार्गदर्शक थारलो जाल्यार ह्या वावराचें जैत जालें अशें हांव समजतां.

# आदारावळ

## कोंकणी


1. केळेकार, रवीन्द्र. *नवी शाळा*. प्रियोळ, म्हाड्डोळ, गोंय. गोमंत भारती प्रकाशन, 26 जानेवारी 1962.
2. केळेकार, रवीन्द्र. *शाळेंत कोंकणी कित्याक जाय ?* मडगांव, गोंय. : कोंकणी भाशा मंडळ, 1962.
3. केळेकार, रवीन्द्र.*पांथस्थ*. डॉ. व्होल्फागुं द सिल्व्ह मार्ग, पणजी,गोंय.400013 :राजहंस ऑफसॅट, 2000.
4. केळेकार, रवीन्द्र.*सर्जकाची आंतरकथा*. प्रियोळ, म्हाड्डोळ- गोंय.403404 : जाग प्रकाशन, 2000.
5. केळेकार, रवीन्द्र. *कषाय मधुर*. पाजीफोंड, मडगांव- गोंय. 403601 : जाग प्रकाशन, 27 मे 2010.
6. चोपडेकार, डॉ. हनुमंत.*कोंकणीची राजभास चळवळ: एक समाजभासविज्ञानी मुल्यांकन*. ताळगांव,गोंय:गोंय विद्यापीठ,2014-2015.
7. देसाय,श्रीपाद रघुनाथ.*कोंकणी शब्दकोश(दुसरो भाग)*. पेडणें,गोंय. :श्रीसीताराम प्रकाशन,1983.
8. देसाय, गुणाजी, चोपडेकार, हनुमंत (सं). *रायटर आनी फायटर रवीन्द्र केळेकार*. मडगांव,गोंय: बटुकाका स्मृती प्रतिष्ठान, 2012.
9. नायक,जयंती (संपादक).*अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या अध्यक्षांचीं भाशणां*. सांतइनेज,पणजी -गोंय: अखिल भारतीय कोंकणी परिशद, 2016.
10. बोरकार,दिलीप.*भारतीय भासांचें साहित्य घडोवपी रवीन्द्र केळेकार*. नवी,दिल्ली: साहित्य अकादेमी, 2021.
11. भेंब्रे, उदय.*व्हडलें घर*. दत्तवाडी, सांगें, गोंय 403704: संजना पब्लिकेशन्स,2021.

12. मावजो, दामोदर.*फिनिक्साचें उत्थान आनी सर्जकाचे उत्फर्के*. घोगळ, मडगांव,गोंय.403713 :पब्लिशिंग नॅक्स्ट, 2019.

13. वर्दे वालावलिकार, शांताराम (संपादक). *समग्र शणै गोंयबाब (खंड 2 )*. बोरी, फोंडें :गोवा कोंकणी अकादेमी, जून 2003.

14. वेरेंकार,श्याम (संपादक).*कोंकण भास, साहित्य आनी संस्कृताय*. विद्यानगर,मडगांव, गोंय: कोंकणी भाशा मंडळ, मार्च 2003.

15. सरदेसाय, डॉ.मनोहरराय (मुखेल संपादक).*कोंकणी विश्वकोश (खंड पयलो*). ताळगांव,गोंय 403002:गोवा विश्व विद्यालय,1991.

16. सरदेसाय,माधवी.*मंथन*. पाजीफोंड,-मडगांव गोंय: जाग प्रकाशन, मार्च 2012.

## मराठी

1. नाडकर्णी, आनंद रामकृष्ण. *ज्ञानेश्वरींतील शब्दांचा कोंकणी बोलींत शोध*. दादर, मुंबई :मराठी संशोधन मंडळ 400014, मे 1981.

2. मजुमदार,सत्येंद्रनाथ. (अनुवाद)स्वामी शिवतत्वानंद.*स्वामी विवेकानंद ह्याचे चरित्र*. धंतोली,नागपूर: रामकृष्ण आश्रम, ऑगस्ट 1980.

3. संगवे, डॉ.विलास.*समाजशास्त्र*. 35 सी ताडदेव रोड, मुंबय 34:पॉप्युलर प्रकाशन, मार्च 1972.

4. सरदेसाय, डॉ.मनोहरराय (मुखेल संपादक).*कोंकणी विश्वकोश (खंड पयलो*). ताळगांव,गोंय 403002:गोवा विश्व विद्यालय,1991.

5. सरदेसाई, मनोहर हिरबा.*गोवा दमण दीव स्वातंत्र्यलढ्याचा इतिहास (खंड 1)*. पणजी,गोंय: क्रिडा व सांस्कृतिक संचालनालय, 1986.

6. प्रभुदेसाई, डॉ.वि. बा.*सतराव्या शतकातील गोमंतकी बोली*.कोट, मुंबई: मुंबई विश्वविद्यालय,1963.

**नेमाळीं**


1. केळेकार, रवीन्द्र (सं). *जाग* फेब्रुवारी. प्रियोळ, गोंय: जाग प्रकाशन, 1991.
2. केळेकार, रवीन्द्र (सं). *जाग* डिसेंबर. प्रियोळ, गोंय: जाग प्रकाशन, 1993.
3. केळेकार, रवीन्द्र (सं). *जाग* मे. प्रियोळ, गोंय: जाग प्रकाशन, 1993.
4. केळेकार, रवीन्द्र (सं). *जाग* जानेवारी. प्रियोळ, गोंय: जाग प्रकाशन, 1997.
5. केळेकार, रवीन्द्र (सं). *जाग* मे. प्रियोळ, गोंय: जाग प्रकाशन, 1989.
6. बोरकार, दिलीप (सं). *बिम्ब* जुलाय. आगशी, गोंय: बिम्ब प्रकाशन, 2008.
7. बोरकार, दिलीप (सं). *बिम्ब* डिसेंबर. आगशी, गोंय: बिम्ब प्रकाशन, 2008.
8. शेट, तुकाराम (सं). *कोंकण टायम्स* जुलाय - सप्टेंबर. बेती, गोंय: कोंकण टायम्स पब्लिकेशन, 2008.

# परिशिश्ट

परिशिश्ट – 0 1

# रवीन्द्र केळेकार हांची प्रकाशीत पुस्तकां

| वर्स | पुस्तकाचें नांव | साहित्य प्रकार |
|---|---|---|
| 1955 | सत्याग्रह | (सत्याग्रहाची विस्कटावणी) गोमंत भारती प्रकाशन, मुंबय. |
| 1960 | अशे आशिल्ले गांधीजी | (गांधीजींचें चरित्र-6 वांटे) गोमन्त भारती प्रकाशन, मुंबय. |
| 1961 | कथा आनी काणयो | (रूपक कथा) गोमन्त भारती प्रकाशन, मुंबय. |
| 1962 | आमची भास कोंकणीच | (वैचारीक,शिक्षणीक) कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय. |
| 1962 | शाळेंत कोंकणी कित्याक? | (वैचारीक,शिक्षणीक) कोंकणी भाशा मंडळ, गोंय. |
| 1971 | तुळशी | (नवलिका) जाग प्रकाशन, प्रियोळ. |

| | | |
|---|---|---|
| 1971 | वेळेवयल्यो घुलो | (दिसपटी)<br>जाग प्रकाशन, प्रियोळ. |
| 1973 | भजगोविंदम् | (शंकराचार्याच्या एका स्तोत्राची अर्थावणी )<br>जाग प्रकाशन, प्रियोळ. |
| 1973 | उजवाडाचे सूर | (ललित निबंध)<br>जाग प्रकाशन, प्रियोळ |
| 1974 | भौभाशीक भारतांत भाशेचें समाजशास्त्र | (देशाच्या भाशीक प्रस्नांची चर्चा)<br>कोंकणी भाशा मंडळ. |
| 1976 | हिमालयांत | (भोंवडे वर्णन)<br>जाग प्रकाशन, प्रियोळ. |
| 1977 | सांगाती | (चिंतनां)<br>जाग प्रकाशन, प्रियोळ |
| 1979 | राजा राणी | (भुरग्यां साहित्य-काणी)<br>जाग प्रकाशन, प्रियोळ. |

| | | |
|---|---|---|
| 1980 | ब्रम्हांडांतलें तांडव | (नक्षत्रविद्या)<br>जाग प्रकाशन, प्रियोळ. |
| 1985 | महाभारत एक अनुसर्जन<br>- खंड 1 आनी 2. | ( महाभारताचें अनुसर्जन)<br>जाग प्रकाशन, प्रियाळ. |
| 1995 | तुळशी | (रोमी लिपयेंत नवलिका)<br>गुलाब प्रकाशन, पणजी. |
| 1995 | उजवाडाचे सूर | (निवळावन वाडयल्ली दुसरी आवृत्ती)<br>जाग प्रकाशन, प्रियोळ |
| 1996 | समिधा | (वैचारीक लेख)<br>जाग प्रकाशन, प्रियोळ |
| 1998 | तथागत | (गौतम बुध्दाची जीण आनी सांगणी)<br>जाग प्रकाशन, प्रियोळ. |
| 1999 | ओथांबे | (ललित निबंध)<br>मणिकपद्म प्रकाशन, बांदोडें. |
| 2000 | घुस्पल्लें जानवें | (ललित गंभीर बरपां)<br>जाग प्रकाशन, प्रियोळ. |

| | | |
|---|---|---|
| 2000 | पांथस्थ | (आपजीण)<br>राजहंस वितरण, पणजी. |
| 2000 | सर्जकाची आंतरकथा | (साहित्य सेवेंतले दिश्टावे)<br>जाग प्रकाशन, प्रियोळ. |
| 2003 | आमोरेर | (निबंध)<br>जाग प्रकाशन, प्रियोळ. |
| 2005 | भारतवर्षाची संस्कृतायेची साधना | (वैचारीक)<br>बिम्ब प्रकाशन, पर्वरी. |
| 2005 | तीन पावलां प्रज्ञावादाचीं | (वैचारीक)<br>माणिकपद्म प्रकाशन, बांदोडें. |
| 2005 | अघळ पघळ | (चिंतनां)<br>गोवा कोंकणी अकादेमी, पणजी. |
| 2007 | वेळे वयल्यो घुलो | (दिसपटी-दुसरी आवृत्ती)<br>जाग प्रकाशन, प्रियोळ. |
| 2007 | आशिकुशीक | (चिंतनां)<br>जाग प्रकाशन, प्रियोळ. |
| 2007 | कसलो धीर आनी आधार | (मराठी संतांच्या वावराचेर भाश्य)<br>बिम्ब प्रकाशन, पर्वरी. |

| | | |
|---|---|---|
| 2009 | तॉलस्तॉय | (तॉलस्तॉयची जीण आनी वावर)<br>बिम्ब प्रकाशन, आगशी. |
| 2010 | कषाय मधुर | (वैचारीक निबंध)<br>जाग प्रकाशन, प्रियोळ. |

**<u>रवींद्र केळेकरांची हिन्दी साहित्य संपदा</u>**

| | | |
|---|---|---|
| 1985 | महात्मा गांधी एक जीवनी | (जिवीत)<br>कॉंग्रेस शताब्दि समारोह प्रकाशन, दिल्ली. |
| 1986 | काकासाहब कोलेलकर | (जिवीत)<br>नॅशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया. |
| 1990 | काकासाहब कालेलकर-<br>अधिकृत जीवनी | (जिवीत)<br>प्रकाशन विभाग, भारत सरकार. |

**<u>रवीन्द्र केळेकरांची मराठी साहित्य संपदा</u>**

| | | |
|---|---|---|
| 1964 | कोकणीचे राजकारण | (कोंकणीची राजकी विस्कटावणी)<br>नव-गोमन्त प्रकाशन, मडगांव. |

| | | |
|---|---|---|
| 1970 | जपान जसा दिसला | (भोंवडे वर्णन)<br>कॉन्टिनेन्टल प्रकाशन, पुणे. |
| 1970 | ज्ञाननिधीच्या सान्निध्यांत | (काका कालेलकरांची वळख)<br>वोरा अँण्ड कंपनी पब्लिशर्स<br>प्रा.लि.मुंबय. |
| 2008 | भाषिक संघर्षाचे समाजशास्त्र | (भाशीक चळवळीची समाजशास्त्रीय विस्कटावणी)<br>राजहंस वितरण, पणजी. |

**<u>रवींद्र केळेकार हांणी केल्लो रुपकार</u>**

| | | |
|---|---|---|
| 1962 | नवी शाळा | (शिक्षणाच्या एका नव्या प्रयोगाची कथा)<br>मूळ गुजराती- दिवास्वप्न, बरोवपी- गिजुभाई बधेका<br>गोमंत भारती प्रकाशन, मुंबय. |
| 1975 | मुक्ती | (दोन नाटकुलीं)<br>क्लॉड हॉटनचे The masks and the Faces कथेचेर आधारून बरयल्लें एक नाटकुलें आनी अँडवर्ड आल्बीच्या the Zoo Story नाटकुल्याचो रूपकार<br>जाग प्रकाशन, प्रियोळ. |

| | | |
|---|---|---|
| 1976 | लाला-बाला | (नाटक)<br>मूळ फ्रँच L’invitation au chateau बरोवपी-ज्यां आनुयी<br>जाग प्रकाशन, प्रियोळ. |
| 1977 | तीन एके तीन | (तीन नाटकुलीं)<br>रमाबेन गांधी, मधु राय आनी लाभशंकर ठाकर हांणी बरयल्ल्या तीन गुजराती नाटकुल्यांचो रुपकार.<br>जाग प्रकाशन, प्रियोळ. |

**<u>रवींद्र केळेकार हांणी केल्लो अणकार</u>**

| | | |
|---|---|---|
| 1955 | महात्मा | (कोंकणी)<br>महात्मा गांधीक दिल्लीं आर्गां -अणकार आनी संपादन<br>गोमन्त भारती प्रकाशन, मुंबय. |
| 1955 | मानवता के झरने | (हिन्दी)<br>मूळ गुजराती -मानवतानां झरणां- ग.बा.मावळंकार,<br>सस्ता साहित्य मंडल, दिल्ली, हिदुस्तानी प्रचार सभा, वर्धा. |

| | | |
|---|---|---|
| 1958 | जीवनलीला | (हिन्दी)<br>मूळ गुजराती. जीवनलीला-काका कालेलकर.<br>नवजीवन प्रकाशन मन्दिर, अहमदाबाद. |
| 1984 | ....आनी तांकां मनशांत हाडले | (कोंकणी)<br>मूळ गुजराती- माणसाइना दिवा-झवेरचंद मेघाणी.<br>साहित्य अकादेमी, दिल्ली. |
| 1995 | सगळे मनीस भाव भाव | (कोंकणी)<br>मूळ इंग्लीश- All man brothers.<br>बरोवपी. मो.क.गांधी.<br>गोमन्त भारती प्रकाशन, मुंबय. |
| 1995 | हिन्दु धर्म म्हळ्यार कितें ? | (कोंकणी)<br>मूळ हिन्दी- हिन्दु धर्म क्या है ?-महात्मा गांधी.<br>नॅशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया. |
| 2000 | दिसा सपन | (कोंकणी) मुळ गुजराती. हिन्दु-दिवा स्वप्न-गिजुभाई बधेका, नॅशनल बुक ट्रस्ट, इंडिया. |

**<u>रवींद्र केळेकार हांणी संपादीत केल्लीं पुस्तकां</u>**

1960 Bread labour: Trusteeship

1961 Strikes : Voluntary Poverty

1965 Fasting in Satyagraha, its use and Abuse

1965 Truth called them differently (Gandhi-Tagore controversy)

हीं सगळीं पुस्तकां नवजीवन प्रकाशन मंदीर, अहमदाबाद, हे संस्थेन उजवाडायल्यांत. पयल्या चार पुस्तकांचे गुजराती आनी हिन्दी अणकारूय उजवाडा आयल्यात.

1965 Nations solemn Commitments on Goa

- Jawaharlal Nehru,

Goa Daman Diu Territorial Congress.

**<u>रवीन्द्र केळेकार हांणी तयार केल्लीं काका कालेलकरांलीं पुस्तकां</u>**

(वळेरी पुराय ना )

| | | |
|---|---|---|
| 1965 | सत्याग्रहविचार और युध्दनीती | सर्व सेवा संघ, वाराणासी. |
| 1966 | शान्तिसेना और विश्वशान्ति | सर्व सेवा संघ, वाराणासी. |

| | | |
|---|---|---|
| 1966 सावन | भारत दर्शन(भोंवडे वर्णनां)<br>चार वांटे. 4,5,6,7 | वोरा अँण्ड कंपनी, मुंबय. |
| 1967 | समन्वय-संस्कृति की ओर | सर्व सेवा संघ, वाराणासी. |
| 1967 | राष्ट्रभाषा हिन्दी का मिशन | कृष्णा ब्रदर्स, अजमेर. |
| 1970 | गांधी चरित्र किर्तन | नवजीवन प्रकाशन मंदिर, अहमदाबाद. |
| 1970 | युगानुकूल हिन्दी जीवनदृष्टी | भारतीय ज्ञानपीठ प्रकाशन, दिल्ली. |
| 1970 | विनोबा और सर्वोदय क्रांती | सर्व सेवा संघ, वाराणासी. |
| 1970 | गांधी युग के जलते चिराग | कृष्णा ब्रदर्स, अजमेर. |
| 1971 | गांधीजी का रचनात्मक क्रांतिशास्त्र भाग 1 | नवजीवन प्रकाशन मंदिर, अहमदाबाद. |
| 1973 | स्वराज संस्कृती के संतरी | कृष्णा ब्रदर्स, अजमेर. |

1973 गांधीजी का रचनात्मक क्रांतिशास्त्र भाग 2 नवजीवन प्रकाशन मंदिर, अहमदाबाद.

**रवींद्र केळेकरांचो संकलन वावर**

1963 A Bibliography of Konkani Literature
In Devnagri, Roman and Kanada Characters
Gomant Bharti Publications, Goa.

**रवींद्र केळेकारांचीं नेमाळ्यांतलीं सदरां**

- स्वगत दै. नवप्रभा (मराठी -1980 ते 1999)
- समिधा दै. सुनापरान्त (कोंकणी 1986-87)
- गवाय एका
  कल्पांताचो दै. सुनापरान्त (कोंकणी 1989-90)
- स्वान्त सुखाय दै. सुनापरान्त (कोंकणी )
- नदर संपादप्याची जाग मासिक (कोंकणी, 1988 ते जुलै 2007)

**<u>रवींद्र केळेकरांच्या पुस्तकांचे अणकार</u>**

| | | |
|---|---|---|
| 1971 | काका कालेलकर साथे विविध वार्तालाप | (गुजराती)<br>‘ज्ञाननिधीच्या सान्निध्यांत’ चो<br>अणकार,<br>अणकारपी- सरोजिनी नानावटी<br>वोरा अँण्ड कंपनी पब्लिशर्स प्रा. लि.<br>मुंबय. |
| 1989 | गांधी युग के एक जंगम विध्यापीठ में | (हिन्दी)<br>‘ज्ञाननिधीच्या सान्निध्यांत’ चो<br>अणकार, अणकारपी. साधना गुप्ता.<br>आचार्य काका कालेलकर स्मारक<br>निधी, दिल्ली. |
| 1993 | एका विचाराची जिवीत-कथा | (कोंकणी)<br>‘महात्मा गांधी-एक जीवनी’ चो<br>अणकार<br>अणकारपी-माधवी सरदेसाय<br>जाग प्रकाशन, प्रियोळ. |

| | | |
|---|---|---|
| 1999 | काकासाहेब कालेलकर | (मराठी)<br>'काकासाहेब कालेलकर' चो<br>अणकार<br>अणकारपी-हेमांगी नानिवडेकर<br>प्रकाशन विभाग, भारत सरकार. |
| 2005 | पतझड में टूटी पत्तियाँ | (हिन्दी)<br>'ओथांबे' चो अणकार, अणकारपी-<br>डॉ.माधवी सरदेसाय<br>भारतीय ज्ञानपीठ, दिल्ली. |
| 2008 | जपान पळोवन आयलों | (कोंकणी)<br>'जपान जसा दिसला' चो अणकार,<br>अणकारपी-माया खरंगटे<br>राजहंस प्रकाशन, पणजी. |
| 2008 | Kaleidoscope | (इंग्लिश)<br>वेंचीक कोंकणी लेखांचो अणकार,<br>अणकारपी-विद्या पै.<br>पोप्युलर प्रकाशन, मुंबय. |
| 2010 | ओथांबे | (मराठी)<br>कोंकणी 'ओथांबे'चो अणकार,<br>अणकारपी - रेखा देशपांडे पद्मगंधा<br>प्रकाशन, पुणे. |

## रवींद्र केळेकरांचेर बरयिल्लीं पुस्तकां

| | | |
|---|---|---|
| 2005 | श्रेयार्थी | (चरित्र)<br>दिलीप बोरकार<br>बिम्ब प्रकाशन, पर्वरी गोंय. |
| 2010 | Shreyarthi, DEVOTEE OF THE DESIRABLE | (इंग्लिश)<br>मूळ कोंकणी-श्रेयार्थी-अणकार.<br>डॉ किरण बुडकुले<br>बिम्ब प्रकाशन, पर्वरी गोंय. |
| 2012 | रायटर आनी फायटर रवींद्र केळेकार | (लेख संग्रह)<br>संपादन. डॉ गुणाजी देसाय, श्री. हनुमंत चोपडेकार<br>बटुकाक स्मृती प्रतिष्ठान, मडगांव. |
| 2017 | रवींद्र केळेकरांच्या साहित्यांतलें तत्वगिन्यान | (तत्वगिन्यानाक आपरोस)<br>संपदा कुंकळकार<br>राही प्रकाशन, सालसेत-गोंय. |
| 2021 | भारतीय भासांचें साहित्य घडोवपी रवीन्द्र केळेकार | (चरित्र)<br>दिलीप बोरकार<br>साहित्य अकादेमी, दिल्ली. |

**परिशिश्ट – 0 2**

# भोवमान आनी पुरस्कार


आपले पुराय जिणेंत तांणी कोंकणी भास, कोंकणी साहित्य आनी हेर चळवळींत वैचारीक योगदान दिलां तें गोंयचे भुंयेचे पुनरुत्थानाचे नदरेन खूब म्हत्वाचें थारलां. तांच्या ह्या वावराक लागून तांचो देशान,राज्यान आनी कोंकणी मनशांनी साबार पुरस्कार आनी भोवमान भेटोवन तांच्या वावराची दखल घेतल्या. तातूंतल्या म्हत्वाच्या भोवमानाची ही वळेरी –

| | |
|---|---|
| 1973 – 74 | ‘जपान जसा दिसला’ प्रवास वर्णनां गोंय कला अकादेमीचो साहित्य पुरस्कार |
| 1974 - 75 | कोंकणी भाशा मंडळाचो साहित्य पुरस्कार |
| 1975 - 76 | ‘उजवाडाचें सूर’ पुस्तकाक कला अकादेमीचो साहित्य पुरस्कार |
| 1977 | ‘हिमालयांत’ प्रवास वर्णनाक साहित्य अकादेमीचो पुरस्कार (कोंकणी पुस्तकाक राष्ट्रीय पांवड्यार मेळिल्लो साहित्य अकादेमीचो पयलो पुरस्कार) |
| 1977 | गांधी आश्रम (नागालँड)चे विश्वस्त |
| 1977-79 | कोंकणी साहित्य परिशदेच्या १२व्या अधिवेशनाचे (कोंकणी) अध्यक्ष. |
| 1977-87 | साहित्य अकादेमीच्या वावुरपी मंडळाचे वांगडी. |
| 1987 | गांधी हिन्दुस्तानी साहित्य सभा ( दिल्ली) च्या कार्यकारी मंडळाचे वांगडी. |
| 1988 | गांधी शान्ति प्रतिष्ठान (दिल्ली) च्या संचालक मंडळाचे वांगडी. |
| 1981 | इंश्तितूत मिनेझिस ब्रागांझाचे फॅलो. |
| 1990 | ... आनी तांकां मनशांत हाडले' पुस्तकाक साहित्य अकादेमीचो अणकार पुरस्कार. |
| 1990 | गांधी युग के जंगम विद्यापीठ मे' पुस्तकाक स्वामी प्रणवानंद पुरस्कार. |
| 1992 | ‘काकासाहेब कालेलकर’ (1990) केंद्रीय हिन्दी निदेशालय पुरस्कार. |
| 1992 | गोंय राज्य सांस्कृतीक पुरस्कार. |
| 1997 | गोंय कला अकादेमीचो गोमन्त शारदा पुरस्कार. |
| 2000 | ‘तथागत’ पुस्तकाक डॉ. टी. एम. ए. पै फावंडेशन, मणिपालचो 1999 वर्साचो उत्कृश्ट ग्रंथ पुरस्कार. |

| | |
|---|---|
| 2001 | ‘सौहार्द सम्मान’ उत्तरप्रदेश हिंदी संस्थान, लखनौ. |
| 2004 | ‘आमोरेर’ पुस्तकाक 2003 चो 'जनगंगा' पुरस्कार. |
| 2006 | गोंय विद्यापीठाची डिलीट पदवी. |
| 2006 | ‘म्हैसुरचो सिएलएलए' चो भाशा सन्मान. |
| 2007 | केंद्रीय साहित्य अकादेमी चो प्रतिष्ठेचो फॅलो सन्मान. |
| 2008 | 2006 खातीरचो भारतांतलो सर्वोच्च ज्ञानपीठ पुरस्कार. |
| 2009 | पद्मभूषण सन्मान. |

## परिशिश्ट – 03

## रवीन्द्र केळेकार हांच्या जिवितांतली कांय प्रेरणादिणी खिणचित्रां



खंयच्याय पुनरूत्थानाक वैचारीक बैठक जायच. ती वाचनांतल्यान मेळोवंची आसता.




ओपिनियन पोलावेळार (1967) जनजागृताय करून गोंयकारांचें स्वत्व जागयलें.

पणजे शारांतलो एक मोर्चा.

बोली म्हणत हिणसावपी कोंकणी भाशेक स्वतंत्र भारतीय भास म्हण मान्यता मेळटकच साहित्य अकादेमींत कोंकणीचो प्रतिनिधी म्हूण सल्लागार समितीची पयली बसका.






कोंकणींक राजभाशेचो दर्जो झगडून घेवंचो पडलो. त्या खातीर 'कोंकणी प्रजेचो आवाज' संघटना उबारून रस्त्यार देवले.




**कोंकणीचो प्रस्न दिल्ली मेरेन व्हरून प्रधानमंत्र्या सामकार तो मांडपाची कळाशी आनी कोंकणींक राष्ट्रमान्यताय घेवप हें फायटराकूच जमलें.**

**आनी प्रस्न समजून घेवन कोंकणीचो प्रस्न सोडोवप ही कळाशी राजीव गांधीक समजली.**






**रवीन्द्र केळेकार हांच्या वावराची दखल केन्द्र सरकारान घेतली. पद्मभूषण भेटोवन गौरव केलो. केन्द्र सरकाराचे वतीन गोंय सरकारचे मुखेल सचीव जे.पी. सिंग हांणी तांकां तांच्या घरा प्रियोळा येवन तो भेटयलो.**


पद्मभूषण रवीन्द्रबाब




गोंयकारांचे वतीन तांच्या वावराचो नामवर सिंह सारक्या विद्वानाच्या हातान गौरव केलो.




फायटराचो भोवमान रायटर म्हणून ज्ञानपीठाकूय करचो पडलो.



रायटर जावप हें फायटराक पुरक थारता हाची देख म्हणल्यार रवीन्द्र केळेकार.



जिवीत भर ते श्रेयार्थींच राविल्ल्यान  तांच्या मुखामळार सतत हांसो खेळटालो.